

मार्च १९८५

कुळागर

मार्च १९८५

वर्स : सातवें
अंक : ३

ह्या अंकाचे मोल : ३ रुपया
वर्सुकी पटी : २५ रुपया

संपादक :
प्रकाश थळी
नारायण वादोळकार

जायरात विभाग प्रमुख :
अनिल पै

छापणावळ :
एस. जे. हुंद्रे
रवि मुद्रणालय, कडोलकर गल्ली,
बेळगांव. फोन : २३०७९

छापपी आनी उजवाडावपी :
चंद्रकांत केणी
कुळागर प्रकाशन,
पो. बॉ. नं. ७८
मडगांव–गोंय–४०३६०१

मांडावळ

वाचनाची भूक भागोवपी साहित्य

कोंकणी साहित्याचो पांवडो देवंक लागला असो सूर फाटल्या अकांत आमी काडलो आनी आमचे कांय कोंकणीचे अभिमानी वाचपी रागार जाले. वर्सान वर्स साहित्य अकादमीकडच्यान एका बऱ्या कोंकणी पुस्तकाक पुरस्कार मेळटा, हालींच गोंयचे कला अकादमीनय पांच कोंकणी पुस्तकांक पुरस्कार दिल्यात, हाजेवयल्यान कोंकणी साहित्याचो पांवडो वाडत आसा हें घणघणीत बरें दिसता आसतना 'कुळागर' विपरीत सूर कित्याक काडटा ? अशें ताणीं विचाल्लां.

आमची जाप सरळ. कोंकणीचो तांचे इतलोच आमकांय मोग आनी अभिमान. पुण आमी आत्मसंतुश्ट वा कुडें जावंक सोदिनात. झाडाझाडामदीं अंतर आसता. तायखिळो पावसांत किल्लता आनी सगळें मळभर पातळटा. पुण तो चड दीस तग धरिना. ताजीं पाळांमुळां चड खोल नासतात. एकाद्रो आडांगी भुरगो लेगीत तायखिळचाचें झाड हुमटावन उडयत. माड–वडाची गजाल वेगळी. लेखकांमदीं तायखिळे किल्लले हें पळोवन आमी भुरकुटून वचनात. पुण एकाद्रचा कवाथ्यान मूळ धरिल्लें आमी देखलें जाल्यार आमकां ताजी लक्तुबाय दिसता. कोंकणींत जायते लेखक आसात. कित्याक तर लेखक जावंक खंयचीच परिक्षा दिवची पडना. कांय लेखक सोळा-बीस पानाचीं पुस्तकांय हुतहुतेपणान उजवाडावन ग्रंथकारांचे पंगतीक बसूंक सोदतात. पुण हातूंत कवाथे अशे आमकां चडशे दिसनात. कांय जाणांकडेन भाशेची गिरेस्तकाय आसा; पुण तांची बुद्द मोटवी. कांय जाणांकडेन विचाराची लांबाय आनी खोलाय आसा; पुण तांची भास दुबळी. तुस्त–तोखणाय करपी आमचे जाण्टले आज्यान नातवाल्या पयल्या लुबडचा उतराचें कौतुक करचें ते भावनेन ह्या लेखकांक शाबासकी दितात आनी तांचो घात मारतात, कोंकणीचें नुकसान करतात. बरो आवाज आसलो म्हणून बरो गवय जायना, ताणें गाणें शिकचें पडटा, रियाज करचो पडटा. आमच्या लेखकांक असली साधना करपाची बुद्द कोणच दिना. तांकां तोखेतात देखून तांकां आपलो हात मळबाक तेंकलो अशें दिसूंक लागता. कोंकणी लेखकांचो आंकडो वाडला, पुस्तकांचोय वाडला; पुण सा[illegible] दर्जो देंवला.

आमची कस लावपाची पद्धतय सादी. तु[illegible] वाचक. (आमचे सगळेच लेखक वाचक न्हय) व[illegible] आमकां भूक आसता. जशें मनीस नवें नवें खाण[illegible] आपली भूक आनी रूच भागयता तेच भाशेन व[illegible] बरें बरें आनी नवें नवें साहित्य जाय आसता. आ[illegible] वाचतात ? कोंकणींतलें पुस्तक आदीं वाचतात. [illegible] कोंकणी पुस्तकां वाचतकच आमकां कुंडचांतल्यो[illegible] वेंचच्यो पडटात. कोण फुकूंक बसतलो ? भूक त[illegible] आनी पुस्तक ना. मागीर आमी हेर भासांतलीं वाचतात. अशीं कांय पुस्तकां सासणाचीं आमच्या[illegible] घर करून रावतात. भाशेचें वेगळेंपण आमकां त्य[illegible] आफुडना. खंत भोगता ती इतलीच कि असलें तोला[illegible] साहित्य आमकां कोंकणींत कित्याक मेळना ? [illegible] मनशाली वाचनाची भूक जर कोंकणी साहित्य [illegible] पावना जाल्यार तो दोश वाचप्यांचो न्हय; तर [illegible] लेखकांचो.

कोंकणींत कांय ज्येष्ठ श्रेष्ठ अशे लेखक आनी[illegible] आसात, जांची योग्यताय हेर खंयचेय अविल्ले [illegible] भाशेंतल्या व्हडांतल्या व्हड साहित्यिकापरस इल्ली[illegible] न्हय हें आमी जाणात. कांय बरीं पुस्तकांय [illegible] आसात, जांची तुळा हेर भासांतल्या बऱ्यांतल्य[illegible] ग्रंथांकडेन करूं येत पुण अशे लेखक कितले [illegible] ताणीं बरयिल्लीं पुस्तकां कितलीं ?

चड खंतीचो गजाल म्हळयार धगधगतो [illegible] पालोवंक लागतकच ताजेर जसो गोबोर धरून ताजे[illegible] भंग जाता तशी आवतीकाय आमच्या कांय व्हड ले[illegible] अवेळारच जाल्या. आनी त्या इंगळचापसून दुसरो [illegible] पेटना ! ही अवस्था बदलूंक जाय... इंगळचावयलो [illegible] फूक मारून उबोवपी कोणच ना ? कोळसो पेटोवं[illegible] मारपीय कोण ना ?

आमकां आज तरी कोण होलमना. पुण [illegible] निराश नात...

मनोहर सरदेसायांल्यो खबरी

मनोहरबाब सदां मुमुरख्या हांसतात. म्हाका जाल्यार केन्ना-
[illegible] दिसता, कोणेंय मुमुरख्या हांसूक तांचेकडेन शिकचें. (हें
[illegible]बाब देसायांक समजत जाल्यार मात घात. ते आपल्या कोशांत
[illegible]ले– मुमुर्ख्यों हांसप : मनोहर देसायांवरी हांसप. सावयवेरेंच्या
[illegible]ायांवरी हांसप. कोंकणी कवीवरी हांसप.)

आनीक अेक गजाल–मनोहर बाबांविशीं खुबशेजाणांक लक्तुबाय
[illegible]. ते मुमुरख्यां हांसतात म्हूण, दिसूक मोटवे म्हूण काय
[illegible]वरीं आडेचो आवाज काढून आपल्यो कविता म्हण्टात
... कित्याक म्हूण कोण जाणा ! चड करून ही लक्तुबाय
[illegible]नियन पोलाआदी गोंयात ज्यो राजकी सभा जातात्यो त्यावेळार
दिसताली. मनोहरबाब त्यावेळार सभांनी भाशणां करताले
[illegible]तीं करचेपयली ते केन्ना केन्नाय कविता वाचताले (प्रासंगीक
[illegible] करपाक तांचेसारको दुसरो कापाज कवी कोंकणीत मेळचो
[illegible]प्रसंग घडलो रे घडलो की केली कविता !). त्यावेळार
[illegible]वच्या अेका मनशान म्हाका सांगलें– खरें फट हांव नकळ– कीं
[illegible]रबाब रस्त्यांतल्यान चलताना बडुचीं क्रिस्तांव बायलां ' तो
दोतोर वेता ' अशें अेकमेकांक पुर्तुगेजींत फुतफुतून सांगतालीं
दोतोर वाटेर दिसल्यार ताका लक्तुबायेन जाप दितालीं.

क्रिस्तांवांक मनोहरबाब मानवताले– जावं अजून मानवतात–
[illegible]गेल्या काव्यायपरस तांगले डिग्रीक लागून अशें केन्ना केन्नाय
[illegible] दिसता. सर्वसामान्य मनशाक तशें काव्य व्हडलेशे कळना.
[illegible]कारांनो ! मुंडकारांनो ! जणकारांनो ! गांवकारांनो ! जायात
! जायात जागे ! ' ह्यो मनोहरबाबांल्यो वळी तांका समजतात
[illegible]परांत ' काळखाच्यो धाली सोडून उजवाडाचीं उडलीं पिलां '
[illegible]ांणी ~८० म्हण्टकूच लोकांक फक्कत तांच्या काव्यांतलो फोर्स
[illegible], उतरां कळनात. अशेंच कितेंशें त्यावेळार घडटालें.

गोंयांत त्याकाळार ज्यो राजकी सभा जातात्यो तातूंत
[illegible]रबाबांल्यो प्रासंगीक कविता बऱ्यो फीट् बसताल्यो. आयज
[illegible]ी त्या कविता– नेहरू, शणै गोंयबाब, लोहिया, मिनेझीस
[illegible] हाचवेल्यो– वाचीत जाल्यार तातलो ' सगल्यापरस व्हडलो '
मनीस कोण तो कळच ना. अिंग्लिशींत ' भुरग्या ' खातीर ' मोठचान
वाचपाच्यो काणयो ' (read-aloud stories) म्हूण बरयतात.
मनोहरबाबांल्यो ' जायात जागे ' संग्रहांतल्यो चडशो कविता म्हाका
अशेतरेच्यो लागतात. त्यो मोठचान वाचल्यो जाल्यार आयकुप्याक
अेकसारको ' कट र्र कट र्र कट र्र ' असो आवाज आयकल्याचो भास
जाता. हे फाटभुंयेचेर तांगेल्या ' गोंया तुज्या मोगाखातीर ' ह्या
संग्रहांतल्यो शणै गोंयबाब आनी त्रिश्तांव ब्रागांसवेल्यो कविता वाचात
त्यो वेगळे तरेच्यो जाल्यात. तांगेली अेक प्रासंगीक कविता मात
खुबशे जाणांक मानवतली. ती म्हळचार नेहरू गेले तेन्नां तांणी
बरयल्ली– ' रडू नाका फुला वोगी ' ही. मुंबय रेडियोचेर त्यावेळार
हावें नेहरूचेर एक फिचर बरयल्लें. तातुंत निमाणें कडेन ही कविता
घाल्ली आनी ललिता खांडेपारकारान म्हळ्ळी... अजून ते सूर
कानांत घुमतात.

मनोहरबाबांलो अॅकेडेमीक कॅरियर अेकदम बरो आसा. ' गोंया
तुज्या मोगाखातीर ' पुस्तकाच्या फाटल्या कव्हरावेल्या तांगेल्या
वळखींत म्हळां ' शिक्षणांत सदांच घवघवीत येस. कोंकणी बरप्यां
भितर सदां पयल्या वर्गांत पयले येवपी म्हाका दिसतात ते एकलेच
मनोहरबाब अेम. अे. क आसले त्याच वर्सा डॉ. स. गं. मालशे
–सध्या हे मुंबयचे अेस. अेन्. डी. टी. युनिव्हर्सिटीत मराठी विभागाचे
मुखेल आसात– अेम अे. करताले. परिक्षेचो निकाल लागलो तेन्ना
दोगय– अेकलो फ्रेंचींत आनी दुसरो मराठींत– मुंबय युनिव्हर्सिटीत
पयल्या वर्गांत पयले आयले पूण मजा म्हळचार, मनोहरबाबांनी
फ्रेंचीबराबर मराठीय घेतिल्ली आनी त्या दोन पेपरांनी तांका माल
शेंयपरस अदीक मार्क मेळिल्ले. (ही गजाल म्हाका मनोहरबाबांनी
सांगूक ना, मालशेनी.)

भुरगेपणांत मनोहरबाबांनी ' नवत ' म्हूण एक हातात
काडिल्लें खंय. ही गजाल व्हडलीशी न्हय– हाताळी काडपाची
धवणपणां, म्हाका दिसता, खुबशा कोंकणी ' बरप्यांनी केल्यांत
आनी तांका ' नवत ' ' फांतोड ' ' कवाथो ' ' मांडवो ' ' कुळ
गर ' ' पुनव ' ' शेनाय ' पेपारें... असलींच कितेंशी नांवां दिल्यांत
तें कित्याक, मुंबयतल्या कॉलेजांनी आदल्या काळार जी कोंकणी
मंडळां आसताली तांची वण्टीपत्रां आसताली आनी तांचीय नां

हींच आसतालीं. मनोहरबाबाले 'नबती' विशी अेकूच गजाल म्हाका बरी दिसली. 'तांतली चित्रां लक्ष्मण पै रंगयताले. तांणीच उपरांत मनोहरबाबांल्या दोन पुस्तकांची कव्हरां चित्रांयल्यांत.

कोंकणींत सध्या जे लोक बरयतात तांतल्या चडशांचे बापूय वेपार शिर्वीस नाजाल्यार आनीक कितेंय करतात. अेकलोय साहित्याच्या मळार वावुरता अशें काय म्हाका दिसना. अितलेंच न्हय तर चडशाजाणांच्या बापांयक आपणाले भुरगे कितें बरयतात तें लेगीत खबर नासता आनी कोणेय तें तांगेल्या कानार घालें जाल्यार तें आयकनायकटचार घालतात. अशा वेळार आपलो पूत कितें बरयता तें उमळशिकेन वाचपी आनी ताका चारचौगांत कवतुकान 'आमचो' म्हणपी लक्ष्मणरावांवरी बापूय मेळप ही अेक भाग्याची गजाल. लक्ष्मणराव आनी मनोहरबाब हांचे हरशी संबंद कशे असात तें हांव नकळं. आपल्या 'थळांतल्या खबरीं'त लक्ष्मणराव म्हण्टात: 'म्हाका कांय जाण मेळून म्हण्टात, 'भांगरा-सारख्या पुताक सोडून तू असो वणवण्टा कित्याक ? त्या बरें मागप्यांक म्हजो पूत कितें उतर दिता तें हांव नकळं...' अशें म्हणून ते मुखार कोर्टांत उबे रावून मांडिल्लयावरी आपली बाजू मांडटात. जोंमेरन हे बापूय-पूत अेकमेकांच्या साहित्यिक गुणांची कदर करतात तोंमेरेन तांचेमदल्या हेर संबंदांच्यो ह्या 'बरें मागप्यां'क कित्याक उचापती लागतात, हांव नकळं.

मनोहरबाब फ्रान्साक आसताना अदीं मदीं मुंबय रेडियोक कविता धाडटाले आनी तांचे सकयल 'पारीस' बी बरयताले. त्या कवितांतल्यान म्हाका तांची पयली वळख जाली. त्यो कविता वाचताना कोंकणीत पयलेच खेप वेगळेंचसें कितेंतरी वाचिल्लयावरी दिसलें. उपरांत तांचेविशीं 'सध्या ते दिल्लीक आसतात,' 'आतां हांगां मुंबयत शिकयतात' असल्यो खबरो अदीं मदीं आयकूंक येताल्यो. 'अितलेंय शिकून येवन निमाणो प्रोफेसोरूच जालोरे तो ?' अशेंय कांयजाण विचारताले.

मनोहरबाब आनी म्हगेली पयली भेट केन्ना खंय जा काय म्हाका उगडास जायना. १९६२ सालां गोंयात जी परिशद जाली तिचे ते अध्यक्ष म्हणून वेंचून आयिल्ले. परिशदेक गोयां वेतासताना हांव तांचेबराबर आसलों. (दिसता, त्यावेळार ते मुंबय सोडून गोयां वेताले. कारण सामानांत अेक पुस्तकांचो व्हडलो साक बी आसलो.) गाडयेंत ते आपल्या अध्यक्षीय भाशणाक फिनिशींग टचीस् गुल्ल आसले.

मडगांवां स्टेशनार देंवतकूच हांवे हेवटेन तेवटे मल्ली, परिशदेच्या अध्यक्षांक कोण रिसीव्ह करूंक बी काय म्हणून पळोवंक. थंय कोण नासलो.

दोन दिसांनी कोंकणी परिशद सुरू जाली. बंद गळ्या कोट घालून मनोहरबाब स्टेजीर बशिल्ले. (त्या कोटान ते अध्यक्ष दिसपा. बदला डिस्ट्रीक्ट कलेक्टर कशे दिसताले.) भाशण लोक कवतुकान आनी ताळयांचो कडकडाट करून आ आयकुप्यांभितर तांगेले मांव दोतोर हरी कुडचडकारूय अ त्यावेळार तांच्या तोंडार जे कवतुकाचे भाव दिसताले म्हज्या दोळ्यांमुखार आसात.

मनोहरबाब मडगांवच्या चौगुले कॉलेजांत गेले त थंय आनीक एक मनोहर आशिल्ले. तांचें नांव मनोहर स 'मनोहरबाब' डॉक्टर आशिल्ले, ते मनोहर डॉक्टर न तरीय आसतना 'मनोहर' म्हळ्याबराबर लोकांचो गोंदळ म्हुण कोणेतरी तांतल्यान अेक तोड काडली.- अेकल्याक मनोहर म्हणप, दुसऱ्याक मराठी मनोहर. उपरांत मराठी सरकारी मनोहर जातकूच हो गोंदळ सोंपलो.

सतेसांव

— शशिकांत कृष्णा पुनाजी

साlु भाटीर माडाक 'शेंव' घालपाक गेल्लो. गावान हो रेदेंर. पुण ताचे स्वताच्या मालकीचे अशें हे माड नाशिल्ले राच्या पाया पडून पडून, दा–दा फावटी घराकडे मारून ताणे ह्या माडाची 'पोंय' बांदील्ली.

मनीस भायल्यान दिसपाक बेस बरो. पुण भितल्ल्यान सामको दाखोवपाचे दांत अेक आनी खावपाचे दांत वेगळे. सामको सुवार्थाचो. उपकार नासिल्लो. आनी उलोवप तर सांगूक आपलें सादवचे खातीर आपल्या इस्टाक चण्याच्या झाडार ना तर पैंज ! गोड गोड उलोवपान जग जिखपी मनीस. पल्या सुवार्थांक.

आता 'शेंव' घालून माड सोपिल्ले. सालू काती दूतके घेवन येवपाच्या वाटेक लागलेलो. ताची मांय बरी नासली. ढत आशिल्ले. त्या चिंतेन तो आयज सिरीयस आशिल्लो. इगोर्जे लागी पावलेलो. थंय ताका शेजारचो लूईस मेळ्ळो. रोप दिल्लो कि, 'सालू, मांय खूपूच पेरीगांन आसा ताका तुका येताना पादवीगाराक हाडूक सांगला.' 'पादवीगाराक?' अजापान प्रस्न केलो. 'होय रे सालू, माय पेरीगांन आसा त ताका सतेसांव लावया न्होय ? मोरची आसा तोर मोत्तेली ाचपा आसा तोर वाचतोली.' लुईसान सांगले.

सालूची तोकली सामकीच बेजार जाली. तो भौ दुखेस्त जालो. काती दूतके लुईसाच्या सूवादीन करून इंगोर्जेची वाट एका फूलाचेर एका पाख्यान अबगातीच झपोंय मारपाची सालूची स्थिती जाल्ली. आता माय उरता काय वयता ? का कळनासिल्ले.

पादवीगारान येवन सतेसांव लायले. आता ती सोपतली हे निश्चीत जाले. सालू भायर बसून तोण बारीक करून मायचो न्हिदिल्लो देह नियाळटालो.

ताच्या मायचे नांव जाकीन. जाकीनमायक ८० वर्सां जाल्ली. तीचें तोण भूयेंक तेकताले. तरी पुण तिणे चार दिसा पयलें पोंग काढीतूच घरचे मात काम केल्लें. खरेच. ती सशक्त आशिल्लीच. कित्याक आसूची ना ? तिणीं केन्नाच दर्याचे नुस्ते खाल्ले ना. सदाच पूत 'सोरो' घेवन वतना तो ताका फर्मान सोडटालो, 'सालू, हें पोंय माका बोरीशो एक खाडीच्या नुस्त्याची गांथन ना तोर सूगंटा आनी अेक 'पोयी हाड.' ज्या गांथनीचे २५-३० रुपया मोल आनी जातून फकत ५–६ नग अशी गाथन हाडप हें म्हारगायेन परवडटा व्हय ?

पूण सालू करतोलो किदे ? दर्याचे नुस्ते हाडून तिका किदे ? म्हण तो केन्ना केन्ना म्हारग आसले तरूय तो खाडीचें नुस्ते मायक हाडटालो. जाकीन माय सूवार्थांची ! मागीर पूत किदयाक जावचो ना ? एक नंबरची झगडेकान्न बायल तिका पूत चौघजाण पुण चौघासून फक्त एकूच सालूची बायल तिचे सरसी पुण ते सूने बरोबर झगडपाचे तिणे केन्नाच सोडले ना.

जाकीन मायन चलो आनी चली हातून भेदभाव केलो भुरगी ल्हान आसताना चलयांक वावराक धाडून पूतांक घटायचें बरें बरें खाण करून दिताली. चलयो दुसऱ्याच्या घरांक वतल्यो तांका किदयाक घट कराप ? हे तिचे म्हणणे. तांचे घराणेच सूवार्थी, तिचो घोव लेगीत सूवार्थीच, नुस्तें आडोवपाक म्हण 'कडसर' लायताले, दोघ तिघ मनीस अेकठाय येवप आनी हें काम करप. नुस्ते मेळटकच ताचे वाटे घालताले. हिचो घोव मुकादम तोच वाटे करतालो. वाटे करता करता आपल्या मुखावयलो वाटो व्हड किदयाक करचो ना ?

घोव माड काडटालो तेन्नासांन तिणी सोऱ्याचो थोडो भौ धंदो सुरू केल्लो. मधीच कसल्या तरी दुयेसान तो मेलो. ताचे फाटल्यान माड काढपाचो धंदो सालूच्या गोमटयांन पडिल्लो.

सालू माड काढूक लागतकच तो आकवार आशिल्ल्यान जोडलेली जोड माय लागीच दितालो. दोघ–तिघजाण बेबदयाची गिऱ्हायका जाकिन मायक दिसपट्टी आशिल्लीच ताचो तिणी पूरेपूर फायदो घेवन घराक भांगरांचे नळे घातील्ले. मदीच तिघायनी 'गुरू' घेतलो. आनी तांच्यानी सोऱ्याक राम-राम ठोकलो. तेन्ना ह्या निर्शिल्ल्या मायन एका बेबदयाच्या बायलेक विचाल्ले, 'आगो, तुजो घोव केन्नाय सोरो पियोंचो ना ?' ते बायलेन ना म्हणटकच जाकिन मायन सूस्कारो सोडलो आनी तोण बावोन म्हणूक लागली. 'कितलो सोरो पियातालो तो मुर्जेंकोडे. तांच्या जिवार हाव म्हुजे पोट भोत्ताली पूण... '

आशेल्ले मन आता सामकेच निर्शिल्ले. तिचो धंदो आता थंणावलो. माडाक सुमानाक एक फावटी लेगीत भाटी जावपा इतली सूर मेळा नाशिल्यान जाकिन मायन सूरेन गोड (गूळ)

घालपाचो धंदो सूरू केलो. एक दोन वेळार अबकारी खात्यान धाड घालून बरेच कुसयल्ले गोड धल्ले. तेन्ना जाकिन माय तांका विनयताली, ' ना सायबा, मुजो पूत केन्नाच गोड घालीना. लोक घालता ते पळौन आयजूच पयलेच फावट घातलले. आमी सोदां घालीना सायबा. '

सालूचे काजार आशिल्ले. सालून काजाराक मांयक म्हूणोन बरी १५० रुपयाची साडी हाडली. पूण हे कन्जूस मायन ताका परतून व्हरूक लायली. म्हणूक लागली ' पूता, माका किदचाक रे येदचा व्होडल्या पिरेसाची. माका ५०-६० रुपया मेरेन पूरो. '

काजार जाले. जाकीनमाय वयलो भार देवलो. चल्या-चलयांक ताणे काजार करून वडयले. पूण माय–सूनेचे कसेच पटना. कुसाक वाती लायल्यार तिका बाबडेक म्हूणटाली, ' बोचू मेवळा, बोचू. हाव मोरोंक जाय म्हूणोन कुसाक वाती लायता. तें एक व्हडले चेडी, हाव मरोंक जाय म्हूणोन घाडयागेर देवपाणा करता. तेंच्या फूडचान पासडी पडूंक वतात. काय ना ? हाव हाव मरूची वास्णा ' सालूचे बायलेक म्हणटाली. ' रांडग्या माका मारून उडौंक शांतताय तेंकाच लागोत जयतूलग्या तूजो कोम वाढना. आनी चेडये वाढचो बी ना. ' बाबडी सून दुखेस्त जाताली कुसाक वाती पेटवपाक लेगीत परवानगी ना. स्वताच्या पूताक ' तुजो कोम वाढचोना ' म्हण शिराप दिवाप ? हि माय काय सवत ? आनी तिच्या शिरापानूच जावये सालूगेर आजून मेरेन भूरगी जावपाची चिन्हा दिसनात.

व्हडल्या पूता मदी आनी सालू मदी बरीच मी
जाली. खाशा रक्ताचे भाव कट्टर वैरी जाले. गांव
एकठांय जाले. घराक मदी पार्टीशन करपाचो तांच्य
दिलो पूण जाकीन मांयक तो निर्णय पटना. तिणे १० जण
' आहे पोयले तुमी तुमच्या चूली वयल्यो बुडकूल्यो हात
घोट्ट लायात आनी मागीरूच लोकागेर न्याय करूक या
जिवान जीव आशासोर हाव ह्या घोराची वाटणी कोरचं
कोरची ना. ' जाले धा जणानी सालूले घर गांवा भायर

जाकीनमाय सामकी धरधाकट आशिल्ली. आजू
पडूंग नासिल्लो. दोन सें. मी. जाडयेच्यो नासण्याच्यो दोन
खाताली. तीय बी घरा दळील्ली. केन्नाच मशिनार दळील
भाकर तिणी खांवक ना. गांवातल्या भूरग्याक तिणी नांव
तर गजाननाक ' गजूल्या ' गुरूदासाक ' गुरूल्या '
' मोनल्या ' देवन्द्राक ' देवल्या '... लोकाचे आदले
काडपाची तिची सवय. कोणे ' केन्ना मोरता गे मा
फोकाणानी विचाल्ले तोर तांका गाळी दिल्यो ना तर शप

पूण आयज कोणाक गाळी दितली आसली. आयज ति
बशिल्ली. सतेसांव लायल्ले पुण किदेच उपेग जालो ना.
निमाणी घर् ऽऽ घर् लागील्ली. सगांच्या मार्गार ती आ

सालू चितेंस्त आशिल्लो. ताच्या सामकार रा
आयलो. काल राती तीणी अेका भूता बशीन रातच्या बा
घमघमीत वास दिवपो फणस खावपा बशिल्ली. हो ति
प्रसंग पळोन सालून तिका वढीत व्हरून फाया फण
सांगिल्ले. पूण तिणी ' माल्ली माल्ली ' म्हूणोन मोठ
हात मारून बोंब माल्ली. बरी नासिल्ली म्हण शेजारचे ल
तर हिच रट्टा. ती पळोवन सगळयानी पत्यां पायानी
धल्ली.

आनी आयज ती पेरीगांन आशिल्ली. रातीच भलाय
पूण आयज वाचा बन्द जावन हांथरूणार शेवटीली. ती प
कि... ?. ती आता मरतली हे निश्चीत जाल्ले पूण जी
काकू करताली. ती बरा बरा करून सालू कडे पळयत रा
आनी सालू तिचे कडेन पळौन.

सालू धाकटो आपूरबायेचे चलो. जरी तीणी ति
वा उलयली तरी ताका रातचो वगत् जायत तर हुस्को
एक मोग करणाऱ्या दोघां जशी अेकमेकाची वाट पळय
तसीच ती पूताची वाट पळयताली. पूण खंय तो भाग
मोग ? आनी खंय हो आवयचो मोग.

पावसाचे दिस. घरासामकरल्या न्हंयक हुवांर आयी
आता निमाणी घर् ऽ ऽ घर लागिल्ली, तिच्यो सगळचो
दुडवांची पोटली तिच्या पोटार दवरल्ली. सालूक अे
खबर दिली कि ताची होडी हूवारांन व्हावन गेली. ज
अेंकदाच वयर पळयले आनी तीणी वस्तीर दूडवार आ
सोडलो. सगळयांचो रडपाचो एकूच आवाज जालो.

ना, खेद ना !

—चंद्रकांत केणी

सुरें मळब उबगल्लें आसूयें, धर्तरेकडेन गजाली करूंक
लें. म्हाकाय आज दुसरें कसलेंच काम नाशिल्लें.
ल्या करमलीच्या झाडामुळा ओल्तेर घालून हांव बसलों.
ल्लो आनी सैमाच्या आंगावयल्या पांचव्या शालूवयले
टांचे पांचवे रंग नदरेंत भरताले. गुरवार बायलेवरी
वटवीत आनी तृप्त दिसतालें. मळबार विस्कळ धवीं-
पातळिल्लीं. तीं उफेतालीं आनी एकमेकांत भरसून
ळावतालीं. करमलीच्या झाडाचेर लेगीत नवी कांत
ह्या झाडाभोंवतणी विमलाची याद घुस्पल्या. आमच्या
यल्या वाडदिसा आमी तो रोपो रोयिल्लो. म्हज्या
रागीश्ट घोवाकडेन दीस सारून आनी संवसारांतल्यो
न लेगीत तिणे केन्ना 'हाय' म्हळें ना वा हार खाली
ोंण बावूक दिलें ना. पुण काळजाचें दुयेंस जालें आनी
ोतर सगळचांक फटोवन तिणे दोळे धांपले... मर्णाकडेन
काय हांव हारलों हें अजून म्हाका समजना.

ान आपली दोन स्मारकां म्हजेर सोंपयल्यांत. हें
ाड आनी आमची चली सुलक्षा. झाडाचीं पाळां मुळां
ल रुजल्यांत. ताजो सांबाळ करप सोपें, पुण चलते
ल्ले सवरिल्ले सुलक्षाची जतनाय घेवप म्हाका जमलें
वशी म्हाका जी भिरांत दिसताली, जो हुस्को जातालो
तागेले जिणेंत घडटा. तें आतां ल्हान उरूंक ना.
हुमरो ताणे निक्तोच हुपून ते एका अशा जाग्यार
पावलाक चुकल्यार अनर्थ घडूं येत.... न्हंयेंतल्या
स्पत.

कल्पनेंतले सुलक्षा घडये म्हाका केन्नाच पळोवंक मेळचें

डिल्ले म्हाका नाका आशिल्लें. पुण हांव तें आडावंक

दोन :

सुलक्षा आज येतलें म्हणून हांव ताजी सकाळसावन वाट पळयतां. घडये अचकीत येवन 'हल्लो बाबा, किते करता?' म्हणून विचारीत म्हज्या मुखार येवन बसतलें. मागीर पोरसांत भोवन फुलांची तोखणाय करतलें.

सुलक्षाक हावें फुलावरी सांबाळ्ळां अशें म्हज्यान म्हणूंक जावचें ना. पुण सुलक्षा एक घरंदाज चली जावची, एका कुलीन घरची सून जावची, ताजें आपलें अशें आगळें वेगळें व्यक्तिमत्व फुलचें अशें म्हाका खुब दिसतालें. बायलांच्या परंपरेन रूढ जाल्ल्या बंदेपणाचे पास ताणे तोडचे, पुण बायलपणाची मर्यादा, लज भीड ताणें सोडची न्हय अशें म्हाका दिसतालें.

सदांवरी सुलक्षा आयलें आनी मुखावयल्या कदेलाचेर बसलें. ल्हानपणांत म्हाका पळेनाफुडें ते जशें हांसतालें तशेंच आजय हांसलें. मोतयांवरी दांत आनी पोल्यांवयल्यो खळयो ही ताका आवयची देणगी.

'बाबा, आज मळबार कुपां दाटून आयल्यांत तीं पळयल्यार खूब्ब पावस पडटलो काय दिसता. पुण एकूय कूप झडना.'

म्हाका दिसलें म्हजे चलयेचेर खोशी आनी समृद्धीचो पावस अखंड झडूं ... पुण दुःख आनी निराशेची कुपां तिज्या मळबार केन्नाच येवचीं न्हय.

'जाणा तूं सुलक्षा ... तुजी याद येनाफुडें मन कांचवेवंक लागता. अशें कित्याक घडटा समजना.'

'हांव तुजेपसून आता पयस उरतां ... नदरे भायर उरतां ... म्हणटकच तुका म्हजी याद येता आनी ते यादींतल्यानच तुका हुस्को जाता.'

'हय बाये, तूं जंय आसा थंय सुखी आसचें अशें म्हाका दिसता.'

'तुज्या आशीर्वादान हांव सुखी जातलें. पुण म्हजो हुस्को करीत बसपाइतलें हांव आता ल्हान आसा?'

आपुण आतां ल्हान ना ... नेणटें उरूंक ना अशें सुलक्षाक दिसता. आतां आपलें निर्णय आपुण घेवंक मेकळें, हांवें तातूंत लक्ष घालचें न्हय वा आडमेळी हाडचीं न्हय अशें तें सांगूंक सोदता आसूयें.

हांवें ताजे फाटीर हात दवल्लो आनी म्हळें, 'सुलक्षा तूं आतां जाणटें जाला हें हांव जाणां. बरें वायट येवजुपाची बूद्द तुका आसा. पुण म्हज्या मनांत दुबाव आनी भयाची पाल चुकचुकत रावता ... एकाच वेळार तुजो बापूय आनी आवयय म्हाका जावचे पडटा म्हूणून आसत.'

म्हजे दोळे ओले जाले काय आवाज कांपरो जालो ?

'कितें जाले तुका बाबा ?' अशें कळवळून सुलक्षान विचाल्लें.

'तूं आतां शेखरासांगता रावता अशें आयकलां ... खरें तें ?'

म्हजो प्रस्न ताका अपेक्षित आशिल्लो जावयें, मातय गडबडना आसतना ताणें म्हळें, 'हय बाबा, हांव तुका तेंच सांगूंक आयिल्ले. हांव शेखरागेर रावंक गेलां हाजें जायत्या जाणांक अजाप जालां. आनी लोक कितेंकितें उलयतात हांव जाणां. पुण तूं गैरसमज करून घेवचो ना हेंय हांव जाणां.'

'सुलक्षा, हें पळे, म्हज्या समजाचो वा गैरसमजाचो प्रस्नच ना. पुण म्हाका दिसता तूं एका भोवऱ्यात घुस्पलां ... ... तूं भावने-भरशीं कुडें जाला. सुनिलान अशें तुजें कितें वांकडे केले ?'

खीणभर तें येवजूंक लागलें. मागीर सांगूंक लागलें, 'सुनिलान म्हजें कांयच वांकडे करूंक ना हें खरें ... ताणें म्हाका खूब आनंद आनी सुख दिले ... मोगूय उपाट दिलो. पुण इतल्या दिसांच्या सांगाताउप्रांत हांवें पळयलें कि आमचे मार्ग वेगळे ... आमची चेव्हलेंज वेगळी ... ताजी जी अपेक्षा आसली ती म्हाका पेलपाची न्हय ... आनी म्हजी अपेक्षा ताका रुचपाची न्हय ... मागीर एकठांय रावपांत अर्थ नासलो ... सुनिलय तें समजतलो ...'

सुलक्षा कितल्या सादेपणान उलयतालें ! इतली किरकोळ ती गजाल? हांवें म्हळें, 'सुनिलागेर रावक वचचे आदी खूब वर्सां तुमची इश्टागत जमिल्ली. तेन्ना तुका दिसलें आपली जीण ताका ओंपची ... लग्नाचें बंधन तुका नाका आसलें ... सुनिलानय तें मानून घेतलें ... हांवें आडमेळे हाडले ना. आतां एकाएकी ताका सोडप तुका कशें जमलें ?'

म्हजी जाप आयकून सुलक्षा मात्शें निर्शेलें आसूंक जाय. गुन्यांवकारावरी तागेलो आवाज घोगरो जालो. ताणें म्हळें, 'फस्काची काडी पेट्टा तोंवर तो उजो; पालवतकच ती भायर उडोवंकच जाय ?'

तें कितें सुचयतालें ? ताजे नदरेन हांव पालविल्ली फस्काची काडी जावंक ना मू ?

ताजी जाप आयकून म्हजें दुःख वाडलें. हांवें म्हळे, 'हांव जाणां सुलक्षा, तूं येवजून पावल उखलता. पुण एक सांग शेखराचे, आनी तुजे संबंद कसले ?'

ती जाप ताणे तयार दवरिल्ली दिसता. 'शेखर एक चित्रकार ... एक फांकीवंत चित्रकार. ताका हांवें पळेलो आन दिसलें, ज्या दादल्याचीं सपनां हांव पळयताले, जाका हांव तो हो.'

'पुण सुनिलागेर रावंक वतना तुवें असलीं उलयिल्ल्याचो म्हाका उगडास जाता.'

सुलक्षा हाल्लें ! ताका म्हजी उत्तरां रोंबलीं अप्रुपाचें ... भावनांनी फुलिल्लें वय आसलें. वज्र पळोवचे अ चकचकीत थीक पळोवन भुल्लें ...'

म्हाकाय तोच दुबाव आयिल्लो. पुण हें तरी खरेलें क थीकच ? थीक म्हणपाचें फाल्यां समजलें जाल्यार कितें काय ?

हांवे म्हजो प्रश्न ताका सांगलो तेन्ना ताणे शेख गावंक आवाज मेकळो केलो. 'शेखरावरवी म्हाका म्ह पर्यंन गावलां ... तो वळखला, हांवें ताका पारखिला ... मोग पळोवनच म्हजें हांव म्हाका होलमूंक लागला ... रिकामे कोनशे लेगीत आतां भरून आयल्यात ... जिणेंतल हें मनीसजल्माचें व्हडात व्हड मूल्य. जियेवपांची नदर म्हाका दिली ... म्हजीं क्षितिजां विस्तारूंक पावलीं ...'

'पुण शेखराक लग्नाची बायल आसा न्हय ?'

'आसा ... पुण ताणीं वेगळीं जावपाचें थारायलां कारणां आसतलीं ...'

'आनी तो तुजेकडेन लग्न जातलो ?'

'लग्न ?' सुलक्षा उसळ्ळें, 'तें बंधन ... समाजान ती बेडी ... ती नाका म्हूणूनच तर हांवें सुनिलाक सोडलो ..'

'पुण शेखराले बायलेचो तुवें विचार केला ? म्हु तिका ?'

'आमी मर्दी मेळ्ळयांत. पुण हे विशयाचेर ती उलोवंक ना. ती एक नांवाजतो ब्युटिशियन. ती खूब मॉडलिंगचें कामय करता.. तशी तिगेली जीण स्वतंत्र.. दिसता आमचे संबंद तिका मान्य आसात ...'

'कित्यावयल्यान ?'

सुलक्षान जाप दिली ना.

म्हाका दिसले. सुलक्षाक आपली चूक दाखोवन दिल्ल पुण म्हज्या मनांत येताले ते सगळे प्रस्न ताज्या कानार हांवे थारायलें.

'सुलक्षा, सुनिलाकडेन तुवें लग्न केलें ना. पुण घो कशीं राबली. आतां तुवें सुनिलाक सोडलो आनी तू शेखर रावता ... लग्न हें तुका बंधन दिसता ... साडी बदलता जाल्यार घर बदलतात तशे तू दादले बदलता .. हे खंयचे बसता ?'

'बाबा, नीत संस्कारांतल्यान येता. घोव-बायल ह हे दोन मनश्यांमदले. समाजाक ताचे कितें लागता ? अं

एकठांय रावतली... लग्न म्हळचार एक विधी, एक
पुण इत्शेप्रमाण घोव वा बायल सोडपाची वा बदलपाची
लग्न दिना... विश्वास आसत तोंवर लग्नाचो करार
जाय ? आनी विश्वास सोंपलो जाल्यार त्या कराराची
ात दवरून फायदो कसलो ? '

लक्षालें म्हणणें खोडून काडपाची इत्सा जाली ना. तशें
अर्थय ना.

जाणा मगो सुलक्षा. तूं सांगता तें खरें. एका अर्थान हांव
लविल्ली फस्का– काडी जालां. '

अशे कित्याक म्हणटा तूं बाबा ? हांव आतां तुजे जिणेचो
म्हजेखातीर केन्नाच पालोवचो ना. '

ातां सुलक्षाक हुंडको फुटलो. हांवें ताका थापटिलें तशें तें
रगले.

बाबा, एके फावटी तूं शेखराक कित्याक मेळना ? '
ांवे जाप दिली ना.

चा दिसांनी विमलाची याद खूब येता. विमलाची माया
जाल्यार घडये सुलक्षा अशें जावपाचे न्हय. बापूय भुरग्याक
. पुण संस्कार आवयनच दिवपाचे आसतात अशें म्हाका
ागलां.

ाल शेखर म्हाका मेळुंक आयलो. अचकीत आनी एकलोच.
हांव शेखर ' नमस्कार केल्लेभशेन हात जोडून तो म्हजे
बो रावलो.

ांव मात्सो गोंदळळों. कितें उलोवचें, कशें उलोवचें हे म्हाका
जालें.

ाणेय म्हळें, ' सुलक्षान म्हळे... नाय जाल्यार तुमकां एक
ेळूंक येवपाचे थारायिल्लें हांवे... '

एक आंतरराष्ट्रीय नामनेचो चित्रकार तूं. तुका मेळपाची
इत्सा आसली... बाकी चित्रकलेतलें म्हाका व्हडले कांय
'

लक्षा म्हणटालें तें लटकें न्हय. शेखर सुंदर दिसतालो,
केंस ताज्या माथ्यार सोबताले... अध्यात्माचेर प्रवचनां
विचारवंताचे गांभीर्य तागेल्या तोंडार दिसतालें. दोळे
्या मनशाक नमतें घेवंक लायताले. लांब आनी एकशिवड
, उलोवपाच्या उतरांत आत्मविस्वासाची जडसाण... आवरण
ा स्त्री देहाच्या माध्यमांतल्यान तो सुख-दुख, पिडापीड
ोशी उक्तायता म्हणटात... तो विशय आयलो तशें ताण
म्हजेर तरेक तरांची टीका जाता... पुण स्त्री देहाच्या
अश्लील कांयच नासता. '

वें जाप दिली ना. तो उलयतालो आनी हांव आयकतालों,
योगायोगान आमी मेळ्ळीं... लागीं आयलीं, इश्टागत
मली तें कळ्ळच ना. सागाताचे जे खीण आमच्या वांट्याक

आयले. ते म्हजे जिणेंत आयलें आनी म्हजी जीण बदल्ली... गिमांत सुकून सडसडीत जाल्ले जमनीर पावसाच्या शिवरान जशी पांचवीसाण रातयांत किल्लता तशें म्हजे जिणेंत घडलें... जी बायल हांव सोदतालों ती म्हाका गावली...

सुलक्षा आनी शेखर हांचो एकमेकांवयलो मोग आनी तांची निश्ठा हांचेविशीं म्हज्या मनांत दुबाव उल्लो ना. पुण शेखराले बायलेचो कोणूच विचार करिना... ?

शेखराक हांवे सांगलें, ' हांव तुका मानतां. तुज्या आनी सुलक्षाच्या विचारांकडेन हांव एकमत जायना आसलों तरी ते विचार तर्कशुध्द आसात म्हूण येत. पुण तुजे बायलेचें कितें जातलें ? '

' म्हजे आनी बायलेचें–लताचे–नाते आगळें. फाटलीं दोन वर्सां आमी भाव–भैणी भशेन रावतालीं... आमकां एक चली आसा. तिका घेवन वेगळें रावपाक लता तयार आसा... न्हय तें तशें रावता. आमी लग्नाचे गांठीन बांदिल्लीं... घटस्फोट घेवपाक आमी दोगाय तयार आसात... तशें लता हुशार... आपल्या व्यक्तिमत्वाचो विकास जावपाखातीर आपुण स्वतंत्र उरूंक जाय अशें तें मानता. '

' सुलक्षा आनी तूं लग्न करतले ? '

' करपाक हांव तयार आसां. पुण सुलक्षाकच तें बंधन नाका. तागेलें म्हणणें लटकें न्हय... लग्नाची गाठ तुटू येता वा कापूं येता... पुण योग आसासर सांगातान रावपाचें...

सुलक्षा आनी शेखर एकसारकी भास उलयतात... एकेच तरेचो विचार करतात. लाचारीच्या आघातांतल्यान उदेल्ल्या धाडसांतलो तो रोमान्स अशें म्हाका दिसलें. हें बंड कोणाआड ? कित्याखातीर ? समाजा आड ? समाजान तांचें कितें वांकडें केलां ?

चार :

दुसरे एके बायलेचो संवसार बाऱ्यार घालून सुलक्षान तिगेलो घोव ' हायजॅक ' केला अशें म्हाका दिसूंक लागला... एके ल्हान चलयेक बापूय ना केला... हो गुन्यांव... सुलक्षावांगडां हांवय गुन्यांवकार... हांवें कितेंय तरी करूंक जाय. हांव सुलक्षालो बापूय. हांव मोन्यांनी हें कशें पळोव ?

हांव लतागेर गेलों. खंय तरी भायर वचपाची तें तयारी करतालें. त्राशिक नदर करून ताणे दार उकतें केलें. म्हजी भायले-भायर रवानगी करपाच्या विचारांत उकत्या दारांत आपुण उबी रावली.

' यस्.... '

' हांव सुलक्षालो बापूय... '

' म्हजी बळख कळनाफुडें ती कुशीक सल्ली आनी म्हाका भितर आपयलो.

' हांव चड वेळ घेना... तुका मेळचें अशें दिसलें देखून आयलों... '

' बसात तरी ' लतान म्हाका येवकार दिलो. ' येतां आं '

हुणून ते भितर गेलें.

तागेल्या आंगावयल्या सेंटाचो मंद परमळ म्हज्या नाकांत ल्लो... स्टिरियोचेर वाद्य संगीत वाजतालें... तेंय मंद.

थंड ज्यूसाचो एक ग्लास म्हज्या हातांत दिवन लता म्हज्या मुखार बसलें.

'तुमी आयले हाजी खोस जालीच... नाय जाल्यार तुमी म्हगेर खंय पावपाचे ?... पुण तुमी फोन केल्लो जाल्यार हांवच तुमगेर येवपाचें.'

'ना. हांगा येवन तुका मेळप हें म्हजें कर्तव्य अशें हांव मानता.'

लतान कांयच जाप दिली ना. तें मंद हांसलें. हांव ताका पळेतालो. उलोवपाची, हांसपाची, चलपाची, न्हेसपाची इतलेंच न्हय घर सजोवपाची लेगीत तागेली एक खाशेली तरा आसली. म्हाका दिसले. इतली सुंदर, इतली व्यवस्थित बायल मेळिल्ली आसतनाय शेखर असो कित्याक वागलो ? खरेंच तिजो आंगलोट सुंदर, कांत सोबीत, रूप अप्रूप आनी तोंडार शिरवंतकाय आसली.

'लता, तुज्या वांटयाक जे आयलें ताका म्हजी चली कारण जाली हाजी म्हाका खंत भोगता... सुलक्षाची घडण हांवेंच केली... ल्हानपणांतच तागेली आवय भायर पडिल्ली... देखून तुजेवयल्या अन्यायाची जापसालदारकी म्हजेरूय येता... हांव तुजी क्षमा मागूंक आयलां'

लता एकदम उठून उबें रावलें आनी खुणेनच म्हाका ... वंक लागलें. 'हें तुमी कितें उलयतात ? म्हाका कसली ... ना... कोणाचेर राग ना... मत्सर ना. शेखरान आनी हांवें ... रावप ही अकल्पित गजाल न्हय... तें घडपाचेंच... ताज्यो ... पुराय करप म्हाका जमपाचें नासलें.'

तागेल्या उतरांत कडूपण नासलें आनी तें गडबडिल्लेय ... ना. येवजून आनी मेजून मापून उलयता अशें दिसतालें...

'लग्नाच्या घोवापसून वेगळें जावप ही नाय जाल्यार ... गजालच, न्हय चड करून भुरगें आशिल्ले बायलेक ?'

लता म्हाका पळेत रावलें. पर्थून कदेलाचेर बसलें.

'पळेयात... सुलक्षालो बापुय हो म्हाका बापाय सा... तुमकां लटकें हांव कशें सांगू ? इतलेंच म्हणून कि हांव ... म्हज्या काळजाक आफडूंक हांव दिना. सुख आनी खोशी ... परिस्थितींत म्हाका सोडना. तांचेबगर हांव जगूंक शक... पळापळाक... खीणाखीणाक म्हाका खोशी जाय... संवसाराच्यो चिंता आनी विवंचना आंगार पडिल्ल्यो घोयरां... हांव झाडून उडयतां. जगपाचें अशे कितले दीस ? मागीर ... करीत बसल्यार जगप केन्ना ?'

हांव तागेली बुद्द आनी सोबीतकाय तोखेत रावलों.

'अशे येवजूंक कित्याक पडले ?' ताणेंच म्हाक... 'सुलक्षा तुमची चली. ताका तुमी वळखतातच. हांवय ... वळखतां. तें खूबच सरळ, सादें आनी सुंदर चली. काळजाचे ... आनी संवेदना वळखुपाची तांक ताज्यांत आसा. शेखर एक ... संपन्न कलाकार, एक समर्थ पुरुष... मायेस्त... आनी ... सल्ली देखून तो वायट जायना. सुलक्षा आनी शेखरा... सोबतलें. हांवें शेखराचेर मोग केला... ताजो दुस्वास कर... म्हाका जमचें ना... तो सुखी उरचो हीच म्हजी वान्सा... ताका तें सुख दितलें.'

लता इतलें सगळें उलोवन गेलें कि आतां हांवें ... उलोवपाचें उरूंक ना, अशे म्हाका दिसलें. हांव उठलों...

'लता, हांव चोर जावन आयिल्लों.... आतां वत... आनीक एक चली मेळ्ळी अशें मानून....'

लता हांसलें. 'आनीक एक सांगूं ?... राग येव... न्हय ?' ताणें म्हाका विचाल्लें...

'ना... सांग.'

'तुमी ह्या फुडें सुलक्षा आपली चली अशें येवजून ... फावना.., तें आतां शाणें आनी जाण्टें जालां...'

हांवें लेसान दोळे पुसले आनी फाट फिरावन घरा प...

गजाली

— अना म्हांबरो

म्हाज्या म्हातारेच्या तोंडांत कित्याक ? घाल तुज्या
ा हेतूंत. म्हाका सांगूचां आसां त्यां ह्यां– आरे मुकल्या-
ां सगळयांचां भौ कल्याण केलंय. कोणांक शिर्विस दिलय,
ानीक कितें दिलय. तूं जर अशें सगळयांक कितें ना कितें
ा जाल्यार हांयां राणेन काय मागल्यार नाय म्हणूंचो ना.
ांय व्हयां तां डायरेक सांगतंय. म्हाजो झील आसा न्हू
ुज्या वांगडचो मरे. तूं जालो मुकल्यामंत्री आनी तो रवलो
र आवशिझवऱ्याच्या संवसाराक सदाच बुराक पडला.
अेकटांच अपुर्बायेचां पोर आसा. सगुणां. फाटल्या माघांत
क चवथां सरून पांचयां लागलां हा. इट्टलागेर अेकलांच
सुद्धां नव–नवसांनी जाल्लां. पुण तेचें लाड करपाक सुद्धां
क जायना. तेचो म्हण गुन्यांव नाय. मानायपण करून
जोडटलो आनी आमच्या चौगांचीं पोटां भरतलो. त्या
मयां आजी. पुण म्हाज्यान राणेच्यान काय करूंक जातय ?
सांगूचा आसा ता ह्यां– पोर सगुणां आंगार कपडयाची
सून नागडां फिरताहा.'

भाशण म्हाका मानवता तशेंच तुमकांय मानवता जायत
कोणाचें हें समजून घेवपाची तुमकां अुमळशीक आसा
ुंडलीक नायकाचें साहित्य अकादमीचो पुरस्कार मेळिल्लें
पुस्तक वाचात. तातूंत पांच नाटकुलीं आसात : १) अेका
ंय, २) पावणी, ३) मर्णकटो, ४) आनी अेक पोर
अुरता, आनी ५) खामसुत्रीं. हांतल्या ' आनी अेक पोर–'
ुल्यांत अेका मुखेलमंत्र्याक पन्नास वर्सां जातात देखून अेक
त ताचो सत्कार करता. त्या दबाडयांत अेके जाणटेलेन
ाशण. मुजरत ' चौरंग ' वाचात.

े रस्ते

शिनाथबाब नायक (बयाभाव) हांणी अेक फावट अेक
गल्ली, मुंबयच्या अेकाद्रया रस्त्याक शणै गोंयबाबांचें नांव
ाखातीर अेकाद्रया नगरपित्याक फावोर घालचो... हो
वन ते अेकफावट धर्मानंद कोसंब्यांकडेन गेले. त्यावेळार
तांकां म्हळें, मुंबयतल्या रस्त्याक नांव दिवप ही काय
ाल न्हय... गिरगांवांत अेका रस्त्याक अेके नायकिणीचें

गजालीक पस्तीस–चाळीस वर्सां जाली जातलीं. त्या
यतल्या चडशा रस्त्यांक व्हड मनशांची नांवां दिताले.
नांव दिवपी मनीस व्हड फुडारी, शिक्षणतज्ञ, समाजकार्यकर्तो, दान-
शूर मनीस बी आसताले. अेकाद्रो मनीस तसो नापलो आनी तरीय
ताचें नाव अेकाद्रया रस्त्याक दिलें जाल्यार लोकांक वायट दिसताले.
पुण ही गजाल आता बदल्ल्या. मुंबयतल्या रस्त्यांक, गल्ल्यांक,
चौकांक अशीं कांय मनशांचीं नांवां दिल्यांत की जांकां नांवा–दिवपी
लोक सोडल्यार हेर कोणूच वळखनात. कांयजाणांक लोक वळखतात
पुण ते व्हड मनीस न्हय ह्या अर्थान.

ह्या संदर्भांत मुंबयतल्या अेका नेमाळयांत हालींच अेक लेख
आयला. तातूंत माहिती दिल्या ती अशी : बोरिवलीक आप्पासाहेब
सिधये हाच्या नांवान अेक रस्तो जालो. हो मनीस कोण काय म्हुण
खबर काडली तेन्ना समजलें की हाणें बोरिवली–पूर्वेक श्रीकृष्णनगर
कॉलनी अुबाल्ली. बरें, काळाचौकीक दत्ताराम लाड हाच्या नांवान
अेक रस्तो आसा. हो मनीस कोण ? म्युनिसिपालटीच्या रेकॉर्डसां-
प्रमाण तो ' काळाचौकींतलो अेक व्यायामपटू. ' ग्रँट रोड लागसार
अेक ' अहमद अुमर मार्ग ' जालो. ह्या मनशाचें व्हडपण म्हळयार
ताणे त्या रस्त्यावेल्यो सगल्यो पोन्न्यो बिल्डिंगो विकत्यो घेतल्यो
आनी त्यो मोडून थय नव्यो बिल्डिंगो अुबाल्ल्यो.

वरळीक शिवराम अमृतवार ह्या मनशाचें अेका रस्त्याक नांव
दिलां तो ' वरळीचो अेक व्हड लुगटांचो वेपारी ' ('व्हड' म्हळयार
केदो काय) कामाठीपुरांत बनातवालचें नांव अेका रस्त्याक आनी
तीन गल्ल्यांक दिलां ताची ' त्या वाठाराक खूब अिस्टेट आसली '
अशें म्युनिसिपालटी सांगता. परळीक ' बाळगेट मदुरकर मार्ग'
आसा. हो मदुरकर म्हळयार ' अल्फिन्स्टन रोड लागसराचो अेक
समाजकार्यकर्तो ? भारत–पाकिस्तान झुंजांत हुतात्मे जाले अशे
मुंबयत कितलेशे जवान आसात. तांतले दोग–तीग जाण सोडल्यार
हेरांची ह्या शारांत नांवनिशाणी ना. हाचे अुरफाटें, जोगेश्वरीक
लेफ्टनंट सुरेश गजानन सामंताच्या नांवान अेक रस्तो आसा ताणे
खंय ' भारतीय आरमारांत भितर सरून प्रामाणिकपणान देशाची
सेवा केली. ' (आरमारात हेर लोक भितर सरतात ते कितें करतात
काय ?)

रस्त्यांक नावां दिवपाची हेरकडेन चाल आसा तशी मुंबयतूय
आसा. फक्कत हे चालीक आतां रॅकेटचें रूप येवंक लागलां. १९४७
ते १९६० ह्या काळांत म्युनिसिपालटीन फक्कत ३८ रस्त्यांक नांवां
दिल्लीं, जाल्यार १९६१ ते १९७० ह्या कालांत खंय हो आंकडो
१०० वयर गेलो आनी फुडल्या धा वर्सांक (१९७०–८०) साडे-
चारशेंवयर रस्त्यांचो मुंबयच्या नगरपित्यांनी बारसो केलो.

शिवाजीपार्कांचेर अेक 'अॅश लेन' आसली ताका बाबरेकराचें नांव दिलां. 'हो मनीस १९३२ ते १९३९ ह्या काळांत नगरपितो आसलो अितलेंच तागेलें व्हडपण. मुंबयच्या नगरपित्यांचो रस्त्यांक, गल्ल्यांक नांवां दिवपाचो सोस कितें पळेतलो? कांय रस्त्यांचे जाल्यार दोन वांटे करून तांणी दोन नांवां लेगीत दिल्यांत. देखीक प्रभादेवीक तुमी शंकर घाणेकर मार्गावेल्यान नीट चलत रावशात जाल्यार तो मार्ग सोंपून तुमी अप्पासाहेब मराठे मार्गाचेर केन्ना पावले तें तुमकां कळचेपसून ना.

अजून मुंबयच्या रस्त्यांची पोन्नी नांवां वाचताना बरें दिसता. गांधी, नेहरू, पटेल, विवेकानंद, फिरोजशहा मेहता, वीर नरीमन हांचेबराबर सेनापती बापट, साने गुरुजी, सावरकर, आंबेडकर, दादासाहेब फाळके, जमशेटजी जिजिभॉय, दिनशॉ वाच्छा हांची नांवां वाचताना कसलेंच किलमीष मनांत येना. पुण ह्या लोकांभितर मदींच अेक आर. बी. कदम आयलो की प्रस्न पडटा, हो कोण काय? मागीर तुमका कोणतरी सांगता अेक पी. आर. कदम म्हूणून कोर्पोरेटर आसले तागेलो तो बापूय.

काय नांवां म्युनिसिपालटीन दिल्यां खरी पुण लोक ती मानिनात. हाजी अलीक येंदी मोटी हाजी आल्लीची मशीद आसताना त्या वाठाराक 'वत्सलाबायी चौक' कोण म्हणटलो? अेक वेळ लॅमिग्टन रोडावेले लोक आमी भडकमकर रोडार रावतात म्हणूंक अनमनचे नात. पुण जे लोक फाटली कितलीशी वर्सां 'आमी पेडर रोडार रावतात' म्हणून हुर्ड्डे फुलोवन सांगत आयल्यात ते अकस्मात 'आमी देशमुख मार्गार रावतात' कशे म्हणटले? (हो तांगेल्या स्टेटसाचो प्रस्न)

पयलीं पयलीं परकी मनशांचीं नांवां आशिल्ल्या रस्त्यांकूच हे नामांतराचे भोगावळींतल्यान वचचें पडटालें. आतां नगरपित्यांनी सामकीच लज सोडल्या. घरांबांदपी रहेजाचे जे लोक पांगेंत आसात तांणी खार वाटाराक ताच्या बापायचें नांव अेका रस्त्याक सुचयलें आनी तें मान्य जालें. केन्नाकेन्नाय दोन नगरपित्यांची (वा पंगडांचीं) अेकाच रस्त्याक हाचें नांव दिवंचें काय ताचें हाचेर झगडीं जातात. मागीर जाचे वंशज पैसो चड मोडटा तांच्या जाणटेल्याचें रस्त्याक नांव दितात.

नगरपित्यांच्या अज्ञानाक लागुनूच केन्ना केन्ना कितें घडटा पळेयात. पार्ल्याक आझाद रोड आसलो ताचें नांव नगरपित्यांनी, तो रस्तो कोणाच्या नांवार ना अशें धरून, बदलचें थारायलें तेन्ना पार्ल्याच्या अेका जाणटेल्यान वर्तमानपत्रांत पत्र बरोवन तें नांव केन्ना दिल्लें ताचो अितिहास सांगलो आनी मौलाना आझाद... भारतीय स्वातंत्र्याची चळवळ... त्या रस्त्याक जाल्ल्यो सभा हांची माहिती दिली.

गांवदेवीच्या लॅबर्नम रोडाचें– लॅबर्नम हो अेक ब्रिटीश राज्य कर्तो अशें धरून– म्युनिसिपालटीन नामांतर करपाचें थारायलें त्या वेळार मणीभवनांतल्या अेकल्यान लॅबर्नम हें अेक फुलाचें नांव. त्या रस्त्यार जीं झाडां आसात तीं लॅबर्नमाचीं हें नगरपित्यांचे नदरेक हाडून दिवन मुखार तांकां कळीत केलें कीं गांधीजी मुंबयत येताले तेन्ना मणीभवनांत ते अुरताले. थंयच्यान तांणी जी त्यांत तांचेर 'लॅबर्नम रोड' असो आपलो पत्तो घा सीक कारणाक लागून तें नांव बदलचें न्हय.

रस्ते, चौंक, गल्ल्यो हांचेवरीच मुंबयचे बागांचींय नांवां बदलतात. वांद्र्याक पाली हील किशोर साहू ह्या फिलमनटाचें नांव दिवपाचें घरच्यांनीं पैशे मोडपाची तयारी दाखयली ना देखून आनी तें नांव दिवपाचेंच अुल्लें.

माझगांवाक अेक जोसेफ बाप्तिस्ता गा बाप्तिस्ता अेक ब्रिटीश मनीस धरून ते बागेचें घाट नगरपित्यांनी घालो. अुपरांत त्या वाठारांतल्या हो बाप्तिस्ता फकूत भारतीय न्हय तर अेक गांधी–नेहरू वांगडा वावुल्लेले–म्हणपाचें दाखोव लागून बाप्तिस्तांवेलें–हांकां काका बाप्तिस्ता म्हुण ल संकट टळ्ळें.

हालींच कोण सांगतालो गिरगांवांत डुक्करवाड आतां श्री विजय लेन म्हणटात. हो विजय कोण हें नकळ. आतां म्हाका प्रस्न पडला हांव ज्या मुर रावतां त्या नांवांतलो 'मुरारी घाग' हो कोण?

तीन तरुणी

व्यंकटेश अनंत पै रायकरांची तीन तरु कादंबरी– म्हळ्यार तिची दुसरी आवृत्ती– हा अुजवाडा आयल्या–/ मुंबयचे अेके नामनेचे प्रका मुळांत ही कादंबरी १९४२ आंत अुजवाडा आयिल्ल खूब गाजिल्ली. महाराष्ट्रातल्या खूबशा वाचकांनी ती आनी खूबशा टीकाकारांनी तिजेर पोजडी म्हुण थोड्या समिक्षकांनी तिची तोखणायूय केल्ली. चडशे लोक ते कादंबरेचे बरपी म्हुण वळखतात, प्रस्तावनेत काय कव्हरार– खंयतरी– हे गजालीचो

आयज ही कादंबरी वाचताना तिची भास मालश लागता (Flower म्हळ्यार फूल. पुण रायकरांचे म्हणूंक मेळना.) मुळांत ही कादंबरी म्हळ्य कादंबरेचे भाशांतर. पुण वाचपी मूळ बरप्याक वि मतींत बरपी म्हुण नांव अुल्लें तें रायकरांचे.

कादंबरेची गो. वि. वैद्य हांणी बरयल्ली प्रस्त अेच. जी. वेल्स हांचे अॅन व्हेरोनिका हे कादंबरेचो १९०९ आंत ही कादंबरी अुजवाडा आयली तेन्ना टो पोजडी म्हळी. कारण पयलेच खेप अेके अिंग्लिश का आपूण जावन मोगाचेर येवजिता... मोग करपाखा सोदता... ताचेर मोग करता. अॅन व्हेरोनिकापयल अुजवाडा आयिल्ल्यो तातूंन नायिकांक– त्यो वयां

(पान

टवो रूख

— कु. सुरेखा अ. तोटेकार

पोंगऱ्या झाड तांबडें कापड न्हेशील्लें. हरवीं पानां गळून ... लग्नाक हरवी साडी न्हेशील्ली ती सोडून फुलांक तांबडें न्हेशिल्ल्यावरी तें झाड दिसतालें.... खुबश्यो चान्यो, शेवणीं जमिल्लीं.... फुलांतले म्होंव खावपाक. पुण वर्सपीत अशेच-... जशें त्या जीवांक कळ्ळें कीं आपली भूक आतां हांगा शमोवंक ना म्हणून तेन्ना मागीर वर्सभर त्या झाडाक कोणच तोखेवचो ं....

पुण लिकू मात एकलेंच त्या झाडाक तोखेत बसतालें. अदाशी तें त्या झाडाच्या फुलांतलो म्होंवाचो कणान कण चोखतालें.... री नदरेन.... लीकूचोय गत त्या पोंगऱ्या झाडासारखी जाल्ली. ाडासारखें जेन्नां तें आसलें तेन्नां अशेच कितलेशेच लोक ताचेर ाले पुण तीतल्याच वेळापुरते..... मागीर 'राम राम पोंगेमाम'. लीकूक आतां कळील्लें जीवन म्हणजें कीतें तें... भोगील्ले भोग आतां भितरसुन पोखरूंक सोदताले.. पुण त्याय आपत्तींक जिवन पोंगऱ्या झाडावरी जीण सारतालें

लिकून जेन्नां चौदा वर्सांचो हुमरो हुंपलो तेन्नाच्यान तें आंगांन सशीत वाडले. ताचे शरीर आकार घेवंक लागलें... वता थंय तोखणाय जावपाक लागली. आवय बापूय तर चलयेखातीर झरोवचीं पडचीं ना म्हणून खोशी जाल्लीं...

साकवार बसून इश्कोलाक वतनां भुरगे ताचीं फकाणां मार-.. लागसुन गेलें कीं तांकां तें अप्सरे वरी दिसतालें..

सोळा वर्सांमेरेन हीं फकाणां चलील्लीं... पुण लीकून कोणा- फुड्यांत वचून अजून शेण खांवक नासलें. नाक शेणात न न घेवपा इतली अक्कल ताचेकडेन आसली... जी जन्मताच ताका दिल्ली...

लाकून घराचा हुमरो हुपलो... निळें निळें उदक... ताचेर प... त्या साकवार बशील्ले तवनास भुरगे ताका दिसले... गतीन पावलां वडयत आनी एका हातांत पुस्तकां सांबाळीत तें क लागलें... हें निमणें वर्स आसलेकारणान इश्कोलाची गेल्ली... शिकून शिकून ताका वाज आयील्लो. केन्नां ची परीक्षा जावन आपूण एक नोकरी करीन अशें ताका ... रीझल्टाची तारीख लागीं पावली न्हय... तो दीस आज ... लिकूक काल रातयभर न्हीद पडूंक नासली... निकालाक ... सकाळ जाली... हातूणावेलें तें उठलें... बापूय भायर ाचेर ताचीच वाट पळैतालो. आज सातांकच वचून ताणें पेपर हाडील्लो. लिकू उठलें तें पळोवन ताणें आपुणच जावन 'कॉंग्रेच्युलेशन शोभा' अशें म्हणून हात फुडें केलो... तें फर्स्ट क्लासांत पास जालां म्हणून सगल्यांक कळ्ळें तेन्नां सगल्यांक आनंद जालो...

पुण कालच्या त्या प्रसंगान लिकुचें मन मात उचंबळून आयील्लें... ताका परत, परत त्या बसीतल्या घडणूकेची याद जाताली... दोळ्यांफुडली ती गोष्ट आतांच घडील्ल्यावरी ताका दिसतालें...

पणजेऽऽ पणजेऽऽऽ म्हणून भायर कंडक्टर आडुतालो... तें आडुप ताका किळच्यो कश्यो दिसले. मोन्यानीं तें बसीत चडलें... हरशीय जाल्यार कामाशिवाय तें कोणाचकडेन उलय नासलें... कोलेजीत वचूंक ॲडमीशन मेळोवपा खातीर म्हूणन तें फोंडयां गेल्लें... ताचो गांव कुंडय... ताची नदर सिट सोदताली... बसीत गर्दी आशील्ली... तरीय कंडक्टर बोब मारीत आशील्लो ..

इतल्यांत लिकुली नदर त्या चल्याचेर पडली .. तांची नदरा नदर जाली मात तो ताका पळोवन हासलो. म्हऱ्यांत जागो राखपाक दवरील्लें बुक काडलें आनी जागो मेकळो करून लिकूक बसपाक दिलो. तें बसलें... एका भयान... उमेदीन...

वोल्तार बस लकताली तेन्नां ताचो जाल्लो स्पर्श ताका जन्मयभर साथी जा अशें सांगून गेलो...

प्रभाक ताचें कांयच नासलें. तो बसीच्या खिडकेतल्यान भायर एका नदरेन पळैतालो. पुण लीकुन प्रश्न विचाल्लो ताची जाप दिवन ताणें लिकुली समस्या सोडयली .. आनी मागीर प्रश्न आनी जापांचो पावस सुरू जालो... लिकू सकले मानेन जापो दितालें... प्रभा त्योच जापो गोमटें रूप नियाळत घेवंक सोदतालो... बस कुंडय पावली... तें देंवलें एका वेगळ्याच जगातल्यान...

प्रभाच्या आनी लिकुल्या मनांत आसलीं सपनां आकार घेवंक लागलीं. एकामेकांच्या प्रश्नाच्यो जापो पोंगऱ्या झाडाच्या साक्षीन मेळपाक लागल्यो. प्रभा आनी लिकू सदांच त्या झाडापोंदा मेळटालीं तो ताका मेळूंक थंयमेरेन येतालो...

एक दिस लिकून ती खबर ताका सांगली ...आपणांक आत चल्यांच्यो मागण्यो येतात...म्हूणन आतां बेगीन ह्या लिपचोरय मेळपांतल्यान आमी तड मारूयां... श्रीमंत चले ताका व्हरपाक एका पायार तयार आसले... फक्त लिकुचोच शब्द जाय आसलो

प्रभा ताका फटोवचो ना हें तें जाणां आसलें. पुण ताणें अजु प्रभाचें मनांतलें जाणूंक नासलें...

त्या दिसा भारतीकडल्यान मेळील्ली चीट वाचून ताका धक्कोच बसलो... प्रभा आत्तां ताका सोडून गेल्लो... पयसुल्ल्या गावांत... नोकरेखातीर...

चिटयेंतले शब्द ताच्या दोळ्यामुखावयले कशेच हालूंक तयार नासले. लिकू, वायट मानूं नाका. प्रत्येकाक स्वतंत्र जगूंक येवंक जाय. सदांच आवय बापूय पोसूंक शकना. हांव आतां फॉरेनाक वता, न्हय आजच वचपाक भायर सल्लां. मावश्यान तार केल्या, तार मेळना बराबर, खंयच्याय परिस्थितीत भायर सर म्हणून मनाक लावन घेव नाका. खुब्ब पयशे घेवन येतांच तुजे भेटेखातीर. वाट पळय.

प्रभा गेलो आनी त्याचवेळार त्या पोंगऱ्या झाडावेलीं फुलां सोपलीं... तीं आतां वर्सयभर फुलचीं नासलीं...

बापूय घरांत थयथयाट घालतालो. आवय बिलू जावन सगलें आयकताली... लिकूक समजयताली... लग्न जावन सुखी जावपाचें ताच्या नशीबात नासलें...दोन म्हयने जाले तरीय प्रभाची एकय चीट नाशिल्ली. येतात त्या सोयरीकांचेर तें कांयच उतर दी नासलें. म्हणूनच बापूय तांडवनृत्य करपाक लागिल्लो. प्रभा सोडून आनी कोणाकडेनच लग्न जावपाक तें तयार नासलें... ती खबर अजून आवयबापायक सांगूंक नासली कारण तो जातीन वेगळो आशील्लो.

'लिकू', आज सांजे स वरांचेर तुका पळौवंक लोक येवपाचे आसात... साडी न्हेसुन तयार राव... अशें सांगून लिकुलो बापूय करकरीत अशें जोतें जमनीक घश्टीत भायर गेलो.

पांच जालीं. बापायल्या भयान तें मनांत नासतना लेगीत उश्णे श्रृंगार देहाचेर करपाक लागलें.

ते आयले एका अँबासीडरीतल्यान... च्याची सगली तयारी आवयन केल्ली... बापायन खुणयलें तशें पायांत लोखंड बांदील्ल्यावरी लिकू ट्रे घेवन भायर गेलें... हांगच्यो थंच्यो गजाली जाल्यो... फाल्यां किदें तें कळयतां अशें सांगून ते लोक गेले...

आज बापूय लिकूक तोखेतालो कारण लिकू [...] पडील्लें. म्हूर्त आनी दिस थरोवपाक बापूय फाल्य[...] आसलो... लिकूची तकलीच जाग्यार नासली... वस्ती[...] ताका बापायच्याच पसंतीच्यो हाडील्ल्यो... तें हाड[...] लिकू भायर सरपाक नासलें...

पांचवो चुडो... पांचवो शालू न्हेसून लिकू पोंग[...] नटलें... लग्न जालें... वतनां ताची नदर त्या झाडा[...] खट्ट खुबें. झाड हरवीं पानां आंगार घेवन मिरयताले[...] नव्या घरांत प्रवेश केलो...

थोडयाच दिसानी तें तांबडो शालूय न्हेसलें... [...] फुलांक... लिकू बाळंतपणाखातीर आवयगेर गेल्लें... [...]च्या करपाक म्हूण ताणें स्टो पेटयलो. इतल्ल्यांत लागीं [...] त्या मेजाच्या उकत्या खणाच्या कोनशाक तें निळें [...] दिसलें... दोळे मोटे करून ताणें वाचपाक सुरवात केली [...] हांव ह्या आठ दिसांत येवपाचो आसा... तुजेखातीर [...] तयारेक लाग... तुजोच, प्रभा.

लिकू लागच्या स्टोचेर कोसळलें... लिकुच्या [...] घेतलो...

दोळे उकते केले तेन्ना हॉस्पीटलांत आसा म्हणप[...] कळ्ळें. आज चार दिसांनी तें शुद्धीर आयल्लें.

प्रभा... हय प्रभाच ताच्यां म्हऱ्यांत चिंतेस्त नदरेन [...] खंच्या क्षणांत तो आपले ओठांवेले शब्द ओकीत हें स[...]

लिकून दोळे उकते केले तें पळोवन तो हांसल[...] भियेव नाका... हांव तुज्या सुखाआड केन्नांच येवचो ना... [...] बरें करूं... ह्या फुडें हांव आंकवारच रावतलो. तुज्याखाती[...] तुजे सुख तेच म्हजें.. म्हज्या मायेचो पदर सदांच तु[...] आसा... एका अनोळखे शक्तीन लिकूक हांसयलें... त[...] पयस.... पयस...

गजाली

(पान १२ वयल्यान)

अेकाद्रो तन्नाटो फुसलायतालो. तोमेरेन तीका मोग म्हळ्यार किदें हें खबर नासतालें.

अँन व्हेरोनिकान जशें वादळ निर्माण केलें तशें अुपरांत (१९२५) वेल्सान **क्रिस्टिना आल्बेर्टास फादर** कादंबरी बरयली तिणे केलें ना. ह्यासंबंदी वेल्स आपल्या आत्मचरित्रांत (Experiment In Autobiography) म्हणटा की आपले दुसरे कादंबरेंत सेक्स पयलेपरसूय अदीक प्रमाणात आयिल्लो तरीय समाज खूब फुडारिल्ल्यान लोकांक ती वाचून कांय दिसलें ना.

वेल्साचें आत्मचरित्र १९३४ च्या अदमासाक अुजवाडा आयलें. त्यावेळचे परिस्थितीक धरून तो म्हणटा, आमच्या तन्नाटयांनी अँन व्हेरोनिका वाचल्यार तांतूत तांकां व्हडलेंशें कांय मेळचें ना.

रायकारांचे **तीन तरुणीविशीं** हेंव म्हणचें पडट[...] ते कादंबरेचें म्हत्व अुणे जायना.

पाथेय

पाथेय म्हळ्यार राष्ट्रमताचे भावंड. ह्या नेम[...] जानेवारीच्या अंकाचे संपादकीय सुरू जाता अशें. 'प[...] दुसरा अंक वाचकांच्या व साहित्यिकांच्या हाती देताना [...] आनंद होत नाही.' हे वाक्य वाचून खोस जाली, ह्या [...] संपादक पयलेच खेप वाचप्यांक हर संपादकापरस कितेय [...] सांगतात म्हणून.

अुपरांत सगळें संपादकीय वाचलें आनी निश[...] वाचप्यांच्या हातांत दितना संपादकांक आनंद जाला. तो [...] तो कंपोझिटराक म्हणून.

बेबदो

— योगेश वि. खांडेपारकार

ा रतरेच्या माचयेवयलो काळखाचो पडदो कुशिन सारीत
र सरतालो. ताका येवकार दिवपाक सुकणी चिवचिवताली,
ा कों ऽऽऽ च कों ऽऽ करतालें; मदीच पोदेराचो हार्न पों ऽऽ क
क करून वाजतालो.

देराचो हॉर्न वाजलो तसो फांतोडेचेर गाड न्हिदिल्ल्या
जाग आयली. तो धडपडत उठलो. पोदेरा म्हन्यान वचून
ले. ते घरात कुरकुटांत व्हरून दवरले आनी परतो वचून
ा पडलो, पुण ताका बरोच वेळ जालो तरी न्हिद लागली
रो वेळ तसोच तळमळत आड पडलो. पुण तशे पडप
ांसूंक जाले ना .. ताणे पांघरूण कुशिन उडयले आनी
कपडे घाले आनी भायर सरलो. ताची पावला सदाच्या
डली पुण ती मातशी अडखळटाली, उठून बरोच वेळ
री ताका सोरो सेळू नाशिल्ल्यान ताजे हात आनी पाय
े. तो बेगोबेग वचून एका बारींत भितर सरलो, आनी
रून भायर आयलो. ताका सूऽऽ जालें. तो तसो वचून
ाग्यार म्हणजे आपटयाच्या पेडार बसलो.

र

ताचे अशेंच चलतालें. फांतोड जायना फुडे ताका काजूची फेणी जाय पडटाली. पैशे आसल्ल्यार तो सोरो पितालो आनी ते नाजाल्यार आशाळभूत जावन लोकाकडेन पैशे मागतालो. नाजाल्यार कसलेय काम सोदतालो, ते मागीर कसलेय जाव. पोटात सोरो पडसर कारण, सोरो पिना जाल्यार ताजे हात पाय कडकडताले, ताका भय दिसतालें. एक सोऱ्याचे कोप पडतकीर ताचो तळीराम शांत जातालो. आनी आपूण एक राजा अशें ताका दिसताले, आनी तें पेड ताचे सिंहासन. मागीर तो येतल्या वतल्याची कुता काढटालो, तांका गाळी मारतालो. तातून काय लोक ' हो अठ आण्या सोरो आनी रूपयाचो मद ' अशे म्हणन ताका येतीष्ट घुमकायताले. मार खावनय तो राजाच आसतालो. खेळातल्या जपानी बावल्याबशेन तो कितलोय मार खावन परतो उठतालो. मागीर दनपार जातकीर घरा वतालो. ताची बायल जेवण रांदून, वाढून दवरताली. ते दवरले ना जाल्यार तो बायलेक मारतालो.

जगात सर्वसुखी कोण आसा ? ह्या समर्थरामदासांच्या प्रश्नाक उत्तर दिवपाक देवान आपल्याक जल्मा घाला अशे तो म्हणतालो. ते थोडे खरेय आशिल्ले. ताका सकाळच्यान सोरो पियपाक पैसो खयच्यानय मेळतालोच. काम कायच करप ना आनी इतले आसून जेवण घरा तयार आसताले. बरें कसलो विचारय ना ताणे सगळे विचार सोऱ्याच्या कोपात बुडयल्ले. पुण तो जी उतरा पिवन उलयतालो ती दुसऱ्यांक विचार करपाक लायताली.

तो सोरो कित्याक पिता हाचें उत्तर तो दितालो कि ' म्हाका पश्चाताप जाता. बायलेन ' पसरो माणला ' न्हं ? ' पुण खरी खबर अशी आशिल्ली. पयली बुधो शांत स्वभावाचो ताका कसलेच व्यसन नाशिल्ले. पुण मदी तो आपल्या सौंगड्या बराबर सोवळी अशी बियर मारतालो. पुण थोडे तेपान ताका बियरीचे कायच दिसना जाले. ताणे थोडो थोडो सोरो पियपाक सुरू केलो. ताका दिसले हो सोरो केन्नाय एक दिस घेतल्यार कितें जातले ? आपूण सदाच तो घेवचो ना आनी ताजे आपणाक व्यसन जावचे ना. पुण काय तेपान ताका अशें दिसून आयले कि पयली आपुण सोरो पितालो पुण आता सोरो आपल्याक पिता, पुण वेळ गेल्लो.

तो पयली इतलो सोरो पिना आशिल्लो. मदी ताका ' अेक्सीडेण्ट ' जालो. तो धावत्या ट्रकावयल्यान पडलो आनी ताचो एक पाय जांगडांतल्यान निखळलो. ताज्यान काम करूक जायना जाले घरची स्थित गरिबीची, तांतून सात पोरा, तीय काचीबुची. थोडो तेप जावून म्हणजे ताज्या बायलेन लूवणी, कापणी करून पोट कशेतरी भरले. ताची बुध्याक सवय जाली. तो बरो जावनय ओगीच बसलो. बायल आयते घालपाक लागली. बुधो काम करिना जालो, तशी बायल बेजार जाली. ती आता गवण्याकडेन कामाक वचपाक लागली. कामा किते सदाच मेळतात, मागीर तिची कर्तूबा वाडून ती बुध्याल्या भाशेन पसरकान्न जाली.

पयलीच बुधो पियोवपी आनी आता ताका बरे निमीत्त मेळले. आता पश्चतापक लागून सोरो काय सोऱ्याक लागून पश्चताप ? आनी बेबदयांक रोखडोच पश्चताप जाता. आता ताच्या बायलेन

तरी किते करचे ? 'पोरा सात आनी घोवाची कामाची ना बात' तिका दोनच उपाय आशिल्ले एक उपाशी मरप आनी दुसरो ती जें करताली तो. तातूंय बुधो तीच्यापेक्षा बारा वर्सांनी व्हड. ताची करणीच तिका आवडना आशिल्ली. आनी उपाशी मरपाक ती सती अहील्या, सती सावित्री वो सिता नाशिल्ली. त्या पयली तीणे खूब येत्न केल्लो. शेजाऱ्या कडन गावच्या मोठ्यांकडेन तीने अर्गी ओपली पुण कोणच तीका काम दिवपाक तयार जालोना. कोणाक पडलां कोणाचे अशें सगळे वागताले. आनी तिका मदत केली, गिन्हायकाच्या रूपात.

तीच्या नावान शेजारी बोटा मोडताले. पुण पयली एकलोय प्रामाणिकपणान मदत करपाक तयार नाशिल्लो. अशें आसता लोकांचे. कोणेय वायट केले जाल्यार ताच्या विरुद्ध उलोवपाक जण एकल्याची जीभ वळवळता. आनी दुसऱ्याक उलोवन आपूण बरो असो समज करून घेता. जशे तिका हेच लोक पोसतले आशिल्ले, तिने तशे करीना जाल्यार.

बुधो तसो कोणायकच भियोवपी न्ही. भितऱ्या फाटल्यान ब्रह्मराकेस अशें तो समजतालो. पुण तो देवाक भितालो आनी घाड्याक मानतालो. चवथीच्या दिसात गणपती घरात आसतना तो सोरो पिना आशिल्लो.

एक दिस गणपती घरात आसतना ताज्यान कशेच राव नज जाले. तो हळूच बारांत गेलो आनी कोपाचे मारून आयलो, भित भित देवाची पुजा केली. ते दिसा तो देव आपल्याक कितेय करीत म्हणून भियेल्लो. पुण कायच जाले ना. तशे ताचे भय कमी जाले, धीर आयलो.

परत दुसऱ्या दिसा ताच्यान कशेच 'शिवराक' राव नज जाले. तो सोरो पियेलो. पुण मागीर देव रागणे दाखयत म्हणून भियेलो. त्या दिसा पुजा करताना एका हातान घाट आनी दुसऱ्या हातान ताणे आरत धरिल्ली आनी तो घांट वाजयत देवाक आरत दाखयतालो. मदीच ताच्या दोळ्यात धुंवर गेलो आनी दोळ्यातल्यान दुखा व्हांवपाक लागली. ताणे घांट वाजोवपाची थामयली आनी दोळे पुसपाक लागलो तशे करतना ताची आरत देवाच्या दोळ्यां म्हऱ्यान पाविल्ली. चिकणमातयेचो गणपती मातसो ओलो आशिल्ल्यान थय इतले म्हणसर तेंव येवन उदकाचे थेंब साठील्ले. मातशे वेळ दोळे पोशेवन बुधो घांट वाजयत परत आरत दाखोवक लागलो. ताची नदर गणपतीच्या दोळ्यांर गेलो, तर गणपतीच्या दोळ्यातली दुखा ताका दिसली.

ते पळोवन बुधो भियेलो आपूण सोरो पियेलो म्हणून गणपती रडता अशे ताका दिसले. ताका शेळोघाम सुटलो. घाट आनी आरत थयच आपटी मारून ताणे गणपतीच्या पायार घालून घेतले आनी 'देवा चुकलो, परत केन्नाच पियेना, चूक जाली देवा, म्हका भोक्षी' अशे तो आरडू लागलो. ताणे रडून आखांत केलो सगळे लोक जमले. आनी खरी गजाल कळतकीर ताका हांसू काय रडू हेच समजलेना. लोकानी खरी गजाल सांगतकीर बुधोय जाग्यार आयलो. ओगीच

आपणे लज करून घेतली अशे ताका दिसले. ताका सो
आनी एक निमीत्त मेळले.

तर, असो हो बुधो पेडार बसला आसताना ता ताका आपोवक आयले. ताणे चेडवाक चार गाळी शे तो घरा आयलो. थय ताचो इष्ट शिवा-घाडी बशिल्ल थय चकाट्यो पेटीत बसले. बरोवेळ जातकीर ताचो निसरलो. 'ते किते करता ते पळयला मरे तुवें' लागलो. तसो शिवा घाडी उभो जालो हू ऽऽऽ व्हा, हू खुदपाक लागलो आनी 'तुझ्या बायलेचेर भूत बसलां. ना पुण भूत. ते किते करीत सांगू नज, ते खातीर ते अ बाळका.' अशे म्हणपाक लागलो 'ताका आता बुध्यान भित भित विचारले 'ताका हाव दिता त शिपट्यान मारल्यार ते वतले रे बाळका' घाड्यातले मागीर घाडी खुदपाचो थांबलो. आता किते घडले तें क अशें ताणे करून दाखयले. आनी बुध्याक ताणे मागील तो भायर सरलो.

जालें ! दुसऱ्या दिसा बुध्यान शिवाघाड्या क हाडले आनी त्या शिपट्यान बायलेक मारपाक लाग तो मार सोसू नज जालो. तरी तो तीका 'तू भूत, तू मारपाक लागलो. हे तीणे थोडे दिस सोसलें. आनी पाचे तेच जाले. जायू एका गवण्या बरावर पळून घाड्याल्या सांगण्याप्रमाण सुपारेच्या शिपट्यान जायूवयले भूत गेले ना ते नाच पुण जायू मात वय सोडून पळून गेलें. ताका लागून नाच म्हणल्यार बुध्य गेलें तो शिवाघाड्याक गाळी मारूंक लागलो. काय लो म्हणताले कि बुध्याक जायूक सुपारेच्या शिपट्यानी गवण्यानच शिवाक पैशे दिवन फितयलो. बुध्यालो विस्वास मात गेलो. इतले खरें.

थोड्या दिसानी अशी खबर गावार जाली कि तो गवणो मुंबय गेलो थोडे दिस मजा मारली आनी ताका व्हरून कुंटणखान्यात विकले. जायूक बाबड्याक नाशिल्ले. घोवागेरय सुख मेळले ना आनी आता तर मेळून खंयच सुख ना. कांय जाणाक अशेंच आसता दुखच भोगपाक आसतात. तांका फकत त्रास आनी दुख. आपल्या कर्मांनी आनी काय जाणाक कोणाचे कायच नासतना. बुध्यानय तीका परत हाडचो विचार केल करपाक ताका कमीपण दिसले.

बुध्याची आता सगळेच वटेन वाट लागिल्ली. सारखी जायना जाली. ताका आयते जेवण मेळन हागेर-तागेर मागून आपले आनी भुरग्याचे अर्धे पो आता ताका काम करचेच पडटाले. गरज ही शोधाची अ पडतकीर मनीस कितेय करता. तसोच बुधो आता का पुण ताची सोऱ्याची आस सुटना जाल्यान पैशे क आता ताका बायलेचे मोल कळले पुण कितयाक उपयोग

विचीत्रच, ताका कितेय मेळल्यार तें तो मातये बशेन मानता
जाता ते भांगरा बशेन मानता. ते खातीर कितेय करपाचे
हातात आसता तेन्ना ताका कळना, आनी आपणें कितेय
जाय आशिल्ले अशे ताका कळता तेन्ना वेळ गेल्लो आसता.
धो सामको बेजार झालो. तांणे आता व्हडल्या चेडवाचें
रपाचे थारायले. तेय बी गेरेस्ता कडेन. बुध्याले चेडू तशें
ानी सोबीत दिसताले आंगानय बरे भरील्ले कोणय गिरेस्त
ना आसतना ताका व्हरतलो हातूक बुध्याक दुबाव
ी आनी जालेय तशेच. अेक गिरेस्त भुरगो हुंडो घेना
, लग्नाचो खर्च आपूण करपाक तयार जालो.

नवरो ' शिरविस करतालो. तो ड्रायवर आशिल्लो. घरची
बरीच आशिल्ली. आंगान मोठोच, लांब रूंद. रंगान काळो
स कुल्लांचे, दोळे तांबडे, दात हळडूवेच. असो ताचो अवतार
ुध्या बशेन ताकाय पिवपाचे वेसन. बुध्याकच तोच बरो
कारण बेबद्याक बेबदोच बरो दिसतलो. आनी पैशेकार.
चेडवाचे चड पडील्ले ? ताका जाय आशिल्लो पैसो, आयते
ावपाक. निमाणे हुंडो ना, लग्ना खर्च नवरो करतलो आनी
बुध्याक बी पळयतलो ह्या अटींर लग्नाचो थाराव पास
ानूंक चेडवाक विचारपाची ताका गरज भासलीना. नवरो
सगळ्याक पळोवपी अशे तो म्हणतालो.

ाज्या व्हडल्या चेडवालो म्हणजे शेंवत्यालो हेवटेन श्रीकांत
चेड्याकडेन मोग रंगार येतालो. श्रीकांत रंगान गोरो,
बरो, आनी स्वभावानय एकदम बरो. पुण ताचे एक
म्हणजे तो गरीब. तो चडसो मडगांवा आपले मावशेगेर
. तशी ताका शिरविस आशिल्ली तो आपले पोट बरेतरेन
शकतालो. पुण बुध्याल्या गिरेस्त ह्या कल्पनेत तो बसना
. ताचो शेंवत्याचेर खूब मोग आशिल्ल्यान तो आठवड्याक
ावात येतालो.

ंच्या मोगाची बुध्याक खबर आशिल्ली आनी पयली ताका
वचारले जाल्यार तो तांका गाळी मारून ' तें देवादीकाले
आता, आनी सगळ्याकच जाला न्हू ते ' अशे म्हणतालो.
गिरेस्त नवरो सोदतकीर तो श्रीकांताक चडच गाळी
लागलो ' तो चोर, भिकाड्डो लोकांल्या चेडवांची वाट
XXXXX चो ' अशे म्हणपाक लागलो. ताणे चेडवाक
वरले ' तेज्या फुड्यान बी आता वयशी जाल्यार दोकोच
ालतलो. ' तो म्हणतालो ' XXच्या कायबरो तो गिरेस्त
यला आसतना तो भिकाड्डोगो; तुका कित्याक जाय ?' पुण
ध्रमकेक भिक घालनासतना ते श्रीकांतासरी वतालेच. तो
शल्लो. आनी मोग किते राव म्हणल्यार ब्रेक लावन
ची गाडी हय ?

खबर बुध्याक कळतकीर ताणे खूब बोवाळ केलो. तो
्या घरा गेलो आनी तांका गाळी मारपाक लागलो. पयली
ोगीच रावलो. पुण तितलो बुध्याक नेट आयलो. तो आनी-
ान ताका बुरशो गाळी मारपाक लागलो. ते श्रीकांताच्या
बापायक पळवक नज जाले. ताणे भायर येवन ताका भरपूर पेटलो.
बापूय गेलो तशे श्रीकांताकय वचचे पडले. ताणंय आपल्या भावी
मावांचे चार कानसुलार उडयली. तसो बुधो मुकाट्यान घरा
आयलो.

बेबद्यांची ती एक सवय ताका कोणेय ओगो रावत जाल्यार
ते चड गाळी मारतात. पुण जर ताणे परतून ताका मारलो जाल्यार
परत ताच्या वाटेक ते वचनात.

बुधो घरा येवन ताणे सगळो राग शेंवत्याचेर काडलो. शेंव-
त्याक ताणे शिवट्यान बडयले आनी, ' परत वैतले थंय ? ' म्हणून
विचारले. माराच्या भयान शेंवत्यान ना म्हणले ' मागीर जाता
मगो लग्न हाये हाडला त्या भुरग्या वांगडा? ' शेंवत्यान मुकाट्यान
तकली हालयली. बुध्यान ताका अमके दिसा लग्न म्हणून सांगले.

बुध्याक लिपोवन शेंवते श्रीकांतासरी गेलेच आनी रडत सगळी
खबर सांगली. माराचे ताका कांयच नाशिल्ले पुण अमके दिस लग्न
ठरला म्हणून ते श्रीकांताच्या गळ्यात गळो घालून रडले. ' तुका
एक आयडीया सांगता शेंवत्या. ' श्रीकांत, ' किते आनी बाबा आय-
डीया ' शेंवत्यान म्हळे, ' आमी दोगांय पळून मावशेगेर या, हांव
तिका सांगतां ' श्रीकांतान म्हळे, ' हय वय बरी आयडीया. ते कस-
लेशे ' पिक्चरां ' पळय अशेच हिरो आनी हिरोइन पळून वेतात.
कसलो पिक्चर तो ? शेंवत्यान खुशालभरीत जावन म्हळे. ' तो
कसलोय जाव. आमचे ठरलें तर फाल्या सांजेचे हांगाच मेळ. आमी
रातचीच या. ' बरे चल तर आता ' श्रीकांतान म्हळे.

घरा बुधो खुश आनी शेंवतेय खुश. भुरगे तें मार पडतकीर
जाग्यार आयलें अशे बुध्याक दिसले ' जाणा मगो परां सकाळी
तेंचे लोक तुका पळोवक येतले. तो तेज्या इष्टांक घेवन येतलो बरेंशें
खावपाक करून दवर ' बुधो. शेंवत्यान खोशयेन मान हालयली.
बुध्याक बरें दिसले, ' फाल्या हांव तेंगेर वयतलो आनी परां सकाळी
तेंकाच घेवन येतलो.' बुध्यान म्हळे.

थारायले प्रमाण शेंवते आनी श्रीकांत सांजेची मेळ्ळी आनी
एका ट्रकाचेर बसून मडगांवा गेली.

दुसऱ्या दिसा बुधो नवऱ्याक आनी ताच्या इश्टांक घेवन
नेटान येवपाक भायर सरले ताणी वाटेर बारांत सरून आपली खोस
परगटायली आनी घरा आयलो. ताणे शेंवत्याक उलो मारलो. पुण
ज प मेळ्ळीना. ताणे भितर वचून पळयल्यार शेंवते खंयच ना. ताणे
शेजाऱ्याकडेन चौकशी केली. कोणेंच आपल्याक खबर ना म्हणून
सांगले. ताचो सोरो एकदम निवळ्ळो. शेंवते ना ते पळोवन नवरो
आनी ताचे इश्ट मुकाट्यान मान सखयल घालून परतले. निमाणे
ताका समजले कि शेंवते श्रीकांताबराबर पळून गेले.

' ते आवयली तो धूव सोबली ' अेक शेजारी उलयतालो.
आनी सगळें आपल्या कर्मान जावनय बुधो कपलार हात मारून
नशिबाक शिणतालो.



एक
ऐकसुरी
जीण

— कुन्दा पै

आयतार आशिल्ल्यान आज शाळेक वचपाचो हुस्को नाशिल्लो, दर सुटये दिसा अर्धे अर्धे वरान 'आई खावपाक, खावपाक' करप आनी आवयकडल्यान धेंगसो घेवप हो म्हजो एक नेमच जाल्लो. पुण आज तेंय बी हांव विसरून गेल्लो. बेठोच सकाळच्यान भायर भितर करतालो. निमाणे सालातल्या एका जनेलामुखार येवन उबो रावलो. थंयच्यान मुखाल्लो बंगलो दिसतालो. आज त्या बंगल्यात सामकी धावपळ दिसताली अेकुण आज वतात तर हो बंगलो सोडून हीं...

त्या बंगल्यान ओड लायिल्ली. बंगल्यान म्हणचे परस बंगल्यातल्या त्या राजकुंवरान-सात वर्सांचो जय म्हजो सामको इश्टच जाल्लो. हरशी ह्या दोन घरांची बरोबरी केन्नाच जावपाची न्हय. येवजितानाच 'हरिश' म्हणुन म्हाका कोणे तरी उलो मारलो. 'हरिश, येता हांव वळख दवर म्हजी' 'जय... पुण फुडले कायच ताणें आयकले ना. तसोच धावत तो भितर आईम्हन्यान गेलो आनी परत येतना एकच मिनिट ताणे म्हजेकडेन पळयले. त्या नदरेत कितें नासले? आनी एकदम मान फिरवन तो चलपाक लागलो. भरून आयिल्ले दोळे हांवे पुसले आनी नदर भायर धुवडायली. जय ताज्या पप्पा–मम्मी वांगडा कारीन गेल्लो...

म्हाका याद जाली दोन वर्सांफाटली. सदाच बंद आशिल्ल्या मुखावेल्या बंगल्याचे दार उघडिल्लें पळोवन हांवे अजापुन आईक विचारिल्ले, 'आई, कोण आयल्यात गे थंय?' 'कोण इंजिनिअर आयला खंय बाबा थंय रावंक' आवयन तो विशय सोपयलो पुण म्हजे भुरगे मन ह्या बंगल्यातल्या मनशांचो विचार करपाक लागले. इतल्यान त्या दारातल्यान सुंदर, काळी कार भितर सल्ली. कारीतल्यान एक गोरोच उंच दादलो भायर सरलो. हां, होच दिस्ता इंजिनिअर. हांवे मनात म्हळें. दुसऱ्या दारातल्यान एक सुंदर बायल आनीक पाचेक वर्सांचो एक गुटगुटीत भुरगो भायर सल्लो. ताज्या आंगात निळ्या रंगाचो टी शर्ट आशिल्लो. शर्टाचो वयलो बटन लायलो नासल्यान गळ्यातली सरपळी चकचकताली. म्हजी नदर आपसुक म्हज्या कॉटनच्या शर्टार गेली.

'हरीश, जेवपाक यो बाबा
उल्यान म्हाका जाग आयली
रांदचे कुडीत गेलो. जेवतना
जाली. आज आमी म्हादेवाल्या
वचपाचे थारायिल्ले. कृष्णा, अ
सगळे येतले. ताकतिकेन ह
लागलो. 'सवका रे पापया, दन
खंय धांवपाक जाय?' आवयन
ते पयलीच हांव तोंड धुवन भाय
इतल्यान भायल्यान शिनालाच
आयकुवपाक आयल्यो. 'आई, ये
हांवे भायर धांव माल्ली.

'उमेश, त्या पारामुखावय
आंवाळ्याक पळय एक आवाळे
वचया मरे थंय?' अरविंदा
'हय तर याच' आनी आमचो
झाडार ह्या झाडार फातर मारी
लागलो. नित्याभशनच तिनसा
याद जाली. आंगणात पावल
आवयलो धेंगसो 'खंय गेल्ले रे गा
चल हात–पाय धुवन यो, शु
म्हणपाक.' हांवय रोखडोच हात
आयलो. आई तुळशीमुखार दिवो
आईच्या सगल्या रूपांपरीस म्हाका
रूप भोव म नवताले. तुळशीमु
हात जोडुन दोळे धापून रावि
पळोवन सालातल्या केल
सरस्वतीची म्हाका याद जाता
म्हजेय हात जोडले. थोडया वे
उघड जाल्यार म्हज्याम्हन्यान ह
तलो चलोय आसा. दोळे धापुन ह
म्हाका अजाप जाले. थोडया वे
दोळे उघडले आनी हांव जय.
आमी रावंक आयल्यात. तुजे ना
आपुण जावन वळख करून घेव
म्हज्या मनान एकदमच पसंती दि
हरीश ही म्हजी आई.' आनी म्ह
ह्या ताज्या उतरांनी हांवेच न्हय त
ताजेकडेन अपुरबायेन पळयले अ
आमची पयली वळख.

ताज्याकडल्यान म्हाका कळ
आमच्याच शाळेत ग्रेवपाच
म्हज्याच वगात. दुसर दिसा क

ा शाळेमुखार येवन उबी रावली
जय तागेल्या पप्पावांगडा भितर सल्लो
ानि येनाफुडे हांवे कुशीक सरून ताका
म्हन्याक बसपाक जागो दिलो दिसा-
म्हजी ताजी जोडी घट जायत गेली.
हयन्यातच म्हाका कळ्ळें कि जय
दिसपाकच न्हय तर अभ्यासातय
आसा. चित्रांचो ताका बरोच नाद
लो.

ाचो बापुय इंजिनिअर आनी रावताली
अपटुडेट. ते घर भितरल्यान पळोव-
म्हाका इतसो आसली आनी एक
म्हाका ती संदय मेळली. जयालो
त आशिल्ल्यान ताणे म्हाका सकाळ-
आपल्यागेर आपयिल्लो. हांवुय नव
ा सुमाराक गेलो. घरान पावल
ार सगळेकडेन किण्ण आसले. म्हाका
जाले इतल्यात भितल्यान आयिल्ल्या
नोकराक हांवे विचारले, "जय ना?"
म्हणत ताणे म्हाका तागेल्या कुडीत
जय बाज्जेर ओग्गी बसुन आशिल्लो.
ते ? एकटोच ? तुजी मम्मी पप्पा
आनी इतलो वेळ आडावन दवरिल्लीं
ाज्या गालावयल्यान व्हावंक लागलीं.
किते जाले कांयच कळले ना.
ल जावन हांवे म्हळे, "किते, जाले
"

र्या वेळान जयान सुरवात केली,
ह्या सगल्या व्हडल्या घरांत हांव
आसा. मम्मी - पप्पान म्हज्या
ाची याद दवरून व्हडलो केक
म्हज्या इश्टांक वाटपाक. हो पळय
टीचो डबो दिला. म्हाका हे प्रेझेंट
शे म्हणुन ताणे मेजावयलो कमेरो
ो. पुण हे सगले मेळुनय हांव
च आसा. म्हाका दिशिल्ले पप्पा
आज सुटी घेवन घरा रावतली,
भोवपाक नाजल्यार पिक्चराक
ीं पुण ते कांयच ना. सकाळी
डे "विश यु हॅप्पी बर्थ डे" म्हणतकीर
गेली. उठून. हो सगलो वयलोचार
नाका. म्हाका जाय तांचो मोग
हुंदक्यांन रडतालो जय.

का याद जाली चार दिसांफाटली.
नेवारीक आमच्या शाळेन बक्षीसांची
कार्यावळ आशिल्ली. ह्या वर्साक जयाक
बरीच बक्षीसां मेळपाची आसली. कार्यावळ
सुरू जाल्ली. चडशे सगल्यांलेच आवयबापुय
आयिल्ले आपल्या भुरग्यांलो सुवाळो
पळोवपाक. नाशिल्ले फक्त जयाचे कोण.
बक्षीस घेतना जयाच्या दोळयांन आयिल्ली
दुखां म्हाका दिशिल्लीच. दोन दिसांनी हांवे
जयाक विचाल्यार तुटकेपणान ताणे म्हळें
'तांची पार्टी आशिल्ली खंय ते दिसा.'

केन्ना केन्ना खेळतना उदक पियपाखातीर
म्हण आमचे घरांत सल्लो जाल्यार म्हाका
ताका पाटार बस म्हणपाक कशेतरीच
दिसतालें. सनमायकाच्या चकचकीत खुर्च्यार
बसपी तो पुण हांवे सांगिनासतनाच पाट
दवरून बसतालो ताजेर. केन्ना केन्ना आई
गरम गरम भजी नाजाल्यार थालीपीठ
दिताली. वांगडा आमका, जयागेर ही चाल
नासली हांव जाणा. तांचे घर म्हणजे हॉटेल
कशें.

एक दिसा जय शाळेक आयलोना. थोडया
वेळान तांचो नोकर चिठी घेवन आयिल्लो
जय बरो ना म्हण. दोन तास सराल्या
भयान हांव बशिल्लेकडेन वळवळत रावलो,
किते जाले काय जयाक ? दनपरा घरा
येनाफुडे हांव तागेर धांवलो, जाल्यार कुडीन
ताज्या बाज्जेर तो सदांभशेन एकलोच.
आता मात म्हाका अजाप जाले. म्हणजे
आजय हाज्या पप्पा-मम्मीक मिटींग आसा ?
हांवे हळुच वचुन ताज्या कपलार हात
दवरलो जाल्यार तो जोरान खदखदतालो.
'जय, वखद घे उठ,' एक बायलमनशेल्या
उतरांनी हांवे सट्ट करून पळयले. जाल्यार
धव्याच कपडयातली ती नर्स आशिल्ली.
जयान वखद घेतले आनी ती नर्स उठून
गेली.

'पप्पा-मम्मीक आजय लींव मेळ्ळीना.
राती ताणी म्हाका व्हडल्या दोतोराक
दाखयले आनी म्हज्याखातीर ही नर्स
दवरल्या.' ताज्या बापडया तोंडाक हांव
पळयत रावलो. दुसरे किते करतलो आसलो
हांव ? हांवे आयज परत त्या दोन घरांची
तुलना केली. त्या सुंदर घराक, त्या व्हड
मनशांक पळोवन म्हाका दिसताले, कितले
सुखी हे लोक ? कसलो आसा तांका त्रास ?
जयाक पळोवन तर पयली हांव सदांच
म्हणतालो, 'खरेच, बरे भांगरा नशीब
घेवन आयला हो. ही सगली गिरेस्तकाय
भोगपी जयाक दुख म्हटल्यार किते तेंच
खबर ना दिस्ता.' पुण ते दिसा येवजतकर
दिसले, हांवच गिरेस्त. ना जांव म्हजेकडेन
पैशे. ना जांव म्हजेकडेन बरे कपडे.
पुण आई-बाबालो मोगच पुरो म्हाका
भांगरासारखो. म्हाका शाळेतल्यान येवपाक
मात्सोय वेळ जाल्यार काचाबुल जावन
जेवनासतना रावपी आई येवजली. मात्सो
जोर आयल्यारय कामार वचनासतना
उशाकडेन बसपी बाबा येवजलो. किते
नाशिल्ले म्हाका ? वाढदिवसाचो केकय
आमगेर कापनात, त्यो पार्टीय आमगेर
नात पुण म्हज्या वाढदिसाक यादीन कितेय
गोडशें करून म्हऱ्यान बसून म्हज्या तोंडान
घालपी आई.... खरेंच हांवच गिरेस्त.

दोनच दिसांनी जय म्हाका रडत
सांगतालो, 'पप्पा-मम्मी वेगळे जातात;
घटस्फोट घेतात. मम्मीक नवो पप्पा
मेळतलो, पप्पाक नवी मम्मी मेळतली. पुण
म्हाका कोण ? हांव अेकसुरोच उरतलो...'
ताजीं उतरां काळीज कापीत गेलीं. म्हज्याच
वयाच्या जयाक ल्हानपणांपुसून धक्क्यार
धक्के बसत गेल्यात. ताका खऱ्यांनीच
आधाराची गरज आशिल्ली. पुण कोण
दितलो ताका आधार ? ताजे पप्पा-मम्मी
तर एकामेकांचोच आधार सोडून तिसऱ्याच्या
आधाराक धावतात आनी तो बापडो जीव
मदीं घुसमटून गेला.

चार दिसांनी बातमी आयली जय आनी
ताजे पप्पा-मम्मी तो बंगलो सोडून वतात
म्हण. जय.. एक वाळवंटाभशेन आयलो
आनी तसोच गेलो कार केन्ना गेली.
'हरीश, यो बाब. भजीं तळल्यात
तुज्याखातीर' आईच्या उल्यान भानार
आयलो आनी भितर गेलो. आईच्या कमराक
वेंग मारुन तिगेल्या खांद्यार तकली
वडोवन रावलो. आई म्हज्या केसांतल्यान
हात फिरयताली. 'पिसो खंयचो.' म्हज्या
मनातल्या वादळाची तिका खंय कल्पना ?



कपयाळें

— भरत

म्हाका जाग आयली. हुसक्यामेकळी जाग. दोळे बंदूच दवरून हावें सुलूस घेतली. अशा शांत वातावरणांत दोळे धांपून पडून रावपाक म्हाका आवडटा. पयस खंयतरी सुणे भोकतालें. बंद दोळयानी सगळी शांतताय हावें घोटून घेतली. कांय वेळान पयसुल्ल्यान अेक ट्रक हायवेवेल्यान गेल्याचो आवाज आयलो. आमचें घर हायवेक तेंकुनूच आसा. मागीर ट्रक अितले पयसुल्ल्यान कसो ? खंयच्या रस्त्यार गेलो ? हावे दोळे उगडले आनी म्हज्या लक्षांत आयले-- हांव बेळगावांत आसा. कामधेनू हॉटेलांत, दुसरे माळयेर रूम नंबर अकरा.

आयज चवथो दीस, हांव ह्याच रुमांत आसां. खरें म्हळयार तीन दीस रावल्या उपरांत म्हाका अशें घुस्पूंक जावपाचें न्हय. बेळगांवची संवय जावंक जाय आसली. पुण ते तीनूय दीस म्हाका तकली वयर काडपाक फुरसत मेळळीना. मेज, हांव, आनी दोळयासामकारची वणत. तकली कल्पनेच्या विश्वांत. थळ, काळ, वेळ सगळें गौण. आयज मेकळो जालों तसो धर्तरेर देंवलों. त्या अर्थान बेळगावांत ही म्हजी पयलीच रात म्हणूक जाय. पयले राती घुस्पूंक जालें जाल्यार अजाप न्हय.

सकाळी बेगीन उठूंक जाय. पणजेची बस धरूंक जाय म्हणून हावें जनेलां उगडींच दवल्लेलीं. रस्त्या–लायटींचो उजवाड आनी कुशीच्या हॉटेलांच्या अिस्कादेक पेटयल्ल्या बल्बांचो उजवाड जनेलांतल्यान म्हज्या रूमांत पडून मनभुलायणी थंडाय पातळल्ली. रातीची शांतताय आनी ही उजवाडाची थंडाय हांचो सोबीत बरो मेळ बसतालो. शारांत असलें वातावरण मेळप कठीणूच म्हणूक जाय. अशा वेळार हावें लायट पेटोवप म्हळयार शांततायेचो भंग केल्ल्याचो गुन्याव.

हात लांब करून टिपॉयवयली हाताची घडयाळ काडली आनी जनेलांतल्या उजवाडांत धरून वरां पळयलीं....पावणे स ? म्हजेर आकांत आयलो. कुशींत शेंवटून हांव उठलों, आनी लायट पेटयली. मान्यातली लायट पेटोवन घोट घेतलो. दोळयार उदक माल्लें आनी तोंड पुसपाक खुंटाळयाचो तुवालो ओडलो. तुवाल्यापोंदा रुमाचें थालें झुमकळटालें. थाल्याच्या बुराकांत चावी. चावयेच्या लॉकेटाचेर तांबडया अक्षरान कोरांथलेलो नंबर '१७'. म्हजो रूम नंबर ११. पुण चावयेचो नंबर सतरा. हॉटेलाच्या मालकानूच तें घुस्पावन दिल्लें. दाराचें कुलूप कोणेतरी चोरून व्हेलें आसतलें वा शेणलें आसतलें. मोडलेंय जांवये. देखून दुसऱ्या दाराचें काडून म्हज्या दाराक लायलां जातलें. परतून घडयाळ पळयलें. अडेच ...! आरे ! अडेचूच जाल्यांत ? वदळ घडयाळ उरफाटें धरून पळयल्लें जातलें. हयवय !

तशेंच जालां तें. हावें घडयाळ परतें करून पळयलें. आयज घुस्पल्लेवरी जाली.

लायटी पालयल्यो आनी हांव परतून न्हीदूंक गेलो; पुण परतून न्हीद लागचीना अितलों तट्टीत जागो जाल्लों आवाज बंद जावन आता कोगळाचें गायन सुरू जालें. बा अितलें गोड गायन हांव गोयांत लेगीत केन्ना आयकूंक पा रातच्या वेळार तो म्होवाळ आवाज दर अेकाच्या घ चीरून वतालो. मनांत म्हळें कोगळा, ह्या खदबळीच्या श हो थोडोच वेळ गावंक मेळटा. पोटभर गावन घे. तू दिसा आसतलें. पुण आपल्या कामाफुडें तुजें गीत आयकुपाक मेळना. आनी मेळ्ळोय जाल्यार, मनशांच्या आनी तरेकवार आवाजांत तुजो नाजूक आवाज कोणाच्या काना

कोंबो आड्डलो. हांगा कोंबेय साद घालतात लायटींचो उजवाड आशिल्ल्यान बाबडयांक रातभर फांतो लागता. म्हजेवरी कोंबोय घुस्पलो ...! परतून सुण्यां आनी ट्रकाचो आवाज. बऱ्या वेळान परतून सगळें शां दिसलें हें सगळें श्रवण करतनाच म्हाका न्हीद लागतली.

आनी अितल्यान– 'घबांयच.... !' कोणेतरी ख दार उगडले. अेक ल्हानशी बायलेची किळांच. आयदनां फाटोफाट ल्हान भुरगे रडलेल्याचो आवाज हें सगळें लाग म्हज्या रूमाक तेंकून. त्या घडघडान शेजारचीं घरां ज आसतलीं. हावें जनेलांतल्यान सकल पळयलें. अेक दाद वयल्यान धांवतालो. दुसरो रस्त्यार पडलेलो. थंयच साव गाळी घालतालो. उकत्या दारांतल्यान अेक बायल भुरग घेवन भायर आयली. पडलेल्या दादल्याक तिणें उठायलो शिवोर घालीत तो बायले वांगडा चलूंक लागलो मागी गाळी. सोरो निवळूंकना म्हणपाचे ताज्या उतरांचेर कळटा घरांत गेली. फाटोफाट तोय भीतर सल्लो, आनी घडांयच धांपलें. तरी ताजें आडडप भायर येतालेंच. मदीमदी तीवू सगळें हेंगाडी मराठीत. थोडींच उतरां कळटालीं. मदींच किळची. त्या समयार हो बोवाळ म्हळयार हारशावा मळब, झाडांपेडां आपले रूप पळोवपांत गुल्ल आसतनां मोठो फातर उडोवन सगळें उदकूच खदूळ केल्लेवरी...

हे घडणुकेचें कारण कितें आसू येता ? तो ताज्या कित्याक धांवलो ? खोंट मारून दार कित्याक उगडलें ? कितें करताली ? तो तिजो कोण ? ह्या सगळ्या प्रस्ना

लागलों. म्हज्या कल्पनेतलें उत्तर कितलेंय जरी जुळ्ळें तरी कारण सोडून काडल्याबगर म्हाका सूख लागचेंना. न्हीदूय ना. हातुणार तळमळे काडचेपरस सकल वचून कितें घडलां यल्यार बरें म्हूण हांव खुमीस लकोवन भायर सल्लों. सपणा . पळय जाल्यार भायल्या दरवंट्याक थालें. मेजावयर घुस्पट न्हिदलेलो मनीस कुबेर्तापोंदा हुळहुळटालो. म्हज्या पावलांचो ज कानौर पडनाफुडें थाराक न्हिदलो. म्हाका कळ्ळें. न्हिदेचें घेतलेल्याक उठोवप कठीन. वदळचो बोवाळ ताज्याय कानार जावंक जाय. पुण तोय बाबडो आतांच आड पडला जातलो. र पुरो जायसर वावर करून थोडो वेळ न्हीदूंक मेळटा तो क व्हगडावचो अशें म्हणून ताणेय कानार केस काडल्या .

हावें थालें मातशें ओडून पळयलें आनी परतून रुमांत गेलों. ाक आंग तेंकयलें आनी कल्पनेच्या धाग्यान जाळें विणपाक त केली. जाळयांत पयलो शिरकलो तो तिजो बेबदो घोव.

'हांव घोव तिजो. जाण्टो जालों म्हणून कितें जालें ? आंगा- घट आसा हांव. दीसभर काम करतां, जोडून हाडटां. केन्नाच कितें फाल्त पडूंक दिवंकना. भांगराच्या जाग्यार यो तरी वस्ती आंगार घातल्या तिज्या. पुण ही... मणी गळ्यांत घालता आनी ताज्या कुशीक न्हिदता. हांव पावना हीका ? तरणो जाय ? तरणो जाय आसलो जाल्यार गळ्यांत कित्याक पडलेली ? वचची आसली तेकाच ! ... सदांच येता तो. हांव पिवंक बसलोसो पळयता आनी टेन भितर सरता. नाजाल्यार आपुण फोर्सान घालता म्हाका मागीर हांव जार जावन न्हिदतां. आनी हो सुसेगाद म्हजे ... दोन खेपो धल्लो ताका हावें. तिवूय कोमिनार आसा पयले खेप धल्लो तेन्ना तो भायर सरतालो. हीका विचाल्लें र हिणे म्हज्या दोळ्यांक उदक लायलें– 'बेश्टो येयलोलो तो, चलता भीतर सल्लो आनी गेलो. च्या पसून पिवपाक ां.' दुसरे खेप ताका हावें धल्लो तेन्ना निकतोच भितर . हात घालतांच हांव धावलों. हीणे बोब मारून सावपणाचो ाडलो. तितल्यान तो पळ्ळो. वयल्यान ही म्हाका तापोवंक . तुवें ताका सोडलो कसो काय म्हूण. येदो व्हडलो हक्काचो –घोव आसतना बाटेवयल्या मनशान घरांत भीतर सरून पदराक हात घातलो म्हणून रडपाक लागली. वयल्यान दूशण ... आयज हावें चितलेलेंच हाका जितोच मारून लों म्हूण. रामपुरी चाकवाक धार काडली आनी बोल्सांत हाजे पाळटेर रावलों. अेक कॉटर पेटयलो. दुसरो भरून घेवपाक भितर सल्लों जाल्यार हो बाजीराव पिवपाक बसला. हावें कती केलो— पुण नाका. थंय नाका. सारको सापडटलों. तलों खडी फोडूंक आनी म्हजे बायलेक तिसरोच कोणूय ... हाका काळखांतूच धरून चीरतलों आनी थंयच फोंड रतलों. खंय गेलो कोण जाणा, अशें जावंदी. तसोच वचून दिसना थंय ताजी वाट पळयत काळखांत लीपून रावलों.

कितलो वेळ जालो तरी हो भायरूच सरना. म्हाका पळयलेलो ताणें हातांतलो चाकूय पळयला जातलो. खंयच्यान तरी वाट काडून पळ्ळो जावंक जाय.

बरीच रात जाली तरी हो भायर सरना. म्हजो कोटर निवळ्ळो. रागान सगळी बाटली तोंडाक लायली आनी दुकनाकडे गेलों. पळयल्यार दुकन बंद. म्हाका बरेंच कॅट केलें. आयज सुटलो म्हज्या हातसून. फाल्या हाका कसोच सोडचोंना. दुसरी कसली तरी माण्णी काडून हाका सगळी वाट दाखयतलोंच. अशें थारावन घरा गेलों. दार धांपलेलें आसलें. आनी हीं दोगांय भितर किटकिट्टालीं. म्हाज्यान सोसूंक जायना जालें. हावें खोंट मारून दार उकतें केलें. कलसांव थंयच साणून ताणें धांव मारली. खंयच्यान गेलो म्हाका कळ्ळेंचना. हांव चाकू उबारतां म्हणसर हो भायर पावलो. धांवलों ताज्या फाटल्यान हांव. पुण पडलों हांव. नाजाल्यार ताजो जीव घेतलाच. कसोच सोडचो नासलों. फाल्यां येवंदी ताका. आयलोना जाल्यार पसून आसा थंयचो सोदून काडून हो चाकू ताज्या पोटांत घातल्या बगर कसोच रावचोंना हांव.

– आनी तो हातांत चाकू घेवन चार घेपां धांवच्या पयलीच जमनीर पडलो.

ल्हान भुरग्याक हांडीर घेवन ताजी बायल आयली. गोरीपीट्ट नाक, दोळे, केंस सगळें ठाकठीक. हड्ड्यावयलो पदर ओडून भुरग्यान तिजें पोट लेगीत उकतें उडयल्लें. पुण तिका पर्वा नासली. म्हाका

पळोवन ती वदळचोच आपलो प्रियकर आयिल्लेवरी हांसत लागीं मायली.

'कशी आसा ?' – हावें विचाल्लें.

'भायर नाका, भितर बसुया' ती भितर गेली. आमी दोगाय भितर बसलीं.

'हांव बायल ताजी. चार वर्सां जालीं आमच्या लग्नाक. हाजेकडें अेक भुरगें जायना. दीसभर बरो आसता तेन्ना हो कामाक गेल्लो आसता. रातचो पिवन घरा येता तेन्ना पांय जमनीक लागना. पडटा थंय न्हिदता. मागीर बायल नाका आनी कांय नाका. कितलीं वर्सां म्हणून वाट पळोवप ? कोणेतरी म्हूंटी भरूंक जाय आसली. तो बाबडो येता म्हणून अेक तरी भुरगें म्हज्या पदरांत पडलें. खूप मोग करता तो म्हजेर. दोन वर्सां जायत आयलीं. म्हजेवयलो साजो मोग अिल्लोय अुणो जावंकना. पयलेच राती येयलोलो तितलेच तळमळीन तो आयजूय येता. अितलो तेंप म्हाका केन्नाच विचारूंकना घोवान म्हज्या. हावेंय ताका जाग लागूंक दिलीना. जाता तितली जतनाय घेतली. ह्याच दिसानी हळूहळू कळपाक लागलें ताका. शेजाऱ्यानी कान फुंकले आसतले. हो पिवन भितल्ले बटेन न्हिदतालो तेन्ना तो म्हजेकुशीक न्हीदतालो. अेक दीस पसून ताका दुबाव मारूंक ना. आयजूच कसो मारचो ? त्या घरा मोठेली बायल बरी न्हय. आपुणूय करीना आनी दुसऱ्या पळोव नज. दोळे फुट्टात... तो येता म्हणून उमेद आसा नाजाल्यार ह्या बेबदयाकडें दीस काडू येताले ? देवासारको तो म्हाका. कितें जाय तें माग म्हणटा. हाडून दिता म्हणटा. सांगता ताका– तूंच यो, आनीक कांयच नाका म्हाका. भिलो तो. चाकू पळोवन काळीज वयर सल्लें आसतलें. हातांत चाकू पळोवन हांवूय भिलें. बेगीबेगीन लायट नाजाल्यार माल्लाच ताणे ताका. सुटलो बाबडो. देव पावलो पुण परतून आयल्यार पुरो. आयलो ना जाल्यार म्हाका तळमळे काडचे पडटले, ताज्या अितलो कोण म्हजे करतलो... ?'

'हांव... '

हांव तिका कितेंतरी सांगूक वतालों. निकतेंच उत फुट्टालें. अितल्यान हांडीवयलें भुरगें रडपाक लागलें. तिणे ता मुखारूच दुदाक धल्लें. हांव पळयत अुल्लों. आनी तेन्नाच गेली.

हळूच दार धुकलून तिजो प्रियकर भीतर सल्लो.

जो खरो घोव हांव. ताणें लग्न केलां जायत तिजेकडेन. ोव जावनूय घोवपणाचें जें सूख बायलेक जाय आसता तें शकलोना. तें हावें दिलें तिका. तो फकत समाजाक खातीर. तिका जाय तें हावें दिलां. मोग दिला, भोग ी सगळ्यान म्हत्वाची वस्त म्हळ्यार भुरगें, जें ताज्यान ेना तें हावें दिलें. ताणें म्हजे उपकार मानपाचे. जिवित- रिणांत आसा तो. वयल्यान सुरी घेवन मारूंक येता ! कळळी ताका आमची भानगड. कळूंदी. हांव भियेना ांव वतलों फाल्यां परतून. चडूच करीत जाल्यार हांव न पळपी. खंयतरी वचून रावपी तिका घेवन... अितलो हाणे केन्ना धांवडायलोना. नकळ तो हांव घरांत न्हिदतां हांव हाका व्हरून घरा पायतालों. तो भीतर जमनीर , आमी भायले कुडींत न्हिदतालीं. मातूय सुलूस लागली ? कोणंतरी तिडायला ताका. म्हणून फुल्ला तो म्हाका ... म्हज्या जिवार उठला ?... हांव पळोवन घेतलों

जें भाशण आयकता आयकता म्हाका केन्ना दोळो लागलो . सकाळी जागो जालों तेन्ना स बरां जाल्लीं. हावे क उठचें केल्लें. अर्दवर लेट. साडेसातांची बस धरूंकूच जाल्यार तिकेटीचे पयशे बुडटले. वचच्या पयलीं तें बायलेक र तिज्या घोवाक तरी मेळूंक जाय त्याबगर सुख लागचेंना. खाड काडलें. न्हावंक रावल्यार कळाव जातलोच. म्हणून प्रवासान पुरो जातलेंच. सोमतो घरा वचून न्हातलों. र उदकूय अजून येवंक नासलें. बेगीबेगीन बॅग भल्लें. ल्यार दिवन ताजें बील फारीक करतना मालकाक बेठेंच कल रातको उधर झगडा किसका हुआ ?' मालकान बील रयतांच जाप दिली– ' झगडा नहीं, लफडा है. तें रोजचेंच . '

ावी घेतली आनी बिल्डींगे फाटल्यान त्या घराकडे गेलों. च आसलें. हांव वचून दारार उबो रावलों. तकली सकल क बायल कपयाळें शिवताली. म्हाका पळयनाफुडें कपयाळें डोवन सडसडीत उठून उबी रावली. माथ्यावयल्यान पदर ुजे कल्पनेपरस कमीच सुंदर. कातीचें गोरेपण थोडें वोतान आनी थोडें चिखलापोंदा लिपलेलें. न्हावन धुवन येत री गोरीपिट्ट दिसतली. कपलार पांचव्या रंगाची पाडून तिकली. हातारूय जायतेकडें चित्रां पाडून घेतलेलीं वेवरी दिसपी धवी कांकणां ग्लेड वचून तांबशी जाल्लीं. कानातलीं घालून कानाची पाळी पिंजलेली. नाका- बुराक मोठो जाल्लो. नाकातली धवी पिली पुडयेर ी. खूपदा फणी मारूंक नासल्यान केंस काबळो किसल्या- ताले. दोळ्यार देंवलेले केंस तिणे हाताचे चिमटेन धरून ल्या केसांमदी शिरकायले. गुबगुबीत मुखामळावयले दोळे ून दोळ्यापोंदचो वाटार काळो पडलेलो.

तांत बॅग घेवन अेक अनवळखी मनीस आपल्या दारांत उबो र

आसा तें पळोवन ती खाकुडलेल्यावरी जाली. कितें उलोवचें तिका समजना जालें. परतून साडयेचो पदर ओडून जाता तितलें आंग आनी गळो धांपीत ती पावलभर फाटींच सल्ली. रींती उसरां न्हिदलेलें भुरगें अजून उठूंक नासलें.

' तुम्हारा यजमान किधर है '– म्हजी हिंदी.

' दादला व्हय ? '– मराठी उलोवंक जाय हें हांव विसल्लेलों. गोंयाभायर खंयूय गेल्यार पयली म्हज्या तोंडाक हिंदीच येता.

' हां... हां... तुमचा नवरा. ' हावें सारकेंच समजायलें.

' कामाला गेलेत. कुठून आलायसा ?'

रातचो सुरयेचो उगडास जावन त्याच संदर्भात कोणतरी आयला जातलो अशें येवजून तिजें काळीज धडधडूंक लागलें जावंक जाय.

तिजे तकलेंतलो गोंदळ पयस करपाक हावें सांगलें, ' मी गोव्याहून आलो. ह्या हॉटेलमधें रहात होतो. वरच्या मजल्यावर काल रात्री तुमचं भांडण मी ऐकलं. तिकडे पडला होता तोच तुमचा नवरा का ?'

' व्हय जी. दीसभर काम करतो, म्हून रातच्याला थोडी घ्यावी लागते बघा त्यांना. '

' कांही लागलं बिगलं नाही ना त्यांना ?'– हांव अजून दारांतूच आसलों. परक्या मनशाक भितर यो म्हणपाक तिका धाडस जायना. हावें मुद्याक हात घातलो–

' चोर शिरला होता का घरांत ? पळत होता तो कोण ?'– फट घालून खरें काडपाचो म्हजो यत्न.

' चोर ? नायबा ! आमच्या घरांत चोर काय नेला ईल ? तो माझा भाऊ हाय. '

' भाऊ ? ब्रदर ? I mean तुम्हाला भाई... ?' म्हजो विस्वासूच बसना.

' व्हय जी ! सख्खा भाऊ... अजून काम मिळत नाय बघा तेला. न्हानार कुठं ? खानार काय ? म्हून कंदीबी इथं येतो न्हायला. पन माझा नवरा तेला घरांत घेत नाय बघा. जेवायला- खायला घातलं, न्हायला दिलं तर काम करनार नाय म्हन्त्यात. सायब... तुमच्या गोव्यात घेवून जा हो त्याला... तुमचे उपकार इसरनार नाय म्या... '

राती जागरण करून रंगयल्लें म्हजें चित्र तिणे अेका खिणांत पुसून उडयलें. गुन्यावकार जाल्लेवरी हावें तकली सकल घातली- हात सदळ जावन हातांतलें बॅग गळपाक पावलें. म्हजें कल्पनेचें जाळें हावें तिज्यासामकार पिंजून उडयलें आनी हांव चलूंक लागलों. कांय पावलां वतकच फाट वळून पळयलें. दारार उबी रावून ती बायल करूण नदरेन म्हजेकडेन पळयताली. भुरगें जागें जावन रडपाक लागलें. चलता चलता विचारांची माळ तुटून कांय मणी रस्त्यावयल्यान गडगडून वालेतीन गेले. कांय म्हज्याच पांयापोंदा चिड्डले. रिक्षा करून स्टॅंडार गेलों. बसींत बसून पणजे पावसर हांव त्याच सुतान नवे मणी गुंथपाचो प्रयत्न करीत आसलों.



खलिल जिब्रान

— रवीन्द

खलिल जिब्रान भारतीय लेखक न्हय. जे भाशेंत तो बरयतालो ती अरबी भास्य ह्या देशांतली भास न्हय. पुणून, अेक विसरंया नाका : संस्कृत भाशेचे पंडित ह्या देशांत बचन थंय पळोवंक मेळटात तशें अरबीचेय मेळटात. अरबी आमकां चीनी जपानी सारकी परकी भास न्हय. आनी जिब्रान्य आमकां परको, पयसलो व अनवळखी लेखक न्हय.

म्हाका अुगडास जाता : हांव त्या वेळार वीस बावीस वरसांचे पिरायेचो. जिब्रानान म्हाका पिशें लायिल्लें. म्हाकाच म्हणिना, म्हजे पिळगेंतल्या खूबश्या भुरग्यांक. धरमाच्या जावं परंपरेच्या, संस्क्रुतायेच्या जावं रुढिंच्या नांवान समाजांत जें कुड्डेपण, पांगळेपण, दांभिकपण, कुसकेपण, फातराळपण, निबुद्‌पण चलत आयलां ताच्या आड वंडाची घुडी घेवन अुबो रावि्ल्लो साहित्याच्या मळावयलो लोहियाच कसो तो आमकां दिसतालो. आमकां ताची खूब खूब ओड. पोर्तुगेज तागेल्या जल्म- शताब्दी वरसा कोणेंय कसलोच उत्साव केलो ना हें बरें जालें ना. १९६१ त रवीन्द्रनाथांचो जाल्लो तेद्याच दबाज्यान जिब्रांनाचोय जावंय जाय आशिल्लो.

आमच्या तीन चार पिळग्यांचेर ताचो आकांताचो प्रभाव पडला. ताणें ह्या तीन चार पिळग्यांची नदर बदलल्या.

जिब्रानांचें म्हत्त्वाचें पुस्तक म्हळयार The Prophet. यंदेशें- शंबर पानांचें लेगीत न्हय. आंगान ल्हान. पुणून ' परिणामीं थोर.' गीता, कुराण, बायबला येद्याच तोला मोलाचें. अेक नवो धर्म संप्रदाय निर्माण करपाची तांक आशिल्लें. हें पुस्तक जाणे वाचूंक ना आनी वाचून जो प्रभावित जावंक ना असो शिक्षीत भारतीय म्हज्या तरणेपणांत नाशिल्लो. आयजूय आसत अशें दिसना. म्हजेर ह्या पुस्तकाचो जो परिणाम जाल्लो ताचो अुगडास काडटां तेन्ना मन आयज लेगीत अुचांबळून येता.

वीस बावीस वरसांची पिराय म्हळयार जिवितांतली सगळयांत म्हत्वाची. हेच पिरायेर मनीस फुडाराची वाट वेंचून काडटा. हेच पिरायेर मनशाची पोरण्या मूल्यांवेली श्रध्दा अुडून वता. हेच पिरायेर मनीस नवीं सपनां पळेता. नवें कितेंय नरी सोदूंक लागता. जिविताक नवो अर्थ दिवचे खातीर, नवी वाट दिवपा खातीर मनीस हेच पिरायेर आंवडेता. हांवें हे पिरायेर परंपरेन चलत आयिल्लीं मूल्यां सोडून दिल्लीं वा म्हणुंया– हे पिरायेच्या प्रभावान तीं आपशींच गळून पडिल्लीं. हांव अेके ' फिलॉसॉफी ऑफ लाअिफा ' चे सोदींत आशिल्लों. मार्क्सवाद, बुद्धिवाद वाचून फ
मेळूंक नाशिल्लें. अश्या वेळार जिब्रानाचें The P
हातांत पडलें. आनी जें कितें सोदतालों, सोदींत रा
मेळूंक ना म्हूण निर्भवपा कडेन पाविल्लों तें म्हाका
मेळ्ळें.

म्हाका अेक नवी नदर मेळ्ळी. अेक नवी ' फ
ऑफ लाअिफ ' मेळ्ळी.

जिब्रानान आपलो धर्म संप्रदाय अुबो केल्लो
ताची दीक्षा घेतल्या आशिल्लो. जिब्रान सगळ्याच
आशिल्लो म्हूण बाटावलों.

गांधी मेळ्ळा, तेन्ना ताका समजूपाक जिब्रानाच
आधार जालो.

वीस बावीस वरसांची ही पिराय म्हळयार मोग
पडिल्लॉय हांव.

' मोग तुमकां अुलो मारता तेन्ना मोग्यांनी ता
वचात. ताची वाट कठिण, त्रासांची, कांटयां– खुंटयांच
आसली जाल्यारूय.'

' मोग तुमकां आपल्या पांखाटचा खाला घेता
ताचे सुवादीन वायात. ताच्या पांखांटचा खालचे त
घाय केले जाल्यारूय ... '

मोगाचो हो म्हयमा पटपाक कळाव लागलो ना.
पुणून जिब्रानान जेन्ना हेंवूंय सांगलें– ' अेक लक्षांत
तुमचे तकलेर मुकुटय चडयता तसो तो तुमकां खुरस
तेन्ना मोगा कडेन पळोवपाची नदरूच बदल्ली.
धाडसाची, साहसाची, heroism ची शी दिसली. म
म्हजे अुंचाये मेरेन चडलो आनी ओनांत थरथरपी म
आंकऱ्यो आंजारूंक लागलो. तसो तो म्हज्या मूळम
आनी घांम मारिल्ले जमनींत भितर वचून म्हज्या मळ
कूय लागलो. पयलेच खेपे समजलें : ' मोग मोगा व
मोगा वगर कांय दिना. मोग आपणाक बांदूनय घे
बांदून दवरिना. मोग मोगांतूच परिपूर्ण आसता.'

कितें तरी नवें मेळिल्ले वरी दिसलें.
आनी मन खूब खूब खोलायेंत देंवलें.
सगळीं थिल्लरपणा आपशींच गळून पडलीं.
लग्न करप जिवेर मोग तिचेच कडेन हें तर थ
अेक ' आदर्श जोडपें ' म्हूण लोकां मुखार रावप
पुणून–

दर्श जोडपें ' पळोवंक नाशिल्लें.

जोडपें अेकामेकांत अेकरूप अेकजीव जालां तें ' आदर्श '
कत आयिल्लों. भोंवतणच्या संवसारांत पळेतालों तेन्ना
अेकरूप अेकजीव जावपाचें काम अेकली बायल मनीसूच
रीत आयल्या. तीच आपलें वेगळेपण सोडून– सर्व धर्मान
घोवांत विरगळून गेल्या. घोव खंयच विरगळून गेल्लो
शिल्लो. ' पतिव्रता बायलो पळेतालों तेन्ना बरेंय दिसतालें
नरी चुकता– चुकता– शेंय दिसतालें.

ानान अेक नवोच आदर्श मुखार दवल्लो. ताणें सांगलें-
ांय अेकामेकां खातीर जल्मा आयल्यांत. तुमी अेकामेकांच्यो
रावपाचें. पुणून तुमच्या ह्या सांगातांत तुमचे मजगतीं
दवरूंक मात् विसरूं नाकात. कित्याक, संवसारात
ारे व्हांवतात. तांकां तुमचे मदल्यान व्हांवंक मेळूंक जाय.'
का सामकोच नवो आदर्श हो. सांगातांत रावप, सांगातांत
पुणून अेकामेकां मजगतीं ' अंतर दवरून ' अेकामेकांच्या
ाक बादा येवंक दिनासतना. तिका तीच दवरून हांवें
न. ' दोगांयनी अेकामेकांचेर अुपाट मोग करचो. ' पुणून
खोडो जावंक दिवचो न्हय. '

कामेकांक काळीज दिवचें. पुणून मुठींत दवरपाक न्हय.
अेकामेकांचें कोप भरून दिवचें. पुणून अेकाच कोपान
य. '

ामेकांच्या सांगातांत रावचें. पुणून खेंटून न्हय.

ीर कशें– तर खंय ' देवळाच्या खांब्यां भाशेन अेकमेकां
अंतर दवरून. '

याक, पिंपळ आनी वड अेकमेकांचे सावळेंत केन्नाच
नात.

वे नदरेन भोंवतणच्या संवसारा कडेन पळोवंक लागलों
ो पतिव्रता बायलो – रागार जावचें न्हय कोणे – म्हाका
यां सारक्यो दिसपाक लागल्यो. आनी नव्यो–मोडर्न–बायलो
किणी सारक्यो दिसल्यो.

यांतलो ' घोव ' आपशींच बदल्लो.

का म्हज्या खाजगी जिवितांतल्यो खबरी कोणाक केन्ना
यो दिसल्यो नात. तितलें म्हज्या जिविताक मोलूय ना.
गजाल केन्ना केन्ना भीड मुरवत कुशीन दवरून सांगची-शी
ांगतांय बी – लग्न जावन आतां आमकां छत्तीस वरसां
मचो सभाव वेगळो. आमच्यो अभिरूची वेगळ्यो. आमचे
गळे. अितलेंय आसून ह्या छत्तीस वरसांच्या काळांत अेक
अेकामेकांचेर तापिल्ल्याचो वा झगडलेल्याचो आमकां
ायना.

ानाचोच हो आमच्या जिविताचेर जाल्लो प्रभाव अशें
ीं.

मची भुरगीं तुमचीं न्हय '– हें तर सामकेच नवें. आमची
य जाल्यार, कोणाचीं ? तर खंय जाणें हो संसार रचलो
सार अुत्पत्ति, स्थिती, लयचे प्रक्रियेंत ' चलत ' आयला.

तो खिणा खिणाक बदलता. (म्हूण नवो ताल्ल दिसता). तो खंयच थांबना. अेकसारको चलयत रावता. हें सगळें ताच्यांत जें अेक ' चैतन्य ' काम करता. तें घडावेन हाडटा आमची भुरगीं ह्या चैतन्याचीं– हे विश्वजिणेचीं. ' आमगेर जालीं म्हूण आमचीं म्हणू येनात. आमचे सरी रावलीं म्हूण आमचीं जायनात. ' जिब्रान म्हणटा : तुमी तांकां माया दियात. तांची अुपुर्बाय करात. पुणून तुमचे विचार तांकां दिवं नाकात. तुमचे सारकी तांकां करूं नाकात. कित्याक, तीं रावतात ' फाल्यां च्या घरांत– जंय तुमी सपनांत लेगीत केन्ना पावपाचीं नात. '

मागीर, बापायचें काम कितें ?

जिब्रान अेक ओपार दिवन सांगता : जो हो संवसार चलयता तो अनंताचे वाटेर अुबो आसा, हातांत अेक धोणू घेवन. आवय-बापायच्या रूपाचें तुमी ताच्या हातांतलें धोणू जावपाचें. तो बागयतलो तितलें बागवपाचें. तुमच्यांतल्यान तो तीर सोडटलो. हे तीर म्हळचार तुमचीं भुरगीं. देखून ' तुमचें बागवप पूर्ण धादोसकायेचें जावचें. कित्याक, ' त्या धोणवाकाराक जितलो तिरांचो मोग तितलोच धोणवायेय मोग. '

नव्या शिक्षणशास्त्राचो मंत्रूच हो नवो.

जिब्रानाच्या ह्या The Prophet पुस्तकाची शैली आनी मांडणी तागेलीच खाशेली: जिब्रानी. ताणें आल्–मुस्ताचा नांवाचो अेक मनीस अुबो केला, ' देवाच्या कंठांतलो. ' कोण म्हणटात, खासा जिब्रानूच तो. हरशीं, आल्युस्ताफा म्हळचार पैगंबर. Prophet महमदाक लोक ह्या नांवान पाचारतालें. जिब्रानाचो आल्युस्ताफा महमदा भाशेन अेक संदेश घेवन जल्मा आयिल्लो- नव्या युगाचो. आयच्या संवसारांतलें सगळें कुस्कें पाडें नष्टें ना करून नवो संवसार घडोवपाचो प्रेरणा दिवपी संदेश हो. हो आल्युस्ताफा ऑर्फिलीज नांवाच्या अेका शारांत आपल्या तारवाची वाट पळेत बारा वरसां रावला. बाराव्या वरसा तागेलें तारूं ताका व्हरपाक येता. ह्या तारवार चडचे पयलीं तो शारांतल्या देवळा कडेन वता. थंयच्या चौकार अुबो रावता. थंय ताचे भोंवतणी लोक अेकठांय जातात. हांच्यांत भितर अल्–मित्रा नांवाची ' दिव्य नदर ' आशिल्ली अेकली बायल–मनीस आसता. ती ताच्या म्हऱ्यांत येता आनी ताका म्हणटा, ' तुका व्हरपाक तुजें तारूं आयलां. तुका आतां वचचेंच पडटलें. तेन्ना, वचचे पयलीं अेक काम कर–तुका जें सत्य गवसलां तें आमकां सांग. म्हणटकूच, आमी तें आमच्या भुरग्यांक सांगतलीं. तीं तांच्या भुरग्यांक सांगतलीं. हे भाशेन तें संवसारांत घोळत रावतलें. केन्ना ना जावंक पावचें ना. ' आनी आल्युस्ताफा आपणाक जें सत्य गवसलां तें सत्तावीस प्रवचनांनी थंय जमिल्ल्या लोकांक सांगता.

ह्या सत्तावीस प्रवचनांत किरिस्तांवांक खिस्ताचें शिकवणेचें अर्क मेळूंक जाय. मुसलमानांक अिस्लामाचें सार मेळूंक जाय आनी हिन्दूंक पुराय वेदान्त मेळूंक जाय.

अितलेंय आसून, संप्रदायांच्यो सगळ्यो वणटी मोडून मनीस भायर सरूंकूच जाय.

आयज मेरेन बंयच्याच धर्माक पातकाचो भय घाले बगर वा पुण्याचे हांयस दाखले बगर ब्रह्मज्ञान सांगूंक येवंक ना. जिब्रान कसलोच भय घालिना. कसलेंच हांयस दाखयना. फकत 'सत्य' सांगता– कुरडें नागडें आनी तें आमच्या काळजान नीट भितर रिगून आमचें जिवीत बदलूक लागता. अेक पुराय जिणे-दिश्ट– अेक 'फिलॉसॉफी ऑफ लायिफ' आमकां तातूंत मेळटा.

जिब्रान जल्मान किरिस्तांव. किरिस्तांव जालो म्हूण ताका आपली अरबी परंपरा सोडपाची केन्ना गरज भासली ना, किरिस्तांवपणाच्या कुरप्याखाला तो येवजींच जालो ना. तो अरबीच उल्लो आनी जिवलेंच आसून पेल्यादूय गेलो. कोणे अेकल्यान अेक खेपे ताका विचाल्ले, 'जिब्रान, तुगेलो धर्म कंयचो ?'

'धर्म ? हांव धर्म-बीर्म वळखना. हांव वळखतां तें फकत जीवन आनी जातूतल्यान तें अुदेलां तें चैतन्य.' जिब्रानान जाप दिली.

ताका ख्रिस्ताची खूब ओड. Jesus, the son of man नांवाचें ताणें अेक पुस्तक आसा. तें वाचतकूच कोणूय जेजुच्या मोगांत पडटलो. वट मार्ग सागडेला भाशेन अितलो ओड लायणो जेजू ताणे ह्या पुस्तकांत चितरायला. अितलोच फरक : जिब्रानाचो हो जेजू किरिस्तांवांचो– वा म्हणूंया, अिगर्जेचो जेजू न्हय, तर नाझारेथाचो. जिब्रान सदांच म्हणी : किरिस्तांवांचो जेजू आनी नाझारेथचो जेजू अेक न्हय. अेके कडेन ताणे म्हळां– शेंबर शेंबर वरसांनी नाझारेथाचो जेजू किरिस्तांवांच्या जेजूक मेळपाक येता. मेळ्ळे म्हणटकूच दोगूय दीसभर अेकामेकां लागीं अुलयत बसतात. निमाणे नाझारेथचो जेजू अुबगता आनी किरिस्तांवांच्या जेजूक सांगता : 'बाबा रे, तूं कितंय म्हण. म्हाका आनी तुका पडपाक ना' आनी अशें म्हणून तो अुठून वता.

तॉलस्तॉयच्या 'रिसर्रेक्शन ऑफ हॅल' कथेचो हांगा अुगडास जाता.

जिब्रान किरिस्तांव खरो. पुणून अेक बंडखोर किरिस्तांव. अेक तत्त्वज्ञ– परम तत्त्वाचो स्पर्श जाल्लो. अेक साक्षात्कारी. Mystic अणभव आशिल्लो. अेक गद्यकार. अपाट कवित्वान भरिल्ले गद्य बरोवपी. चित्रकार, शिल्पकार आनी संगीतकाव्य म्हूण ताणे नांव जोडिल्लें. अेक साहित्यिक. पुणून कलाविलासी न्हय. आनंद अुक्ताव-पाचे वा दिवपाचें अेक माध्यम वा साधन म्हूण
पळोवपी न्हय. तर, अेक कलारसिक : 'जीवन अुन्नत
करपाचे अेक साधन म्हूण साहित्याकडेन पळोवपी. मनश
जिविताकडेन कसले नदरेन पळोवचें हें समजावन
The Prophet बरयलें. मनशाचें ताचे भोंवतणच्या
कसले तरेचें नातें आसचें हें सांगपाक ताणे Garde
Prophet बरयलें. तो Death of the Propet
अेक पुस्तक बरोवपाचो आशिल्लो. मनशाचे
मंबंद समजावन सांगपाक. पुणून तें
येवचे पयलींच ताच्या जिविताची यात्रा सोंपल
जावचे पयलींच वा त्या अदमासाक तो भायर
Broken vings, Spirit rebelleous
कथेचीं पुस्तकां आसात. कथेच्या तंत्र–मंत्रांत घडये ती
बसय ना. पुणून तीं वाचल्या अुपरांत वाचप्यांक न्ही
कांय दीस तांकां अुंडी लेगीत वचची ना. Madman
erer नांवांची ताचीं आनीक दोन पुस्तकां आसात.
काणयां सारकीं – तीं वाचल्या अुपरांत मनशाक तीं
तरी खोल खोल ओडून व्हेले बगर रावचीं नात.
Foam नांवाचें ताणे सुभाषितांचें अेक पुस्तक बरयल
दिसता, हांतल्या अेका–अेका बिचारा फाटल्यान
आटलां जावंक जाय.

सोक्रेटिसान म्हळ्ळें : विचारांचें सौंदर्य आकर्ष्या
परसूय मन ओडून घेता. जिब्रान वाचता तेन्ना म्हाका
अेका वाक्यांत विचारांचें सौंदर्य दिश्टी पडटा. आनी
विचारतां – 'कित्याक ?' आनी हांवूच म्हाका जाप

'कित्याक, जिब्रान सदां सत्यूच सांगता आनी सत
सुंदर आसता.'

आतां जाणटेपणाच्या हुंबऱ्यार पावल दवरता आत
पुराय जिब्रान पर्थून अेक फावट वाचून काडचो
लागलां. ●

● मुम्बय आकाशवाणीचेर केल्लें उलोवप. मात

सांतली दीसपटी

ते दिल्ली (मार्गांत) पुणें

— अुदय नरसिंह म्हांबरो

ं १९८४

तची साडे धांची गाडी. इतले पैंस पयले फावट वतां.
ते आज्जेचें श्रादध. म्हज्या घडपांत आज्जेचो वांटो बरोच.
तना दर रातीक नवी काणी सांगपी, मागीर हांव बरोवंक
तितल्याच अुत्फरक्यान म्हज्यो कथा आयकुपी, रेडीओचेर
र्क्रम केलो तेन्ना आठ दीस पयली आयल्ल्या गेल्याक
जी आजी कळटा नकळटना म्हाका घडयत आसली.
वतेंतले किते कळटाले नकळो पूण म्हज्यो कविता ती
ायकताली. अंदू हांवें बरयल्ल्या अेका बरपाक राष्ट्रीय
ळलो. आयज आजी आसती जाल्यार घडये आपले
विसरून भुरग्या भशेन खोश्शेन नाचतली आसली.

ज तिजें श्राद्ध. जेवण मात्शें अुसरांच जालें. भुकेल्ल्या
ड पक्वान्नाचें भातें माल्ले आनी मात्शी लकणी आयली.
शांचे यादीक गोडधोड जेवणाचे भातें : विरोधाभास
वता पुण...

मुमीर पणजेसून मडगांवा वचपाक भायर सल्लों. सांगाताक
सिस्टा राव, शशी केळकार आनी रामा शिरोडकार.
गांवा शैलेशचंद्र रायकार आमकां मेळटलो. सातांच्या
मडगांव पावले. सामानाची वासलात आत्याच्या घरांत
लनबाय हेगडेचें घर सोदूंक भायर सल्ले. खरें म्हणल्यार
आमचेवांगडां येवपाचे. पुण चली ल्हान देखून ताणी बेत
वच्चेपयली आपल्यागेर जेवन वचात म्हण ताणीं आग्रो

नबायगेर वच जाल्यार तें सवळें. आयज अंगारकी. तांची
सोंपतासर आमी व्हीडीओ पळोवंक बसले. बेगीनूच जेवले
ाठाच्या अदमासाक स्टेशनाची वाट धल्ली. जेवण मात
. हळसांद्यांचें तोंडाक तर म्हाका खूबूच घोस्ताक गेलें.
वयले पंदरा दीस याच जेवणाचे यादीर काडूंक जाय.

ते दिल्ली व्हाया पुणे असो आमचो प्रवास. पुण झेलम
मडगांवसून दोन आनी वास्कोसून दोन अशे फक्त
रिझर्व करपाक मेळटात. आमी स जाण आसात. पुण्या-
ना. कारण मिरजमेरेन बर्थ रिझर्व केल्यात आमी. फुडें
पुण्याक मात त्रास जातले. तरी कुडचडकारान आमकां अुतर दिल्ले
सय बर्थ कनफर्म करून दिता म्हण. गाडी सुट्टा सुट्टा कुडचडकार
दिसलो. आमी ताका कन्फर्मेशनविशी विचारतकीच ताणे म्हळे,
' कनफर्म जाल्या. पुण्याक बोर्डार नावां लायतकीर फारीक करात.'

गाडी सुटली, आता किते करतले ! थोडचो हेवटेनतल्यो
तेवटेंनतल्यो गजाली करून जाल्यो. सावडु फाटीपडले. रामा न्हीदेच्या
सुवादीन जावन तारसुरांत घोरेवंक लागला. आनी अेका जनेलांत
हांव आनी दुसऱ्या जनेलांत रमेशभाई दीसपटी बरयतात.

पुणे – २१ मार्च १९८४

साडे आठ जाल्यांत. गाडी मिरज पावली. लागीच्याच प्लॅट-
फॉर्मीर मुंबयची गाडी तयार आसा. आमी सामान घेवन गाडी
बदल्ली. गाडी सुटपाक कळाव आसा. स्टेशनाभायर वचून तिगा-
तिगांचे पंगड करून चा पियेवन आयले.

सांचे चार वरांचेर पुण्याक पावले. 'झेलम अेक्सप्रेस' सवाय-
सातांक सुटटली. पोटाक चुरचुरून भूक लागल्या. दनपरां गाडयेत
जेवण घेतिल्ले. पूण व्हडलेंशे मानवले ना. रामाक सामानाकडे
दवरून आमी भायर सल्ले. रमेशभाई म्हणूक लागलो हांगाची
अुसळ फामाद म्हणून. देखून आमी अुसळ आनी च्या घेतली. रमेश-
भाईन अुसळ आनी धंय घेतलें.

मागीर अशी अेक पासय माल्ली. म्हळें निमतान मराठी
साहित्य पंढरी पुण्यांत पावल्यात. थोडे भोवून तरी पळोवया. पुण
साहित्य पंढरी म्हण आमका तशे लेखक कवी बी मात रस्त्यार
मेळ्ळे नात. पुण जगातल्या नामनेच्या बरोवप्यांची पुस्तकां दोन ते
तीन रुपया दरान मेळ्ळी. पुण्याकसून जर बद्द घरा वचपाचें
आशिल्ले जाल्यार हांव सगळो फुटपाथ ठोक दरान विकतो घेतलो
आसलो. पुण इतले बजें घेवन इतल्या पयस वचप शक्य ना. हांगा
शेक्सपियरपासून सॉमरसेटमेरेन आनी मॅडम क्युरीच्या बायोग्राफी-
पासून फ्रिड अॅट नाईटमेरेन सगळयांचो व्हालोर तीन रुपया.

बॅगांत जागो ना तरीय कांय पुस्तकां घेतली. येतना वाटेक
लस्सी घेतली. अश्या मलईची लस्सी गोंयात प्रसादापुरतीय मेळची
ना. मुंबय जायते फावटी घेतल्या.

आयचो दीस अेकूण बरो गेलो. काल घराकडल्यान येतना अेक इस्पीकेचो कॅट बॅगांत अुडयल्लो ताचो आयज बरो अुपेग जालो. रेल्वेचो प्रवास करताना बरोबर सांगाती जायच. आनी सांगाती आसल्यार इस्पीक जायच. अेकूण किते ! इस्पीकेचे पैशे भल्ले. (खेळून न्हय. वेळ पासार जालो म्हूणून)

साडेसंक आमी सगळें सामान घेवन सकयल आयले. हांगाचो (waiting Room) प्रतिक्षागृह पयल्या माळयार. पूण राजेशाही. अजून खंयच्याच स्टेशनार हांवे इतलें सुंदर प्रतिक्षागृह पळोवंक ना. सकयल येतकीर कळळें, गाडी अेक वर लेट आसा. तितल्यान बर्थ कनफर्म जाल्या जाल्यार पळोवन आयले. पळयल्यार आमच्यो चारूच तिकेटी कनफर्म जाल्या. सांजे जावपी हाल इल्लेइल्ले दोळ्यामुखार येवंक लागले. पूण म्हळें जाता ते जावं.

गाडी येनाबरोबर गाडयेंत घालून घेतलें. गाडी सुट्टकीर तिकीट चेकर तिकीटां पळोवंक आयलो. आमचे चारूच बर्थ आसलेल्यान ताणे आमचेमदल्या दोगांक दबो बदलूंक लायलो. आमी ताका सविस्तर सांगतकीर ताणे मनमाडमेरेन न्हीदात, मागीर पळोवया म्हळे.

रातच्या अेकाकसुमार बोवाळ कसलो काय म्हूणून पळय जाल्यार रमेशभाई टी. सी. कडे व्हडल्या व्हडल्यान झगडटा. टी. सी. मात्सो तर्रर जाला. आनी किदयायचे किदेय अुलयता. इतल्यान आमी आमचेमजगती कोंकणीत अुलयतात ते आयकून वयल्या आनी कुशीच्या बर्थार न्हीदील्ले चार कुमठाचे तरनाटे सकयल देवले. टी. सी. रंग बळखलो. आमकां दोगांक दुसऱ्या डब्यान व्हरून बर्थ दिले. म्हजेकुशीचे तीन चार बर्थ रातभर रीकामेच अुल्ले. म्हाका न्हीद लागचेपयली त्याच टी. सी. न अेकट्याकडल्यान तीस रुपया घेवन ताका अेक बर्थ दिलो. तोय रातच्या देडाक.

दिल्ली – २२ मार्च १९८४

रातची अकरा वरां जाल्यात. सगळे हातपांय धुवन न्हीदेच्या सुवादीन जाल्यात. म्हाका न्हीद पडना. आयज हांवे भारताचे राजधानीत पयले पावल दवल्लें. आता येतना वाटेक वीजेच्या दिव्यांनी झगझगपी दिल्ली पळयली आनी केन्ना अेकदा दिस अुजवाडटासो जाला. फाल्यां आमी दिल्ली दर्शनचो कार्यक्रम आंखला. आताच गोवा सदनाच्या रिसेप्शनीस्टाकडे तिकीटी बुक केल्या. राव येवचो ना. रावाक आनीक कामा आसात. दिल्ली दर्शन ल्यामानान खूप सवाय, फक्त बारा रुपया.

आयज आमी कितल्याश्याच राज्यांच्यो शीमो हुंपल्यो, महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, राजस्थान, अुत्तर प्रदेश, चंबळचे खोरें पळयलें. सकाळी महाराष्ट्राची शीम हुंपून मध्य प्रदेशांत प्रवेश करीमेरेन सगळचाभर दिसताली ती काळी माती. आनी विदर्भातलो कवी वाघ म्हण्टा तेप्रमाण मदीमदीं '**काळ्या मातीत टिफण चालते**' दिसताली. (टिफण – जोत)

सांचे संच्या अदमासाक आग्रा पावले. गाडयेतसून 'ताजमहाल' ह्यन्हयसो दिसलो आनी दिल्लीचे वेध लागले. पुण ' पाव[illegible] तसली गत जाली. आग्र्याफुडे गाडी स्लोव जाली. णव [illegible] दिल्लीचो अदमास लागना जालो.

गाडी अुसरां सुटलेल्यान अुसरां पावतली हे [illegible] लक्षांत आयलें. आनी इल्लो इल्लो दोनूय वटांनी लायटी[illegible] दिसपाक लागलो. आनी दिल्ली तेंकलो. गाडी नवी दिल्ल[illegible] लागनाफुडे कितलेशेच कुली अेकावांगडा भितर घुसलें. [illegible] मेजकेच सामान आसलेल्यान आमका कुलीची गरज ना[illegible]

सामान घेवन आमी स्टेशनाच्या दरवट्यातल्यान [illegible] सल्ल्यात, इतल्यान,

' चलीये बाबूजी. '

' किधर जाना है बावजी ? '

' कितनी सवारी है बाबुजी ? '

कितलेशे आवाज कानांत गों गों करूंक ल[illegible] कितलेशे हात आमच्या हातातल्या बॅगांक धरून आप[illegible] ओडूंक लागले. पवित्र थळांतले भट अशेच लोकांक आ[illegible] रावक येवंचे म्हण ओडटात तें हांवें वाचिल्ले. आनी [illegible] नाडटात तेंवूय वाचिल्ले. ना म्हळयार दिल्लीक रातचो[illegible] बिल्ला सारको अेकाद्रो रीक्षावालो आसत आनी आम[illegible] खंयचे खंय व्हरत, सांगू येता! शिखडयांच्या ऑटोतुय [illegible] कारण हालीं पंजाब बरोच पेटला आनी खंयच्याच [illegible] विश्वास दिसनासो जाला.

पुण रमेशभाई हुशार. जायत्या गांवचे अुदक [illegible] दिल्लीक तर तिसरी काय चवथी फावट. ताणे सगळ्या [illegible] कटयले आनी आमी पयलीं लागीच्याच अेका खाणा[illegible] जेवन आयले. हांगा शीत भरपूर आनी नाजूक बऱ्या तां[illegible]

जेवले आनी दोन ऑटो करून ' गोवा सदन[illegible] दोन ऑटोचे बील छत्तीस रूपया. गोवा सदनात–गोंय [illegible] विश्रामघरांत–आमकां येवकार हिंदीत मेळळो. गों[illegible] सरचे आदीच आमी रिझर्वेशन केल्ल्यान बरे जालें.[illegible] अेका व्हडल्या सालांत आमकां स खाटी मेळळ्यो

आतां न्हीदतां.

दिल्ली शार – २३ मार्च १९८४

सक्काळीं अुठलो. न्हावनधुवन तयार जालो. सा[illegible] व्हरपाक बस येतली. ल्हव ल्हव सगळे अुठले. इतल[illegible] आयलो. तीन दीस आमच्या आंगार गोंया घाल्ले [illegible] आसले. तांची दशा पळोवं नजो. तांतुत वाटभर रंगपं[illegible] आनी भोपाळ स्टेशनार तर अक्षरशा आमी गुलाबीच [illegible]

कपडे दिता म्हणीसर बेड टी म्हणजे वाय[illegible] हांतरूणार पडून घेवपाची. ब्रिटीश अेका काळार हांगा [illegible] ताले हाची याद करून दिवपी चा आयली. चा मात [illegible]

ो शिजयतात आसतले.

त्यांचे न्हावनधुवन जातकीर ब्रेकफास्ट करपाक म्हणजे वन पोटाक थाकाय दिवपाची चा घेवपाक आमी वयर . ब्रेड, बटर आनी आमलेट खावन वयर काफी घेतली.

र साडेआठांक बस आयली. मागीर वरभर कितल्याश्या रीवून बसभर भोंवडेकार पुंजावन जातकीर पयल्या ेक 'लागले.

ार

थळ कुतुब वाठार आनी थंय आशिल्लो जगप्रमाद , सदचा कुतुब मिनाराचो सकयलो दरवटो बंद करून आनी चत्राय माल्ल्या. कांय वर्सांआदी हांगा अेकमेकांक इडून कांय भुरगीं मेल्ली ताकालागून वयर वचपाक दुर्घटना घडचेआदीं दुसऱ्या माळयारमेरेन वचूंक मेळटाले.

मिनार ७२.५ मि. अुंच आसा आनी ताका ३७९ ात. भारतातलो हो सगळयांत व्हड मिनार. सकयल १४.३२ मीटर आसा. मागीर वयर इल्लो इल्लो त सामको माथ्यार ताचो व्यास आसा फक्कत .

मिनार कोणे बांदलो आनी किदयाक बांदलो हाचेविशीं ांमदीं जायते मतभेद आसात. पुरातत्व खात्याच्या ण कुतुब–उद्दीन अैबक हांणे कुतुबमिनारची बुनयाद बमिनार बांदपाफाटल्यान ताचे दोन हेत आसले. बांदता णे तो विजयस्तंभ म्हणून बांदलो. तरीकय म्हत्वांच्या रगांव घालपाखातीर ताचो अुपेग जावंचो म्हण कुव्वतुल- दीच्या प्राकारांत तो बांदलो.

ुतुबमिनारचेर अेक नागरी लिपींतलो शीलालेख सांपडला अल्ला–अुद्दीनचो विजयस्तंभ अशें म्हळां.

अुद्दीन अैबक ११९३ च्या सुमाराक दिल्लीचेर राज्य . तेन्नाच ताणे कुतुब मिनारच्या वावराक हात घालो. कारकिर्दींत तो फक्कत अेकच माळो बांदूक पावलो. ताचे अुपरांत इल्तुतमिश हांणे बांदल्या आसूंय.

आदी ११९२ मेरेन पृथ्वीराज राज्य करतालो. पृथ्वीराज ौहान राजा. अशीय अेक म्हणणी आसा कि कुतुब मिनार बांदला. आपले धुवेक हुस्क्यामेकळी यमनान्हंयची प्रार्थना करूंक मेळची म्हणून ताणे कुतुब मिनार बांदलो अशेंय ण कुतुब मिनारच्या बांदकामाचेर इस्लामी बांदावळीचो ता. कुतुब मिनारचेर मेळील्ल्या कांय देवनागरी शीलालेखावयल्यान मात ताचे बांदकाम हिंदू कारागीरांनी चे दिसून येता.

मिनारचेर सांपडील्ल्या कांय देवनागरी आनी पर्शियन यल्यान अशें दिसून येता कि इतिहासांत दोन फावट ाचे लुकसाण जालां.

पयलेफावट १३२६ त महम्मद तुघलकाच्या राजवटींत तर १३६८ त फिरुन तुघलकाच्या राजवटींत, दोनूय फावट वीज पडून नुकसान जाले. पयली कुतुबमिनाराक चारूच माळे आसले. पुण १३६८ त चवथो माळो सामकोच अुध्वस्त जाल्ल्यान तेवेळार राज्य करपी फिरज तुघलकान ताच्या बदला दोन नवे माळे बांदले.

कुतुब मिनार आमी चित्रान पळयतात तसो अेकलो अेकसुरो अुबो ना. ताचेभोंवतणी मशीद, मुकबरे म्हळचार यादस्तिकां हांची खातड आसा. हांगा आनीकूय अेक मिनार आसा– अला-इ-मिनार.

हो मिनार कुतुबमिनारच्या अुत्तरेक आसा. अल्लाअुद्दीन खिलजीन तो बांदपाक घेतिल्लो. पुण अेक माळो पुराय जाता म्हणसर तो जग सोडून अल्लाचे भेटेक गेलो. हो मिनार पुराय जाल्लो जाल्यार कुतुब मिनारच्या दोबराद् जातलो आसलो.

हांगा कांय कुडी आनी सालां आसात, अशें समजतात कि ते अल्लाअुद्दीनचे यादस्तिक. अल्लाअुद्दीनान हांगाच इस्लाम धर्म आनी स्थापत्यशास्त्राचे शिक्षण दिवपी म्हाविद्यालय अुगडलेले. या इमारतीच्या दक्षिण विभागांत आशिल्ली मदली कुड ताचे यादस्तिक अशें मानतात.

हांगा श्यामसुद्दीन इल्तुत्मीश या कुतुब-अुद्दीना अुपरांत दिल्लीचेर वर्चस्व गाजोवपी राजाचेय यादस्तिक आसा. आनी मजा म्हळचार मरचेपयली अेक वर्सभर आपले ह्यातीतुच ताणे हे याद-स्तिक बांदून घेतले.

हांगा अेक सोळाशे वर्सांपयलीचो ' लोखंडी खांब ' आसा. हाका मुसलमान लोक खूप भजतात, खांबाक फाट तेकोवन फाटले-वटेन दोनूय हात अेकमेकांत गुंथत जाल्यार तो भाग्यवान मनीस अशें समजतात. देखून खांब्याभोंवतणी गर्दी पडलेली आसता.

पुण हांगासर आशिल्लो हो लोखंडी खांब चवथ्या शेंकड्यातलो ताचेर आशिल्ल्या गुप्ता लिपींतल्या संस्कृत बरपावळीवयल्यान ताचो इतिहास अुक्तो जाता. हो खांब विष्णूंध्वज म्हण तयार केल्लो. ताच्या माथ्यार आशिल्ल्या खोल बुराकावयल्यान असोय अदमास आसा कि ताचेर विष्णूचे वाहन गरूड आशिल्लो जावंक जाय. ताची लांबी ७.२० मि. आसून ९३ से. मी. खांब जमनीत पुरता.

कुतुब मिनाराखातीर दिल्लो वेळ सोंपलो. आमी बेगीनबेगीन बसीकडेन आयले आनी बस फुडल्या वाटेक लागली.

मागीर बिर्ला मंदीर. अुद्योगपती बिर्लान बांदला म्हणून बिर्ला मंदीर, देवूळ लक्ष्मीनारायणाचे पूण वळखतात बिर्ला मंदीर म्हणून. फाटीं नाशकाक गेल्लो तेन्ना अशेंच ' बिटको ' चें मुक्तीधाम पळयल्लें. भितर आशिल्ल्या देवांक अस्तित्व ना. जाणे बांदला ताचीच मिरास मिरोवपी हीं देवळां. नवी नवी देवळां बांदून कुडी अंधस्रदधा आयच्या विसाव्या शतकांतूय जागोवपी या उद्योगपतींची काकळूट दिसता. इन्कम्टॅक्साक फटोवन जमयिल्लो पैसो कुचकुचताच आसत आत्यार निदान, शिक्षण, वैजकीसारख्या समाजाक अुपयुक्त अश्या कामांनी तरी ओतचो.

हे मंदीर १९३२ त बांदूक घेतिल्ले तें १९३९ त बांदून जालें.

मागीर बसींतल्यानूच, राष्ट्रपती भवन, संसद भवन, जंतर मंतर जार्दीन पळयले. या जार्दीनांत दीस आनी रातीचो वेळ समजता. तेभायर सुर्य आनी चंद्राचे गिराणूय समजता. हे जार्दीन जयपूरचे महाराजा जयसिंग हांणी १७२४ त बांदूक घेतलें आनी तें १७२९ त पुराय जाले. हांगा संवसारातल्या अेकूण पांच देशांतलो वेळ समजता.

वाटेक कितल्योश्यो सरकारी कचेर्‍यो पूण तोखणाय करीसारक्यो. रस्त्याच्या दोनूय वटांनी अेकेच तरेच्यो, अेकाच मोदेलीच्यो समसमान इमारती. अेकेवटेन कृषीभवन तर दुसरेवटेन अुद्योगभवन. अेकेवटचां दूरदर्शन तर दुसरेवटचां योजना भवन. खर्‍यांनीच दिल्ली राजधानी म्हणून सोबता.

दनपरां कस्तुरबा गांधी मार्गावयल्या 'बंजारा' हॉटेलांत जेवले. नाल्लाविरयत जेवण घडये पचत न पचत म्हण हांवे आम्लेट घेतली. आनी तीन पुलाव घेवन ताचे पांच वांटे केले. आम्लेट तुपान लबलबताली.

जेवल्याअुपरांत थोडो विसव घेतलो आनी परतून बस वाटेक लागली. आनी टिळकमार्गान पोन्ने दिल्लींत प्रवेश केलो. वाटेक इंद्रप्रस्थ स्टेडीयम लागलो. फाटीं अेशियाडवेळार सगळ्याभर गाजतालो तोच हो स्टेडीयम. या स्टेडीयमांत ४०,००० लोकांची बसपाची व्यवस्था आसा. मुखार गांधी स्मारक संग्रहालय मेळ्ळें. हांगासर हांवे गांधीजींची आत्मकथा घेतली.

या संग्रहालयांत गांधीजींच्यो जायत्यो वस्तू सांबाळून दवल्ल्यात. तांचे वस्त्र, बडी, पादूका, फोटो, आयदनां ह्यो वस्तू तर आसातूच तेभायर प्रार्थना म्हणटा आसतना नथुराम गोडसेन तांचेर माल्लेल्या तीन गुळयांमदली अेक गुळी आनी तांचे रक्तान बरबटलेले कपडेय आसात.

बस महात्मा गांधी मार्गार भितर सल्ली. आनी अेके लायनीत तीन व्हड मनशांची स्मारकां पळोवंक मेळ्ळी. गांधीजींची समाधी–राजघाट, नेहरूचे स्मारक शांतीवन, थंय कुशीक संजय गांधीची समाधी आनी मुखार विजयघाट, लाल बहादुर शास्त्रींची समाधी. म्हाका सगळ्यांत सादी सुदी समाधी विजयघाट चड मानवली.

सगळ्या समाधींचें दर्शन घेवन जातकीर बस साडेचारांक सुमार लाल किल्ल्याकडे पावली. वाटसुर्‍यान किल्लो पळोवपाक अेक वर दिले.

शाहजहानान १६३८ त आपली राजधानी आग्र्याकसून दिल्लीक हालयली आनी १६ अेप्रिल १६३९ त ताणे लाल किल्ल्याची बुनयाद घाली. णव वर्सांअुपरांत १६४८ वर्सा लाल किल्लो बांदून पुराय जालो.

लाल किल्ल्याक चडसो सगळो तांबडो फातर बसयला. देखून लाल किल्लो हे नांव ताका सोबून दिसता. किल्ल्यांत भितर सरपाक दोन दरवंटे. अेक 'लाहोरी गेट' आनी दुसरो 'दिल्ली गेट.'

आमी लाहोरी गेटींतल्यान भितर सल्ले. हरशीं हांगाची अैतिहासिक थळां पळोवपाक तिकिट आसता. पुण आयज शुक्रार. शुक्रारची तिकीट ना. भितर सरतना पयलीं 'नौबत' म्हळ्यार नगारखाना लागता.

मुखार 'दिवान–अे–आम.' म्हळ्यार लोकां आयकुपाक राजा बसता ती सदर आनी महाल. वाटेक दुकानां आसात.

मागीर लागता 'रंगमहाल'. हाका शीशमहा वळखतात. हांगा वण्टीक आनी वयल्या तेर्रासाक बा हारशांचे कुडके दसयल्यात. हांगा कारंजेय आसात.

ताचेफुडे 'खास महाल.' हांतूत तीन विभाग राजाचो खास महाल. तसबीह खाना म्हण्टात. तांतूत करपाक बसतालो. ताचेफाटल्यान तीन कुडी आसात त्यो आनी दक्षिणेक अेक व्हडलें साल आसा ताका तोश खान बैठक म्हणून वळखतात.

भितर आनी अेक दरबार आसा. पूण हो दरबार सरदार आनी मंत्र्यांपुरतो. दिवान–अे–आम लोकांखा दिवान–अे–खास कांय खास दरबारी लोकांपुरतो. सिंहासनाक मयुर सिंहासन म्हणून वळखतात. पूण हि भरील्ले हे मयूर सिंहासन १७३९ त नादीरशाहान पर्शिय कडयलें.

हांगासर 'हमाम' म्हळ्यार मान्नेंय आसा. या वैभव. सतराव्या अठराव्या शेंकड्यातली ही बांदकामां आनीक शेंकड्यानी वरसां तिगतली. मजा म्हळ्यार कितें जाय ताची सगळी सोय भितर. थंडेच्या दिस राजमहालाच्या वण्टीनी हून अुदक खेळटालें तर गीमान लोकांक नाडून जरी ताणी हें वैभव भोगलें तरी तांच्य शास्त्रविषयक आवडीची तुस्त केल्लेबगर रावूं नजो.

लाल किल्ल्यांत सांजेच्या स वरांचेर 'लायट अॅ हो कार्यक्रम जाता. हो कार्यक्रम भारतीय सेनादल घडो पुण रात जातली म्हण आमी रावले नात.

लाल किल्ल्या सामकारूच चांदनी चौक. हो बाज पासय मारून आयले. पळय जाल्यार इलेक्ट्रीकल खातड. रामान पंचवीस रुपयांक अेक फेर्र आना अेक वण्टीचे घड्याळ घेतलें.

वचपाखातीर ऑटो पळोवपाक गेले. पळय जाल्या रूपया सांगता. सकाळी येतना बसीचे नंबर हाडलेले. वचूया. परत लाल किल्ल्याकडे आयले आनी ५०२ धल्ली.

बसींत कंडक्टर फाटल्या सीटार बसून रावता. वचून तिकीट काडप. लाल किल्ल्यापासून सफदरजंग चाळीस पैशे. म्हणजे २० रूपयाच्या रीक्षाबदला फक्त दो हांगा रीक्षाय तरांतरांच्यो. सायकलरिक्षा म्हणजे मन मारून चलयता ती. गोंयचे सारकी रीक्षा आनी बुलेटऑ फुडल्यान मोटार–सायकल आनी फाटल्यान रिक्षा. हांतूत पॅसेंजरांक बसयतात धा/बारा सहज.

बसींत पयलेचफावट देखून स्टॉप येतकूच कळटले होत्र दुबाव. देखन कुशीच्या मनश्याक सांगले. ताणे

…गले. हांव बाकीच्यांक सांगता आनी गर्देतल्यान …दारान पावता म्हणीसर दोन स्टॉप गेले. देंव …ठार अनवळखी. वांगडा रमेशभाई ना, रावूय …चाल्लें 'गोवा सदन किधर से जाने का ?'
…गोवा सदन म्हणून आयकूंकूच ना.

…सावन वचपी अेक ट्रॅफीक पुलीसाच्या बुलेटीक हात …मी सविस्तर सांगले. तेबराबर ताणें चार पांच …दि आनी तो गेलो. आतां बशींची भिरांतूच दिसूंक …शेवट रिक्षाक हात केलो. तर ताकाय खबर ना. …धावोद्रसे करून ताका सांगले, 'पृथ्वीराज रोड

…ची नांवा वाचूनवाचून पाठ जाल्लीं तांतुतलेच हें …ह्या पोंतांकसून त्या पोंतारमेरेन रिक्षा धुंवडायली …ना. शेवट बील वाडटा म्हणून देंवले. म्हारग म्हणून …रीक्षा केली ना ताचे फळ भोगले.

…भोंवले पुण ना. इतल्यान सायकल घेवन वचपी …मीस आमची गोंदळलेली अवस्था पळोवन आमका …ा,

…जाना है ? '

…दन '

…ब्याचे का ? मी महाराष्ट्रीयन आहे. या पाठी- …चला. तुम्ही नेमके गोवा सदनच्या पाठीमागे येर- …ात.' आनी तो सायकल घेवन गेलो. फाटल्या …यार रोखडेंच गोवा सदन. रमेशभाई बी आयले पुण …गले ना.

…घेतली. पाय मात्शे दुखतात. जेवंकूय चलले ना …दनांतले जेवण बरे लागले ना. जेवीनच दिसना …तेलावयलो.

…९८४

…' तली आम्लेट काय रातचो तेलावयलो रोस माल …पुण रातभर धा बारा फावटी तरी संडासांत वचून …वळटा, हात, पाय, तकली फोडटा. जोर आयला, …लो. परसाकडे बसलो काय पोटांतल्यो सगळ्यो …गुळु करून देंवता काय दिसता. येतना हाडलेल्या …ळ्यांतलो अेकूच गुळी उल्ल्या.

…९८४

…म्हजो वाढदीस. तांतुत आयतार पूण कालच्यान …सलेल्यान आयजूय उपास करचो पडटलो. काल …लिम्काचेर काडलो. रातीं जोर बरोच वाडलो. पुण …शशीबायन रातभर माथ्याक तेल घाल, लिंबू सारय …आसलेली नासलेलीं वखदां केली. रातीं म्हज्या …सारकीं न्हीदूंक नात. तशें पळोवंक गेल्यार कोण कोणाचे कोण ! जल्मभर म्हजे यादीचे गांठीक ही याद उरतली. रातीं ताणेच कितलेश्या पयस वचून म्हजेखातीर आपोलां आनी संत्रां हाडलीं.

सांज जातासर मात मात बरें दिसपाक लागलें. गोवा सदनाच्या सामकार लोदी जार्दीन. हो सगळो वाठार राजेशाही.

लोदी जार्दीन अेकादचा ल्हानश्या गांवाइतले आयस- पयस पातळ्ळां. हांगाय जायतीं यादस्तिकां आसात. तांतुत सिकंदर लोदी आनी महम्मद शाहाची यादस्तिकां आसात. जार्दीनीत वता म्हण सांगीनाफुडे 'गोवा सदन' च्या वेटरान आमका काळोख पडचेआदी येयात म्हण शिटकावणी दिली. हांगाच म्हयन्याभरापयली रतिक्रीडा करपी अेका जोडप्याचो खून जाल्लो.

रातीकडे जेवणाची वान्सा जाली ना पूण उपाशी पोटार न्हीद-ल्यार आनीक कसलेंय दुयेंस चाळवत म्हण पावाच्यो दोन स्लायस् खावन न्हीदलो.

२६ मार्च १९८४

आयज थोडी खरेदी केली. फाल्यांच्यो आग्रा वचपाच्यो तिकेटी बुक केल्या.

आग्रा – ताजमहाल २७ मार्च १९८४

रातीं रातभर दोळ्याक दोळो लागलो ना. तसो हांवें ताजमहाल चित्रांनी, फोटवांनी आनी सिनेमान पळयला. पूण खरेलो ताजमहाल आनी ताजमहालाची चित्रां हांतूत जायतो फरक आसतलो हांतून दुबाव ना. देखून हरशी साडेस, सातमेरेन सकाळीं जागो ना जावपी हांव आयज पांच वरांचेर हांतरूणावयल्यान उठलो. सगळ्यो क्रिया करता म्हणीसर पावणेस जाली. गरजेक जाय तितले पैशे काडून बॅग आरमारींत दवल्लें आनी च्या पिवपाखातीर वयर कॅंटीनांत गेलो. पळय जाल्यार कॅंटीन बंद. देखून परतो सकयल आयलो आनी 'गोवा सदन' च्या रिसेप्शनीश्टाक विचाल्ले. ताणें सांगले, कॅंटीन साडेसंक उक्ते जातले म्हण, मनांत म्हळे, आयज च्या बेगीन पियेवंक मेळना कारण 'गोवा सदन' चो वाठार अेकदम राजेशाही. हांगा खंयूच हॉटेल दिसना. हॉटेलूच कित्याक सकाळीं उठून पासयेक वचशी जाल्यार रस्त्यार झडलेलें अेक पान दिसना. इतलो हो वाठार लिप्प.

त्यामानान पोन्नी दिल्ली सामकी हळशीकावणी. ल्हान ल्हान गल्ल्यो आनी पडकीमोडकी घरां. मदसूनच रेबें, खांतोड, रस्त्यार-सुद्धा गर्दी. रस्ते तर सामकेच अरुंद. काल आमी 'करोलबाग' हांगासर अेकटयागेर गेल्ले. थंयची वस्ती पळोवन जीव विटलो. पोन्नी दिल्ली पळोवन दिसलें तेपरस मुंबय परवडली.

त्यामानान नवी दिल्ली कितलीच सोबित, सुंदर. जणूकितें अेकेवटेन सरूपसुंदर सीता आनी दुसरेवटेन विद्रुप शुर्पणखा.

नवी दिल्लीतले रस्ते तर दृश्ट लागइतले चकचकीत. आनी लोयटी... वा ! अेके हारीन मर्दी खंयूच खंड पडनास्तना पेटपी ते वीजेचे बल्ब आनी तशे ते सदासर्वकाळ सांबाळपी थंयचे वीजखाते

अप्रूपाचेच.' हाचेअुरफाटे पोन्ने दिल्लींत. खंयतरी अफाट समुद्रांत अेकूच अेक काजुलो लिकलिकचो तेपरी हांगाचे दिवे.

नवी दिल्ली अुबारतना रस्त्याच्या दोंयवटांनी रोयिल्ली झाडांलेगीत तितलींच तोखणायेची. खऱ्यांनीच राजधानी म्हणून नवी दिल्ली यथार्थ रूपान सोबता.

साडेसातांच्या अदमासाक बस आयली. आनी आमी बशींत बसले. आयज हांगा म्हजो अेक इष्ट मेळ्ळो. तोवूय आमचे वांगडा आयलो. मुळगांवचो अुदय फडके.

दोन/तीन हाँटेलांतल्या लोकांक पुंजायत आठांक बस मथुरा रस्त्याचे वाटेक लागली.

वाटेर चापाणी करून बस परती वाटेक लागली आनी बद्द बाराच्या अदमासाक आमी आग्रा शारांत प्रवेश केलो.

आग्र्यांत वाटभर अैतिहासिक अवशेष मेळत रावतात. पयलें ठाणे आग्र्याचो किल्लो. किल्ल्याक अेकूण चार दरवंटे—दिल्ली गेट, अमरसिंग गेट, वॉटर गेट आनी दर्शनी दरवाजा.

तांतले दोन आतां सासणाचे बंद केल्यात. दिल्ली गेट हो किल्ल्याचो मुखेल दरवंटो. हो दरवंटो जामा मशीदीक फुडो करून आसा. मोंगलाच्या तेंपार हाच्या पयल्या माळयार नगारखाना आसलो. सदयाक हो दरवंटो लोकांखातीर बंद आसा पूण सेनादळा-खातीर हो दरवंटो वापरतात. किल्ल्याचो अर्दो भाग सदया भारतीय सेनादळान व्यापला.

दुसरो दरवंटो 'अमरसिंग गेट.' हो भोंबडेकारांखा आसा. हो दरवंटो शाहजहानान जोधपूरचो महाराज राठोर हाचे यादीक बांदील्लो.

वॉटर गेट हो दरवंटो यमुना न्हंयक फुडो करून आ लांच्या तेंपार हो दरवंटो राजघराण्यातल्या बायलांक यमु स्नान करूंक वचपाक वापरताले. तो आता बंद आसा.

दर्शनी दरवाजा हांगा राजा सुर्याची प्रार्थना करत पडल्यारलेगीत हे प्रार्थनेंत खंड पडनासलो. अुपरांत जेन्ना आपलो बापूय शाहजहान हाका किल्ल्यांत बं तेन्नासावन हो दरवंटो ताणे बंद केलो.

हो किल्लो बादशहा अकबरान बांदला. १५६५ सुरवात केल्लो हो किल्लो १५७३ त पुराय जालो. त्यावेळ बांदावळीक ३५ लाख रु. खर्च आयिल्लो.

अमरसिंग दरवंटयातल्यान भितर सरतना जहां लागता. या महालाभायर व्हडलें जार्दीन आसा. तांतुत अखंड फातराचे कोरांतिल्ले भांड आसा. हाची अुंची घेर २५ फुट आसा. अशें म्हण्टात की महाभारतांतल्य भीमाखातीर भांग तयार करपाक ताचो अुपेग जातालो.

१६११ वर्सा जहाँगीरात ते सारके करून घेतले वर्सा जहाँगीर नुरजहाँकडे लग्न जालो आनी ताणे हे भांड भेट दिलें. या भांडाक जहाँगिरी हौज म्हण वळखतात.

गिर महालाच्या दक्षिणपूर्वेक अकबरी महाल आसा. तर शाहजहांनी महाल आसा हाकाच रंगमहाल म्हणूनय हांतुतली मदली कुड बादशहाचे शयनगृह.

मुखार खास महाल. हांतुत शाहजहान आनी जहाँन हांचो राबितो आसतालो. खास महालाच्या सामकार आसा.

स महालाच्या सकयल जमनीभितर तयखाना आसा. या च अेक काळखाची कुडूय आसा. हांगा पयलीं राजदर- अपराधी लोकांक गुपाट काळखाची ख्यास्त दिताले; तर ते निमणें. गुन्यांवाची ख्यास्त दितना बायल दादलो ाव नासतालो.

स महालापसून थोडचा अंतराचेर आसा शीश महाल. हल १६३२ वर्सा शाहजहानान बांदलो. वण्टीक आनी आरश्याचे तराकतरां कुडके दसोवन केल्ले नक्षीकाम रकें. हो शीश महाल राजघराण्यातल्या लोकांक न्हावपा- ांदील्लो.

मनी बुरूज तर दृष्ट लागसारको. हाका वयर अेक घुमटी पयली जहाँगीरान नुरजहाँच्या मोगाखातीर बांदील्लो. शाहजहानची बायल मुमताज महल हिणेय तो वापल्लो. मनी बुरूजांत औरंगजेबान शाहजहानाक बंदिस्त केल्लो. न संवसारातलो सर्ग ताजमहाल पळोवण्यासारको. शाहज- रायेच्या निमण्या वर्सानी बंदिस्त आसतना आरीचें दुखणे का अुठूंक बसूंक येना जाले. बायल मुमताज महल तर सोडून गेल्ली. ताची व्हडली धूव जहाँन आरा बेगम ताची ताली. पूण ताका आपले बलायकेपरस ताजमहाल चड प्रिय ताका तो सदासर्वकाल आपल्या दोळ्यांसामकार दिसचो ताले देखून ताचे धुवेन सम्मनी बुरुजांत अष्टकोनी आरशे जाचेवरवीं शाहजहानान कुडींत खंयूय नदर भोंवडायलीं माण्या खीणामेरेन ताजमहाल ताचे नदरेक पडत रावलो.

२ जानेवारी १६६६ वर्सा शाहजहान कूड सोडून गेलो. ळार आपणे ताजमहालांत मरचो अशे ताका दिसताले. वस्था ताचे धुवेन केली. आग्र्याच्या किल्ल्यातसून भुंयार णे ताची कुड ताजमहालाकडे यमूना न्हंयच्या तोरार वयर आनी शाहजहान ताजमहालांत सासणाखातीर न्हीदलो अशें पुण अितिहास हो शेवट अितिहासूच. हांगा सगळयोच ख्यो धरून चलपाचे न्हय. हाचे प्रत्यंतर ताजमहाल पळयत- ें.

नपरां आग्रा शारांतल्या अेका बऱ्या हॉटेलासामकार जेवपाक केली. आमी खास या वाठारांतले जेवण जेवपाखातीर दपाक भायर सल्ले. ढाबा म्हळ्यार खास पंजाबी गांवठी ी. पळोवपाक बुरश्यो पुण खाण रूचीक आनी ताजें. मायरूच अेक पंजाबी जाड जाड परोठे भाजूंक बशिल्लो. लूमटर आनी परोठे मागयले. नाल्लाविरयत बटाट आनी चणे घाल्लो तो मसाल्याचो तांबडोभडंग रोस आनी निकतेच तव्या- वयल्यान दैंविल्ले परोठे भुकेर बरे गेले. जेवतकीर लस्सी घेतली. आमी गोंयात मातयेचे गांवठी बाँब फोडीनात तसल्या मातयेच्या वेंतभर पेल्यांनी थंडशितळ मलईची लस्सी. सरासर दोन आयदनां घेतली. लस्सी पियेवंची आनी आयदनां भायर अुडोवंची.

भायर हातगाडयार संत्रां आनी द्राक्षां आसलीं. संत्रां दोन रुपया किल. किलाक सात ते आठ संत्रां. संत्रां घेतलीं.

दनपारच्या अडेज वरांचेर धर्तरेवयलो सर्ग ताजमहाल पळोवंक परत बशीन बसले आनी ... पावले. पूण ना. ताजमहाल हांगासावन बरो भितर. चलत वच्चे पडटा. भितर वचपाक रिक्षाय आसात. भायर खूप दुकानां. त्या दुकानांकडे पावतकीर वाटसुऱ्यान (Guide) म्हळें,

' आता आमी ताजमहाल पळोवंक वतात. पुण तुमकां ताजमहाल कितलोय आवडलो तरी आपले मोगिकेक असोच ताजमहाल बांदून दिवपाचे अुतर दिवं नाकात. तें अेकट्या शाहजहानाकूच शक्य आसलें. तुमकां आमकां सदच्या जेवणाक तांदुळ विकते घेवपाची पंचाईत ! तेन्ना इत्साच आसत जाल्यार या दुकानांतलो धा पंदरा रूपयांचो ल्हानसो ताजमहाल विकतो घेयात आनी तुमचे मोगिकेक दियात.

खऱ्यांनीच तोखणाय दिसली म्हाका वाटसुऱ्याची.

अेका फोटोग्राफराकडे बस सुटचेपयलीं फिल्म धुवन दिवपाचो काँत्राद करून ताचेवांगडा आमी चलूंक लागले.

ताजमहालाच्या भायलेवटेन जायत्यो पळोवण्या सारक्यो इमारती – ताज गेट.

हांगासर भितर सरतना तिकीट काडची पडटा. तिकीट काडून आमी ताज गेटींत पावल मात दवल्लां–

वा ...

तो खीण अुतरावपाक म्हजेलागी अुतरां नात. अजून दोळ्यासामकार तोच तोच खीण येता. थंयसावन हालनूच दिसना जाले. फाटल्या अथांग अश्या मळबाच्या पृष्ठभागार धवोफुल्ल ताजमहाल. आरे, सर्ग सर्ग म्हण्टात तो होच. सर्ग आतां दोन बोटांर

मागीर ताजमहालासामकार आशिल्ल्या लांबचे– लांब जार्दीनाचेर नदरूच थिरावना जाली. थंय बसून फोटो काडीनूच दिसना जाले. केन्ना अेकदां ताजमहलाचे वेंगेत रिगता काय जावंक लागले.

गेटींतल्यान भितर सरतकीर पयलीं ताज गार्डन लागता. चार वर्सांपयली हांवे औरंगाबाद हांगासर 'ताजमहल' ची प्रकृती ' बिबिका मुकबरा ' पळयिल्लो. ताकाय अशेंच गार्डन केल्लें. पूण प्रतिकृतींत आनी खरेल्या ताजमहालांत खूब फरक. बिबिका मुकबरा असो मनाक भावलोच ना. ताजमहालान काळीज हालयलें. काळजांतले ठेके वाजयले. सर्वांगार संतोसाची ल्हारां फुलयली.

ताजमहल कोणे बांदलो हाचेविशी जायते मतभेद आसात. पूण

सर्वसादारणपणान ताजमहाल शाहजानान आपली बायल मुमताज महल हिचे यादीक बांदला अशे समजतात. देखून ताजमहालाक प्रेम-मंदिर म्हण वळखतात. जाणी ताजमहाल अुबो केलो त्या कलाकारांची नावांसुध्धा अशींच कोणूच सारके सांगूक नकळो.

ताजमहाल दोन माचयांचेर अुबो आसा. बुनयादीची माची तांबड्या फातराची आनी साडेचार फुट अुंच. तर ताचेवयली दुसरी माची धव्या फातराची अठरा फुट अुंच. ताजमहालच्या जार्दीनांतल्या येतना दोनूय वटांनी पासयो मदीं कारंजे आनी पासयेच्या दोनूय वटांनी हारीन अुबी झाडां.

ताजमहाल माचयेर अुबो आसा. ताच्या चारूय वटांनी चार खांब आसात. हे माचयेर चडपाखातीर दाव्यान आनी अुजव्यान दोनूय वटांनी २२ सोपणां आतात. पुराय ताजमहाल धव्या संगमरवरी फातराचो. पूण ताज गेटींतल्यान दिसपी अप्रूप धंवो रंग लागीं पावता तसो लोळको जाता. सगळ्या फातरांचेर कोरीव काम केलां. तशेंच कुराणातले कांय पवित्र अुतारेय अुतारल्यात.

ताजमहल जमनीपसून २४३ फुट अुंच आसा तर यमुना न्हयच्या अुदकाथरापासून २७० फुट अुंच आसा.

माचयेर चडनाबरोबर फुडल्या मुखेल दारातल्यान आमी भितर सल्ले. भितर संगमरवरी फातराच्या कोरांतून केल्ल्या आंते-पाराभितर दोन थडीं आसात. थंय धूप आनी अुजवातीचो दर्प भरुन रावला. थंय आशिल्ल्या मौलवीन ती थडीं शाहजहान आनी मुमताज महल हांची म्हण सांगली. लोकांनी भावार्थान थंय दवल्लेल्या थाळयान पांच/धा रुपया वडयले. म्हाका अुडयन दिसले ना.

ताजमहाल म्हळचार कोणा मौलवींचे संसार थाटपाक अुबा-रल्लेली पैशांची पेटी न्हय. आपले अुपाट सौंदर्य समेस्ताक भेटयतना ताजमहालाच्या अंतरंगातलो हो गुपाट काळोख पळोवन मन कळ-वळ्ळें. भितरूच कित्याक ?

ताजमहाला ! तुज्या दोळचासामकार आमी जंय जोतीं काडलीं थंय लेगीत जोत्याक चार आणे हो धंदो.

पुण कितेय जावं. ताजमहाल पळोवंक येवपी भोंवडेकार ताजमहालचेर इतले खूश आसतात कि असल्या किरकोळ गजालींचेर लक्ष दिवपाक तांका वेळ ना.

असलीच कित्याक ? हाचेपरसूय अजापाची गजाल घडून लेगीत ते मोनेच अुरतात.

वयलीं थडीं पळोवन जातकीर आमी थंयूच आसलेल्या पाज्जेन सकयल भितर देंवलें. ज्युस्त वयर आशिल्ल्या थड्यापोंदा सकयलूय दोन थडीं. तोच कापूर, धूप अुजवातीची दर्पटाण. तशेच मौलवी, तशेच थाळे, तशेच पैशे अुडोवपी भोंवडेकार. बाकीचे मोन्यानी वतात. म्हज्यान रावूं नजो जालें. हांवे अेका मौलवीक विचाल्लें,

‘ बाबा रे, हिं थडी कोणाची ? ’

‘ मुमताज महल और जहाँपन्हाँ शाहजहाँ की. ’

‘ आनी वयलीं कोणाची ? ’

‘ मुमताज महल और जहाँपन्हाँ शाहजहाँ की. ’

आतां बऱ्याच लोकांचे लक्ष म्हज्या प्रश्नोत्तरी आनी कितेंतरी गोंदळ आसा म्हण तांच्याय नदरेक आयले

हांवे परतें विचाल्ले, ‘ वयर आनी सकयल अेकटयाचीच थडीं कशीं ? तांका पुरल्यां तरी खंय ? ’

ते अुतराक ताणे म्हळें, ‘ ये नीचेवाला असली अुपरवाला नकली है ’

‘ हाँ जी. लेकीन क्यों ??’

‘ ये अुपरवाला मकबरा नही बनाते ना तो अ चलते और आपके पाँव के नीचे ये मकबरे आ जाते.’

खरें फट ताजमहालाकूच खबर. पूण त्या मौलवीचे सामकेच भायर अुडोवपाचे न्हय. आनी अेका गजालीचो लागलो ना. ताजमहाल बांदलो शाहजहान राजान म्हळ मुसलमान राजान. पूण ताजमहालाची जी मुखेल घुमटी अ तिचेर जो कळस आसा तो हिंदू पद्धतीचो. हो कळस म्हळ कलश. आनी या कलशांत नाल्ल आनी आंब्याची पानां लागींच्यान पळोवंचे सारकें दिसता.

कितेंय जावं. कोणेय, कसोय, खंयच्याय हेतान ताजम संवसार ताच्या रीणांत अुल्लो.

ताज गेटींतल्यान ताजमहालचे निमणें दर्शन घेतलें आयले. फोटोग्राफर आमची वाट पळेतालो. धुल्लें र ताचे पैशे फारीक केले.

बस फतेहपूर सिक्रीचे वाटेक लागली. फतेहपूर सि पसून २३ मैलांचेर. जसजशे लागीं पावूंक आगले तशे अु तल्या दोंगराचेर कितलेशें मोर दिश्टी पडपाक लागले. क भिऱ्यांनीच. मदींच अेकाद्रो पांखाटो फुलीवन.

फतेहपूर सिक्रीचो मुखेल दरवंटो बुलंद दरवाजा. मनशाक लेगीत अेका दमान चडपाक खरस काडपी.

भितर पयलोच लागता तो नौबतखाना. मागीर दि आम, दिवान–अे–खास, खास महाल हे हेर किल्ल्यानी आनी राजाच्या ऐशआरामात गरजेचे घटक हांगाय आस भोंवपाक चड वेळ मेळ्ळोच ना. वयर पावता म्हणीस बसीन हॉर्न वाजोवंक सुरवात केली. हांगाच्यान वयर शाराची सुंदरकाय मात जरूर नियाळची.

बुलंद गेट, जी चडटना खरस मारता ती जमनीप फुट अुंच आसा.

फतेहपूर सिक्रीसून बस सुटली तेन्ना ६.१५ जाल्ली. मथुरेच्या वाटेक लागली.

तीच मथुरा जंय देवकीन कंसाच्या बंदखणीन कृ दिलो तीच.

च्या पावणेवाठांक आमी मथुरेक पावले. पूण आमच्या मथुरा नासली. हांचे भाग्वद्मंदीर पळोवपासारके पुण ले तेन्ना थंय लायट गेल्ली. भायर दुकानांची जात्रां. थंय दिवे आसले. पुण मंदिर पळोवंक पावले ना. कोणेतरी मनशान वसुदेव आनी देवकीक बंदिस्त केल्ली काळखाकुड कुड दाखयली. आसतूय बी.

काळखाक पळोवन आनीक थंय भोंवन दिसना जालें. यले आनी बरें कडकडीत दुद घेतलें. हांगा बरें दाट दाट अेका ग्लासाक अेक रूपया.

ल्लीकूय दूद बरें मेळटा. तेभायर दिल्लीक संत्रांचो आनी रोसूय बरो, ताजो आनी सवाय मेळटा.

डेणवांक सुमार मथुरेकसून भायर सल्ले. वाटेक अकरांक न् छोले आनी परोठे घेतले. आनी ताणून दिले.

च्या पाअुण अेकाक बसीन 'गोवा सदनां'त हाडून सोडले स बरो गेलो. हि इतली व्हडली भोंवडी खरी पुण बशीचें क्त पंचेचाळीस रूपया.

तां रातची दोन वरां जाल्यां. फाल्यां सकाळीं जनता जयंती व, रमेशभाई, शशीबाय आनी रावबाब तिरूपती वचूंक तले. आयची रात दिल्लींत निमाणी–निदान हे भोंवडेपुरती.

जयंती – २८ मार्च १९८४

काळी अुठून न्हावनधुवन च्या घेतली, 'गोवा सदन'चे तीक केलें आनी आमी हजरत निझाम अुद्दीन स्टेशनार र सल्ले. आमी पावले तेन्ना स्टेशनार गाडी तयार ज्युस्त ९.२० क गाडी सुटली आनी तिरूपतीचे वेध

टेक आग्रा, भोपाळ, झाँसी, इटारसी स्टेशनां वळखीचीशीं च वाटेन गेल्ले आमी.

गीर गाडयेन मार्ग बदल्लो.

– २९ मार्च १९८४

चोय दीसभर गाडयेंतूच. गाडी चलत आसा. त्यान आमी इल्ले इल्ले सकयल येत आसात. अुत्तर प्रदेश, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्राच्यो शीमो हुंपीत गाडी आंध्र न धांवत आसा. हे गाडयेंतले खाण वेगळें. इडली मा, कॉफी बी. सांजे बऱ्या अुसरां रेणिगुंटा पावतले.

– ३० मार्च १९८४

साडे अकरांक रेणिगुंटा स्टेशनार पावले. मागीर थंयुच त न्हिदले. न्हीदचेपयली अेका कुलीप बुक केलो. सकाळीं तिरूपतीक वचूंक भायर सल्ले.

साडेचारांक अुठून स्टेशनाभायर यो जाल्यार घे म्हणून गर्दी. पूण आमचो कुली बरोच हुशार. तांतुक सिस्टा राव तुवीच. तेलगु भास ताचेकडे अुलयतालो म्हण्टकर चडूच लागीचो जालो. ताणे आमकां फाटल्यान खंयच्या तरी गल्लेन व्हरून पयलींच बसीन बसयले. आमकां बसूंक मेळ्ळें.

तिरूपती हो गांव सकयल. ल्हानशें शार कशें. हांगासावन वेंकटपती चे देअूळ बरें पयस. तिरूमल्लाई दोंगरार. तिरूपतीकसून तिरूमल्ला ७ मैल अंतराचेर. वयर वतना वळणांवळणांचो रस्तो.

या रस्त्याक ६४ वळणां आसात. १९४४ सालांत हो रस्तो बांदला. पयलीं हो अेकूच रस्तो आसलो. अाता हांगासर वयर वचूंक अेक आनी सकयल दुसरो अशे दोन रस्ते आसात. हो दुसरो रस्तो १९७६ त बांदला. या रस्त्याक ६ कोटी रू. खर्च आयलो.

१९३३ वर्सा हे देवूळ तिरूपती तिरूमल्ला देवस्थान या ट्रस्टान आपल्या हातान घेतलें आनी तेन्नासावन देवळांत हुंडीच्या रूपान येवपी येणावळीचो अुपेग समाजकार्याखातीर जावंक लागलो.

आयज या देवस्थानचे अठरा वेगवेगळे विभाग आसात आनी तांतुत सुमार ८००० कामगार काम करतात. संस्थानचे वतीन तिरूपती ते तिरूमल्ला अश्यो मिनटा मिनटाक सुटपी बशी आसात.

गरीब देवभक्तांखातीर हांगा फुकट बससेवा, फुकट रावप-जेवप आसा. देवस्थानचे वर्सुकीं अुत्पन्न सादारणपणान ४८ ते ५० कोटी रूपया जाता. देवस्थानच्या वतीन अपोलो–मद्रास हांगासर तीस खाटांचे हॉस्पीताल अुगडलां. तेभायर तिरूपती आनी तिरूमल्ला हांगाय हॉस्पीतालां आसात. तशेंच अेका सरकारी विद्यापीठाक वर्साक पांच लाख रु. ग्रांट दितात.

तिरूमल्ला दोंगरार अुदकापसून रावपामेरेन आनी टेलीफोन-पसून खाणावळीमेरेन सगळ्यो सोयी आसात.

तिरूमल्ला दोंगरार पावतकीर पयली तिरुपति देवस्थानच्या ऑफीसांत वचून अेक चार खाटांची रावतिका (कॉटेज) बुक केली आनी चावी घेवन आमी रुमार गेले. हांगा हून अुदकापसून च्या काफीची सोय. भायर काफयेचे थर्मास घेवन विक्रेते भोंवत आस-तात. देवस्थानचे वाटसुरेय आसात. फक्कत ५ रुपया.

न्हावनधुवन अकरांक देवळाकडे वचून पळय जाल्यार दर्शन घेवपाची परिस्थिती ना. रावाच्या मत्तान सर्वदर्शनाच्या रांगेन रावल्यार कमीत कमी पांच वरां तरी लागतली. २५ रुपयांचे खास दर्शन मेळपाक लेगीत अर्दवर जाय.

दर्शनूच घेवपाचे जाल्यार तें पैशे फारीक करून शें. या देवाक हांवे मानलो. जाच्या दर्शनाखातीर वरांचीवरां तिश्टुंचे पडता. खऱ्यांनीच देख घेवपासारको देव हो. घडये ताका सांगपाचे आस-तलें, संवसारातली खंयचीय तुमका आवडटा ती वस्त मेळयतलो तर ताका बरेच श्रम करचे पडटात. खडतर तपच्छर्या करची पडता.

आयज दर्शन घेतलेच ना. फाल्यां फांतोडेर सुप्रभातमचें दर्शन घेवंक जाय. आतां न्हीदल्यार बरो. चाराच तरी उठूंक जाय. रातीय स्टेशनार सारकी न्हीद मेळूंक ना.

बेंगलोर – ३१ मार्च १९८४

फांतोडेर चारांक रांगेन राविल्ले. सर्वदर्शन संक सुरू जाता. साडेसातांक दर्शन घेवन मेकळे जाले. चार वरां तिष्टून लेगीत दोळयांर पट्टी बांदलेल्या वेंकटपतीचें दर्शन घडलें ते अर्द सेकंद नदर थिरावचेआदीच थंय उबो आशिल्ल्या स्वयंसेवकान हात धरून फरफरीत फुडें धुकळ्ळो.

चार वरां रांगेत रावूनलेगीत व्हडलेंशे दिसलें ना. रांगेत वाटेक तीन व्हडली सालां आसात. थंय हजारभर लोकांची बसपाची वेवस्था आसा. त्या सालांत अंतराअंतराचेर दूरदर्शनचे सेट्स आसात. तेभायर वण्टीर आशिल्ल्या कर्ण्यांचेर मधूर संगीत चालूच आसलें. रांग सगळी बंदिस्त प्राकारांतल्यान तरीकय वाटभर तानेक, भुकेक जाय ते मेळटा.

दनपरां १ वराचेर तिरुपतीकसून वेंगलोर बसींत बसलो. बेंगलोरसून मुंबय. बेंगलोर पयलेच फावट कानडी तर अजिबात कळना. बोल्सांत २०० रूपया उल्ले. रमेशभाई आनी राव पैशे जाय म्हूण विचारताले पुण हांवे घेतले ना. ती तिगांय हुबळीसून गोंया गेली. आनी आतां हांगा शमीम ट्रान्स्पोर्टच्या ऑफिसांत चिंतेन बसलां. बेंगलोर पावनाफुडे पयलीं भायर मुख्य रस्त्यार येवन मुंबय वचपाच्या बसींची चवकशी केली. पुण आयची तिकेट ना. म्हाका कलकलो भल्लो. तसो हांव भियेवपी न्हय. पुण बॉल्स बलबलीत आसा. कितें करचें कांयच येवजना जावन शमीम ट्रान्स्पोर्टचे माळयेर आयलो तर म्हज्या नशीबान निमणी तिकेट उल्ल्या.

तिकीट १८० रू. व्हीडीओ कोच, चोवीस वरांचो प्रवास, आतांचें जेवण, फाल्यां सकाळीचा आनी फाल्यां दनपरां जेवण. दोन न्हय चार दीस हांव उपाशी रावून दाखयन पूण मनांत अेकूच भिरांत आसा, बसीक कांय अेक जायनास्तना बरेभशेन बस मुंबय पावल्यार पुरो. वाटेक खंयूय उल्ली जाल्यार दुस्मानाचेर लेगीत असलो प्रसंग येवं नाका.

मुंबय – १ अेप्रिल १९८४

आयज अप्रिल फूल. पूण हांव केन्ना फूल जायत भरवंसो ना. आतां बस बेळगांव पावल्या सकाळची सात जाल्यो.

रातीं आम्लेटपाव खावन आतां अठरा रूपया उल्ल्या. बेळगांवा बरी च्या घेतली, भाजीपुरी घेतली. पोटाक मारप बरें न्हय.

दनपरां तीनांक बस पुण्या पावली तेन्ना बरे खावन घेतलें. मागीर बद्द साडेसंक खंडाळयाचो धाट. आरथित परथित बस पनवेल पावली आ ी माथ्यावयले बरेच ओजें ल्हव जाले.

आतां अेकूच हुस्को, बस उसरां पावल्यार नानाका[illegible] बंद करतलो आनी मागीर सगळे सामान घेवन काडाओ[illegible] म्हाका अेकटयाकूच गोरेगांव वच्चो पडटलो.

पूण बस सवायआठांकूच व्ही. टी. क पावली बॉल्स[illegible] रुपया उल्ल्यात. आतां हांव राजा. ओर्‌राद टॅक्सी के[illegible] ऑर्द सोडली, 'ठाकूरद्वार नाका !'

आनी नानाकाकाच्या दुकानार बरणेर डाय[illegible] बरयतना सुटकेचो श्वास सोडलो.

[illegible]

कुळागर

नेमाळयाची मालकी आनी हेर तपशी[illegible]

प्रपत्र क्र. ४

१) प्रकाशन स्थळ...		मडगांव (गों[illegible]
२) प्रकाशन काळ...		मासिक
३) मुद्रकाचें नांव		चंद्रकांत केणी
,, राष्ट्रीयत्व		भारतीय
,, पत्तो...		मडगांव, गोंय
४) प्रकाशकाचें नांव ,, राष्ट्रीयत्व ,, पत्ता	}	,,
५) संपादकाचें नांव	}	प्रकाश थळी नारायण वाद[illegible]
,, राष्ट्रीयत्व		भारतीय
,, पत्ता		मडगांव–गोंय
६) नेमाळयाची मालकी		कुळागर प्रका[illegible] मडगांव (गो[illegible]

हांव चंद्रकांत केणी जाहीर करता कि वयल[illegible] माहिती हांव जाणा आनी मानतां ते भशेन खरी आ[illegible]

ता. १–३–१९८५

चंद्रकांत [illegible]
प्रकाशकाची[illegible]

च काणयो

काणी

ही काणी आसा टिपू सुलतानाची. टिपू हो म्हैसूर राजा हैदर अलीचो पूत. म्हैसूरचो वाघ म्हूण वळखतात. म्हैसूरचे राज्याचेर ब्रिटिशांनी घुरी तेन्ना ताणे खूब पराक्रम गाजयलो. पुण निमाणे द्नम हांगा ताका झुजतां झुजतां मरण आयलें. हो ल्तान राज्यार आसतना स्वताक कारागीर म्हणपी एक दीस टिपूच्या दरबारांत आयलो. तेन्ना खूबशे र राजाम्हऱ्यांत येताले, आपली कला दाखयताले राजा तांच्या कलेक फावसारखीं इनामां तांका . असोच हो कलाकार टिपूच्या म्हऱ्यांत आयलो णे ताका कला दाखोवपाची इत्सा परगटायली.

‘ अशी कसली कला आसा तुजेकडेन ? ’ टिपून ताका विचाल्लें.

‘ एक फूट जाडयेची आनी धा फूट उंचायेची वणत बांदची. त्या वण्टींत पाव इंचाचो एक बुराक दवरात, हेवटेंचें तेवटेंन दिसता तसो. हांव पन्नास फुटांवेल्यान तांदळाचो दाणो त्या बुराकांतल्यान आरपार उडोवन दाखयतां. ’ कलाकारान आपली नेमबाजी सांगली.

टिपू सुलतानाक मात्शें अजाप जालें. ताणें रोकडचा रोकडी तशी एक वणत बांदूक लायली आनी त्या कलाकाराक आपणाली कला दाखोवंक सांगलें.

उलयिल्ल्याप्रमाणे खऱ्यांनीच त्या कलाकारान एक तांदूळ घेवन पन्नास फुटांवेल्यान त्या बुराकांतल्यान वण्टीच्या दुसऱ्या वटेन उडयलो. मात्सो लेगीत तो हेवटेन तेवटेन वण्टीकडेक आदळलो ना. सगळयांनी ताळयो वाजोवन त्या कलाकाराचें कौतुक केलें. टिपू सुलतानानय ताजें कौतुक करून ताका विचाल्लें, ‘ कितलो तेंप लागलो तुका ही कला शिकूंक ? ’

सुलतानान आपुलकायेन विचारिल्लें पळोवन कलाकाराक आनंद जालो. सुलतानाक सलाम करून ताणें सांगूंक सुरवात केली. ल्हानपणासावन हांव यत्न करतां. हालींच म्हाका ह्या कलेंत येश मेळ्ळां. कला साध्य जाली तसो पयलोच हांव तुमचे पायांकडेन आयलों तुमकां दाखोवंक ! ’

‘ बरें केलें तुवें ! ’ सुलतानान म्हळें. ‘ अथक परिश्रम करून साध्य केल्ले कले खातीर तुका फावोशीच तस्रीप दिवक जाय. ’

सुलतानाचे तोंडार आतां येदोळचे कौतुक बी कांय दिसनाशिल्लें. परतें जाल्यार ताज्या कपलाक मिरयो पडिल्ल्यो. थोडें थांबून ताणे फुडें मोठ्यान म्हळें, ‘ हाका आतांच्या आतां व्हरून सुळार दियात. ’

सुलतानाचो हुकूम आयकून कलाकार सामको कुळकुळ्ळो. ‘ म्हाराज, असो किते गुन्याव म्हज्या हातसून घडलो म्हूण तुमी म्हाका अशी खर ख्यास्त भोगयतात ? ’ ताणे टिपूचे पांय धल्ले.

‘ पिश्या, देवान तुका सगळयांत बुद्धिमान अशा मनशाच्या जल्माक घालो तो कितें असले हे नाका जाल्ले उद्येग करपाक ? ल्हानपणासावन सुमार पंचवीस वर्सां वगडावन तुवें ही जी कला शिकून घेतली तिजो किते

लाव ? समाजाक, देशाक उपयोग तरी कसलो ह्या कलेचो ? ह्या कलेक ही असली ख्यास्त मेळिल्ली पळोवन दुसरो आनीक कोणच असली कसलीय नाका जाल्ली भानगड करूंक वचचो ना !'

खरी न्हय ही गजाल ? ही काणीय आवडपाफाटलें कारण कितें हें तुमच्या मतींत आयलेंच जातलें !

पांचवी काणी

महाभारत हें महाकाव्य तुमी वाचलां जातलें. निदान तांतल्यो गजाली, तांतले पांडव, कौरव तुमचे वळखीचे आसतलेच. महारूशी व्यासान हे काव्य रचलां. तांतले पापाक भिवपी पांडव आनी पापाचेरच आदारून राविल्ले कौरव ह्यो व्यक्तिरेखा जण एकल्याच्या मनांत सामक्यो घर जावन बसल्यात. रामायण, महाभारत हीं फकत काव्यां वो महाकाव्यां न्हयत तर मनशाच्या जिणेक आकार हाडपी ग्रंथराज हे.

ह्या महाभारतांत एका मोठ्या झुजाचें वर्णन आसा. कौरव आनी पांडव हांच्या मदल्या झुजाचें. हे झूज जावचें न्हय म्हुण सगळ्यांनीच आपल्या आपल्या परीन यत्न केले पुण कौरवांच्या हट्टान हे म्हाझूज जालेंच. म्हाझुजाचो दीस थरून कौरव आनी पांडव आपआपले मदतीक आयिल्ले इश्ट सैन्यासयत अेकमेकांचे सामकारा उबो रावले. आनी ह्या वेळार ते अशे अेकमेकांच्या सामकाराक उबे राविल्ले आसतनांच आनीक अेका जगद्वंद्य अशा ग्रंथाचो जल्म जालो. तो ग्रंथ म्हळचार भगवद्गीता. कृष्णान अर्जुनाक ह्या वेळार जो उपदेश केल्लो तो उपदेश म्हळचारच ही भगवद्गीत बी सगळी सांगून जातकच झुजाक सुरवात करतले अशा वेळार धर्मराज युधिष्ठिर–पांडवांचो व्हडलो भाव–दयेचो महासागर आपले रथांतल्यान सकल देंवलो. रथांतल्यान तो सकल कित्याक देंवलो हाजो बाकीच विचार करतात इतल्यान तो झपाझप चलूंक लागलो. हातांत कांय वे नास्तनां. सगळीं आयधां रथांत दवरून. चलूंक लागलो तोच कौरवांच्या सैन्याचे वटेन.

'हां हां, थांब थांब' म्हण्टाले पांडवांचे वटे तरी धर्मराज शांत चित्तान कोणाचेंच कांय आयक नासतना चलूंक लागलो.

धर्मराज अशें कितें करता हें कोणाकच कळ्ळें ना! युद्ध नाका म्हूण ह्या धर्मराजानच सगळ्यांत चड हट्ट घेतिल्लो. युद्ध करचें पडूं नये, लोकांचो नाश जावंन निमाणे पांच गांवांचेर लेगीत संतुष्ट जावपाक जाल्लो हो धर्मराज ह्या वेळार कौरवांवटेन कित्याक आनी कित्याक ? युद्ध नाका म्हूण सांगूंकच पांडवांचे वटेन सगळ्यांचेर मर्णछाया पातळ्ळी. ऐन वेळार असो हो अवसानघात! आनी तो कोणे जाच्याखातीर, जाका राज्य मेळचे म्हूण हे झूज अ त्याच धर्मराजान असो अवसानघात करप ! सग तोंडां लजेन काळीं जालीं. आतां झूज नाका म्हूण म्हळचार शरण येवपासारखेंच! धर्मराजासारख्यान करप! कोणाकच कांय येवजना जालें.

पुण धर्मराजान कोणाचीच कसलीच पर्वा वे तो सरळ चलत गेलो तो भीष्माचार्य, द्रोणाचार्य, कृ आनी हेर जाण्टेले आशिल्ले थंय गेलो. दर जाण्टेल्याच्या पांयार तकली दवरून ताणें हात तांका म्हळें, 'हांव झुजाक उबो रावलां. म्हाका आ दिवंचो!'

आनी त्या सगल्यांनी मनापसून ताका आ दिले झुजांत जैतिवंत जांव म्हूण ! अशा नमळायेन मनशाक कोण येश आंवडेवचो ना ! धर्मराजाचें बळ वाडलें ह्या जाण्टेल्यांच्या आशीवार्दान !

दुस्मानाक लेगीत जिकूंक येता तो नमस्कारा धर्मराज हें जाणा आसलो. म्हूण्णच ताका धर्मरा नांवांन वळखताले. जाण्टयांक, गुरूक नमस्कार कर तांच्या आड उबो रावलो तरी पयलीं तांचो आ घेवंकच जाय! धर्मराजाचे व्हडपण ते ह्या नमळायेंत

अशो आसात ह्यो पांच काणयो. विचार बारीक साणेन ह्या काणयाचेर. तांतलें सार मतींत आनी सांगात. मनशाच्या जीणेक आदार मेळत सामर्थ्य ह्या काणयांत आसा कांय ना ?

वाचप्यांनो, अशा नीतीच्या काणयांची आज आ जीणेत खरी गरज आसा. तुमीय अशो नीतीच्यो क कुळागरांत उजवाडावपा खातीर धाडटले आनी आ धाकटुल्यांक कितेय तरी बरें वाचूंक दितले अशी करतांव.

(तीन काणयो फाटल्या आंकांत उजव आयल्यात.)

▣